मोतियां

चा.प्रा.चीं पदां

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
975

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

COVER DESIGN

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

1532
P7KOh
5/Oed

मोतियां

चा.प्रा.चीं पदां

संपादक

श्री फ्रेडकुमार कुच्चिकाडु

लिप्यांतर

गोकुलदास प्रभु

प्रकाशक

मांड सोभाण प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
975

हांत्ल्या 4-5 पदांक सोड्न उरल्ल्या सर्व पदांक श्री एरिक ओजेरियो हाणे ताळो आनी संगीत बसयलां

G1, PRE ' N93

मोतियां

चाफ्राचा पदांचो संग्रह

1993

© मांड सोभाण (रि)

संपादक : श्री फ्रेड्कुमार कुचिकाडु

लिप्यांतर : गोकुलदास प्रभु

उज्वाडाव्पो : माड सोभाण प्रकाशन
कोंकणी संस्कृते केंद्र
'आसरो' सेमिनरी विव
मंगळूर - 575002 द.क.

छापपी : दिगंत मुद्रण लिमिटेड
येय्याडि, मेंगळोर

कला : जगत आर्टस
बेंदूरवेल, मंगळूर - 2

मोल : रू. 20-00

मरणाचेर जयत जोडल्लीं कांतारां

परत्यान तिचं उतरां उचारिजे पडटात: तो जबरदस्त उजवाडाच्या किरणाळ सुर्याबरी आनी हांव मंद प्रकासाच्या मेणाळ वातीबरी; ताचेविशीं हांव कितें म्हण बरंव ? तो म्हज्या शाण्या बापायबरी आनी हांव ताच्या नेणत्या पुताबरी; ताचेविशीं हांव कितें म्हण सांगूं ? तरय थोडेपावटीं पोसोभर मिटान दर्याविशीं चिंतिजे पडटा आनी थेंबे थेंबे पिटान रुचिच्या पानपोळ्यांविशीं तकली खिरयजे पडटा किरणां कातींत रोंबल्याशिवाय सुर्याची धाव सांगोंक कळना आनी मीट पेजेंत चाकल्याशिवाय दर्याचें मोल मेजूंक मेळना देकून दि. चा.फ्रा.च्या 'मोतियां' पुस्तकाक हीं प्रस्तावनाचीं उतरां बरयतां:

मंगळुरी कांकणी कविताशेतांत ह्या शेकडचाचे सुरवेर बोव थोडे अनामीक कवी काजवोन माजवल्या उपरांत थिरासाणेचो कवी उबजाल्लो म्हळ्यार लुवीस मस्करेञ. मस्करेञा- सांगाता आनी उपरांत पन्नासावे इसवेपऱ्यांत मिणकाल्ले कवी मस्करेञाच्या पायां यळाय पावलेनांत. कोंकणीलोकाक कवितेचें गंधवारें जायनातलें म्हणटाना कोणेंय कित्यापासून खंयच्या गुंद्याचेर कविता रचची ? ह्या कित्याचीच परवा करीनासतां चा.फ्रा. दे कोस्तान, मस्करेञान नांग्रायल्ल्या शेतांत बेळें क्राडूंक सुरू केलें कोंकणी कवितेक मरयाद हाडचेखातीर सपणांभितरल्या सपणांनी 'सपणांतुलें राज' बांदून तो पेचाडलो ताचीच म्हळ्ळी वेगळी वाट धरली. कोणेंय ताचो पाटलाव करूकना तरय, पाटीं ताणे पळेलेंना पाटीं पळेंवकना जाल्लयान ताका आपुण एकसुरो म्हण कळ्ळेंचना. केदोळपऱ्यांत पन्नासांवयर वरसांच्य हे कविताजिण्येंत आकरेच्या पांवडयार ताच्यो कविता 'पंगडल्या' 'रंग-तरंग' पंगडांनी पदांखतीर आपणायतच 'मांड सोभाण' पंगडान ताच्या कवितांक नवीच घुंवडी दिली. पदांया कोवळ्यांनी, दूरदर्शनाच्या कार्यांनी चा.फ्रा, लोकाक लागीं जालो. मॉंड सोभाणावखीं ताच्यो विता लोकाच्या तोडांनी घोळूंक साध्य जाल्यो मांड सोभाणान कितें चा.फ्रा.क दिलें आनी चा.फ्रा.न कितें मांड सोभाणाक दिलें- ते हांगा बखन पुरो पडचेंय ना. गोंयचीं

भुरगीं ताका शाळेंत शिकतालीं तरय, जाग प्रकाशनान ताचें 'सोंश्याचे कान' पुस्तक परगटतच घरांनींय ताका वाचचो अवकास लाबलो. त्या पुस्तकाक केंद्र साहित्य अकादेमिची ऊंच प्रशस्ती अपणायतच ताचें पुस्तक प्रगती प्रकाशनान कानडी लिपिंतय परगटलें. पाटापाट मंगळुरी कोंकणी परजेन चा.फ्रा.क 'कोंकणी साहित्य कुलरत्न' म्हळ्ळें बिरुदय दिलें

म्हजेलागीं तशेंच 'जागे कवी' पंगडाद्वारीं मंगळुरी कोंकणिंतल्या जायत्या कवींलागीं चा.फ्रा.न संबंध जोडल्लो. कोंकणी कविताशेतांत आयलेवार जी बदलावण घडल्या, ताका चा.फ्रा.च्यो कविता कारण न्हय म्हण सांगोंक कोणय धयर घेंवचोना ताचे सावळेंत आमचे जायते तरनाटे कवी वाडोन आयल्यात आनी आतां ताच्या मरणांत तांणी तांच्योच वेगळ्यो तरय कोंकणीक ऊंच उबारच्यो वाटो धरूंक आसत. ताचें मरण आमच्या कवींक जियेंवचें धयर, कवी जावन उंचायेक चडचें हट फावो करच्यांत नवल ना.

'मेल्ले म्हशीक बारा शेर दूध' म्हणचेबरी चा.फ्रा. मात्येक सारें जाल्लोच- कोंकणिचो भीष्म, कोंकणी मळबावयलें शिमटीनेकेत्र - जालो. पुण म्हाका आनी चडीत करून 'मांड-सोभाण' पंगडाच्या एरीक ओझेरियोक चा.फ्रा.चो जल्म, ताची जिणी आनी ताचें मरण आमच्या जीविताचो अर्थ सोदूंक सवाल उडवन गेलां

बरवपी जावन चा.फ्रा.क समाजेचो हुसको आसल्लो. ताचो पत्रां बाळवलींनांत बाळवलींनांत म्हणच्याकय बदलोंक तयार नातल्लया आमचे समाजेन तीं मांदलींनांत ताच्या नाटकांची गतय तशीच जाली 'दोरो', 'तरनें तरनें मोरनें', तसलीं नाटकां तीस वरसां आदीं लोकान इनकार करून आयलेवार इनामांचो शिंवारे वोतून आपणायलीं . म्हणटच चा.फ्रा.च्या दोळ्यांमुकार तीस वरसां उपरांतली समाज आसल्ली. ताणे फुडाराखतीर बरयलें ताच्या आनी आमचे समाजेच्या चिंतपाच्या वेगाचो फरक कितलो जाणांत ? एक न्हय, दोन न्हय .... तीस वरसां ।

चा.फ्रा. एक उत्तीम भाषणगार. ताच्या उतरांची धोमोस आयकोवप्याच्यां काळजाक रोंबताली आनी कानांक नाटवाताली. ताच्या उतरांनी मनां पिसवंवचो, काळजां धलंवचो जादू आसल्लो. हो जादू, ताच्या मरणान आमचेथावन झोंपय़ मारन वेला तरय ताच्या नाटकां आनी कवितेवरवीं शेकडयांच्या शेकडयांक, कोंकणिची पिळगी बाळवतावरेग शास्वीत उरतलो

पत्रकार जावन चा.फ्रा. सांगाता उण्यारउणे सात वरतां तरय खांदाक खांद लावन म्हळ्ळेबरी हावें तिंतेर झरयलां. हरयेका अंक्यापाटल्यान ताणे करची ती तयाराय, विषय मांडून हाडची रीत, लेखन तयार करच्यांत कसलेच कश्ट लेकीनासतां करचो वावर कोंकणी पत्रगारिकेंत हावें आदीं जांव, आतां जांव देकोंकना. दुडवाचे अडचणेक आनी जायत्या हेर कारणांक ताचीं पत्रां कुरवालों तरय, काडल्लो हरयेक अंको कोंकणिचे चरित्रेंत शास्वीत उरतलो

पुण साहिती चा.फ्रा.क हावें चडीत पसंद केल्लो म्हळ्यार कवी जावन! हरयेक कविता नव्या चिंतपाचे बुन्यादिचेर तो रचतालो त्यो वाचतल्याक एकेकपावटीं एकेक इमाजी दोळ्यांमुकार फुड जातात. सांजेच्या सुर्यान मोळबाच्या पोल्यार पसरांवच्या रंगाबरी ताच्यो कविता रंगाळ. आपुट दुधांत लोणी उपेल्लेबरी ताचे कवितेंनी संगीत उपेता. ताचे कवितेंचो स्वाध - वाचून जिरयतल्यांक मात कळीत. ताचे कवितेंनी म्हाका हरयेकपावटीं नवोच अनभोग दिला आनी त्यादेकून ताच्यो कविता परिक्षेक भुरग्यान लिसांव शिकल्लेबरी हांव शिकलां

चा.फ्रा.न पदां तीन वेवेगळ्या पांवडचांचेर घडल्लीं पयलें नाटकांखातीर ताणे हो वावर केलो तर, उपरांत थोडया संगीत कान्यावळींखातीर ताणे पदां घडलीं. आकरेक ताच्यो कविताच मांड सोभाण पंगडान ताळे बसवन गायलीं. पुण चा.फ्रा.च्या सरवय पदांक कवितेचीच मरयाद आसा. ताळे लावन तीं गायताना तांकां आमी पदां म्हणटांव तरय तांचे बांदावळिचे दिश्टीन, अलंकारिक दिश्टीन, तांतूं उब्यो जांवच्या इमाजिंचे दिश्टीन, चिंतपाचे गुंडाये दिश्टीन चा.फ्रा.चीं पदां कविताच ! उपरांत तांतलो लय, ताळ आनी उपेंवच्या संगीतावरवीं

तीं आपापींच पदां जावन बदल्ल्यांत चा.फ्रा.च्या चडुणे सरवय कवितांक कांतारां जावन बदलुंची सकत आसा आनी ताचीं सरवय कांतारां आपलेस्तकीं कविता जावन उरतात

चा.फ्रा.च्या पदांनी मोगाचें मेल, निराशेचें तेल सराग उपेता. हो मोग उतळ न्हय; गुंडायेंत पाळां रोंबयल्लो. देकून मेंदवांत मोगाच्या चिंतनांचो रोवो सदांय किरलता खंय एकपावटीं तो पोल्यावेलीं भिंरडां फोडूंक उड्डाता आनी खंय एकपावटीं मोग करूंक वचून चेडवाच्या केसांची बोबपिन आनी बाजवेची आलपिन गालांनी रोंबवन रगताचो व्हाळ व्हाळयता मोग तितल्यार निंवना; आलपिनेचो कांटो काळीज फापसुंदी म्हण तो बोबो घालता

चा.फ्रा.च्या कांतारांनी जानपदाचो झरो तशें कोंकणी रुकावेलो घरो भरोन वोमताता कोंकणी भोशेचें रुदान, आमची भास, कोंकणी काजार - तचो कोंकणिचेर आसचो हुसको दाकयताना. आडकुलोगो बुडकुलो, सात सात चोवदा सन्नां, फारार फार, काल सांजेच्या वादाळार, कलवंताच्या कमरावेरी, बाणावलेच्या रानांतू इत्यादी पदां, चा.फ्रा. कोंकणीमात्येच्या चमत्कारीक उतरांचो सुतारी म्हळ्ळे संसाराक कळयतात

तत्वगिन्यान पाचारचीं जायतीं कांतारांय ह्या पुस्तकांत आसात एकेक पद एकापरस उंचलें - भुंयमंडळांतल्या एकेका घरांत व्हरन पावंवचे तसलें. हो अनभोग तुमींच 'मोतियां' पुस्तक घेवन, घेतल्याउपरांत वाचून, वाचल्याउपरांत गावन, गायल्याउपरांत हेरांक सांगोन भोगूंकजाय.

हीं कांतारां - चा.फ्रा.मरोंकना, जिवंत आसा म्हण पाचारची कांतारां हीं कांतारां चा.फ्रा.च्या मरणाचेर जयत जोडल्लीं कांतारां तीं आतां बुकारुपीं परगटच्या 'मांड-सोभाणाक' शाबास्की दिताना, तीं वाचूंक सुरवात करच्या तुकाय चा.फ्रा.च्या पदांच्या संसाराक बरो येवकार मागतां

'मोतियां' पुस्तकाद्वारीं चा.फ्रां तुमच्या सरवांच्या घरांनी सदां रावों

14-3-1993

मेल्वीन रोड्रीगस
रियाद

चा.फ्रा.दे कोस्ता

★ 10-10-1931 मंगळुरच्या मार्नेमिकाटयार जल्म. चार्लस फ्रांसिस म्हण वोलायल्लें

★ 1934 दो । कास्मिर मोतिचे चिकित्सेन एका घोर अस्वस्थातंलो पाशार. उग्डास दवर्न पयणाशीतं दो । मोतिच्या मरणावेळीं ताच्या जिविताचेर एक लांब लेखन बरयल्लें ।

★ 1946 पथलो नाटक, "निष्टुर बोतल" शेजाऱ्याचा सोप्यार खेळयल्लो. पडदो जावन शेजाश्निचें कापड हाडल्लें
प्राथमिक शिकप - जेप्पु सांत जुवांव हायर एलिमेंटरि इस्कोलांत. 1948 मिलार हायस्कूलांत एस.एस.एल.सिं पास ।

★ 1-5-1948 कुटमासंगीं बोंबयांत वस्ति. भारतीय एलिसांव खत्यांत पयलो वावर. अडेज वर्सांनी बि.इ.एस.टींत काम. मागिर धा वरसांनी स्वंत छाप्‍वानो उघडलो.

★ 1951 पयणारितं बरप. आठ वरसांनी त्या पत्राचो संपादक जालो. त्या वेळार 'वोलाची मर्याद' पयली कथा आनी 'तुकाय आसा वांटो' पयली कविता उज्वाडाक.

- ★ 1953 आकाश्वाणिचेर सराग कवितांची वित्राव्णी पयली कविता 'सण्णांतुलें राज' मीर्ग, उदेंतिचें नेकेत्र, पर्जेचो आवाज आनी साद पत्रांचेर उज्वाडली. आकाशवाणिच्या श्री विष्णु नायकान गोंयकारांक ताच्यो कविता वाचुन दाकयल्यो. 'कोंब्ल्या बाबानो साद रे घाला' गीत खूब गाज्लें
- ★ 1955 ''आंक्वार मेस्त्री'' बोंबयच्च्या इंग्लेज पत्रांनी विमरस्याक आयलो. एदोळ पऱ्यांत ताचे 18 प्रयोग जाले.
- ★ 1956 जागमागाचो संपादक.
- ★ 1960 पयली कादंबरी 'सयंबाचें पातक' पयणारिच्चिया पानानी सांकळ कथा जाली. पयणारित दोतीविरोध संस्थो स्थापन, दोत नातल्ल्या 17 काजरानी सुधार्सुंचो पंगड. दोती विरोध नाटक 'सोभित संसार' मराठी दयनीक 'माराठांत' नांवाडिदक नाटकिस्त श्री.पि.के अत्रे थाव्न विमर्सो जोडता
- ★ 1962 गोंयच्च्या पाठपुस्तकानी कविता आवरतात.
- ★ 1968 'भांगार मनिस' नाटकाचो पयलो प्रयोग प्रेक्षक नास्तां रद्ध जाता. पुण मागिर ताचे लगबग 25 प्रयोग जातात. ताचे 7 नाटक कलासंपताचीं इनामा जोडतात । क्रमेण 13 नाटक, 7 मोटवे नाटकुळे, पांच नवल कथा, निन्शां वयर कविता आनी लेक नातल्लीं लेखना, प्रबंद, बरवन काडता
- ★ 1969 मंगळुरांत वस्ती. 'जोर्जी बुतेल' आनी 'तर्नें तर्नें मोर्नें' नाटक मांचियेर येतात.
- ★ 1974 काजर, कोंकणी भाषे मंडळाचो स्थापक अध्यक्ष.
- ★ 1975 पावूशंत कोर्गार क्रिस्तांवांचें शोषण ''उदेव'' पत्रांत उग्ताडाक हाडता.
- ★ 1976 'जिवित' पत्र उगडता
- ★ 1986 गोंयां सांक्ळेंत 'अखिल भारत कोंकणी लेखक सम्मेळ' चो अध्यक्ष.

★ मंग्ळुरच्या 'परडेला', 'रंग तरंग', 'मांड सोभाण' संगीत जमयांक 150 वयर गितां रच्ता ।

★ 1988 गोंयांत च्यार पुस्तकां नागरिंत उज्वाडटात

★ 1989 'सोंश्याचे कान' कविता जम्याक 'केंद्रीय साहित्य अकादमी प्रशस्ति'. गोंयच्या इंग्लेज, कोंकणी आनी मराठी पत्रांनी लांब धीग उल्लेख आनी लेखना. केरळच्या मलयाळी पत्रांनी कथा छाप्तात.

★ 1990 मंगळुरची कोंकणी पर्जा ''कोंकणी साहित्य कुलरत्न'' मान दिवुन सन्मान करतात.

'मांड सोभाण' हाचो गव्रवाध्यक्ष. एदोळ्चा सरव 'मांड सोभाण' संगीत कान्यावळिंनि 'सुतार' जाव्न लोकामतिकं दादोस केलां

गोंयांथाव्न कोंक्णी अकादमिची प्रशस्ति घेव्न पाटीं गावांक पावल्ल्या चाफ्राबाबान दोनंच दिसानी म्हण्जे 1992 दसेंब्र 3वेर आप्लें जिप्ये पयण संपयलें. चाफ्रा अमर जालो.

अमर चाफ्राबाबच्या व्यक्तित्वाविशीं सांग्चें तर धर्म, राजकीय आनी गोड्डु संप्रदाय, फितिस्पणां आनी पाडारी आतर्वणांचेर आप्ल्या लेखना, कवना, पदां, नाटक आनी भाषणानीं दयादाक्षेणेविण, भियाविण रोसाळ आनी गंभीर उतरानीं शीदा ठीकाप्रहार करुत आसल्लो विशिष्ट व्यक्तित्वाचो धीमंत.

एकच संग्तिचेर पदां आनी कवितेक सहजल्लीं उतरां वेवेग्ळ्या रितिर न्चल्लो आप्रूप शिल्पी तो ।

विडंबन, विनोद, ठिका, शिण आनी मायामोग उचारन सवांला उडवन, जाप विचारुन देवालागीं शीदा संवाद चलयल्लो मनिस अख्ख्या साहितिक शेतांत चाफ्राबाब सोडल्यार दुस्शे जळ्काना ।

कोंकणी संस्कृते केंद्र

'मांड सोभाण' - अमर चाफ्राबाबाचें सपण. तें उटाउटीं जार्येक हाडल्लें साधन एरिक ओजेरबाबाचें. मांड सोभाण इत्ल्या ऊंचाएक पावजे जाल्यार हया संस्थयाचा कार्यकारी समिती सांदयांचो मोटो वाव्र आनी कोंकणी अभिमानींचो सहकार प्रमुख कारण.

1986 व्या नवेंब्राचे 30 वेर स्थापित जावन आज 75 वें यशस्वी मांड सोभाण कार्ये प्रदर्शित करता. ह्या मोटव्या आव्देंत आमी आसा केल्ल्या साहसिक साधनाद्वारिं आम्कां समाजेंत उंचायेचो पाट लाब्ला.

आम्चो उद्देश कोंकणी संगीताची अस्मताई सोदचो, ताका नवें रूप दिंव्चो मात न्हय, कोंक्णी लोकवेद, देशीय विशिष्टता आनी स्वरूप मिस्ळांव्चें, विविद प्रांतांचा, भास्फुटांचा, कुळियेंचा कोंक्णी कलेक, कलाकारांक आनी कोंक्णीमोगींक एक्ताराचे गांटिन गांटांव्चों जाव्नासा. त्या दिशेन आमी सबार प्रयोग, साधना, कार्याविळिंचीं प्रदर्शना दीत्त आय्ल्यांव, संगीं जबरदस्त यश्य जोडल्या ।

देशभर शिंपडलेल्या कोंकणी कविंक एक्टाव्न मांड सोभाणान तांचा उतरांक ताळे बसव्न एदोळ्चा 74 प्रदर्शनानी गाव्न दाकयलां

कोंक्णी कलेच्या, साहित्याच्या वाळ्यांत आमी केल्ले सबार नवे प्रयोग तशेंच कोंक्णी साहित्याचे थरावळ प्रकार जाव्नास्चे - पदां, नाच, लोकवेद (जानपद) कला, रंदप - जेवण, रिती-रिवाजी आनी संप्रदाय इत्यादिंचेर आमी हाडल्ल्या प्रदर्शनानी खंडित बळाधीक प्रभाव पडला.

मांड सोभाण, जेवण सोभाण, गुमट सोभाण, माटव-सोभाण, नाच सोभाण, संव्साशचें पयलें बायला प्रदर्शन तशेचं संव्साराचों व्हड बायला प्रदर्शन, लग्भग 500 कलाकारांक एका मांचियेर हाडुन मांडो - नाच आनी पदांचें वय्भवीक प्रदर्शनाचें - मांडो फेस्त.

'परब' - पयलें अखिल भारतीय कोंकणी संस्कृते फेस्त - अक्तूबर 17 चाव्न 25-1992, आम्चा घनेस्त आनी गिरेस्त कोंकणी संस्कृतेच्या हर प्रकारांच्या थरावळ कुसांविशीं जागृत करुन प्रदर्शित केल्लें आनी सगळ्या संसाराक कोंकणी भाषेची गिरेस्तकाय आनी घन उंचायेक पावयल्लें एक म्हासाधन.

'अंतराष्ट्रीय बायला' - कोंकणी, सिन्हाली, केन्या आनी इतर बायला संगीत - नाच हांचें प्रदर्शन (कोंक्णेंत गुज्राथी दांडिया आनी पंजाबी बांग्रा नाचाचें मेळप).

'दबजो आर्केस्ट्रा' - काजरांक एक मात कोंकणी संगीत पंगड.

मुक्लिं एव्जणां:

कोंकणी संस्कृते केंद्र एदोळच्च स्थापित जालां. त्या मधें मांड सोभाणाचो गव्रवाध्यक्ष चाफ्रबाबान ह्या संसाराचें पयण आकेर केलां. कोंक्णेंत चाफ्राबाबान हात भोंव्डायनास्तां सोडल्लें कितेंच ना म्हण्येत. ताची सबार कृत्यां एदोळ पर्गट जायनास्तां बाकी उरल्यांत. आम्चा केंद्रान हें काम करचाक कमर बांदलां. आनी ह्या दिशेन पयलें हंत जाव्न ताच्या पदाचों संग्रह 'मोतियां' आज आमी उज्वाडायतांव, मुक्ल्या हंतानी ताचीं कविता, नाटकां, लेखना इत्यादी पर्गट कश्चो वाव्रय करुंक आसा.

चाफ्राबाबाच्या नांवार नाटक तर्बेती केंद्र आसा करुन युवजणांक नाटकरंगाच्या हर प्राकारानीं ख्यात नाटकिस्तां थाव्न तर्बेती दिवव्न चाफ्राबाबाचे नाटक हव्यासी थरान हर आयतारानी (खायं आयताराचो रंगमंच घडुन) खेळेंव्चे. पितुळ्चा बेंडाची मशेन वेची एक कला. त्या कलेक आनी ताचा कलाकारांक भद्रती दिव्यें खातीर एका निधियें स्थापन, मात न्हय कोंकणी कला आनी संस्कृतिंतल्ले जेय प्राकार आसात तांचीं सोध्ना करून, अध्ययन आनी प्रयोग करून कोंकणी भाषेक संसाराचा कोन्शाकोन्शाक पावंव्चा उद्देशान हो संस्थो

स्थापित जाला । ‘परब’ हांतूं केल्लें काम मुकार्सुन वर्त्रा उद्देशान कोच्ची थाव्न रत्नगिरी पर्‍यांत ‘कोंकण भंव्डी’ आसा करून कोंक्णी लोकांचों एक्तार कित्ल्या गर्जेचो म्हण कळंव्चाक एक जाग्रती. कोंक्णी अभिमानिंचो निरंतर सहकार आमी आंव्डेतांव

मांड सोभाणा तर्फेन
फ्रेड कुमार कुच्चिकाडु
उपाध्यक्ष

Accn No: 001532
WORLD KONKANI LIBRARY

1. उतरां

उतरां क्रोधान जळवंयेतात
उतरां मायपासान लोळंवंयेतात

उतरां शिणान कांपुयेतात
उतरां भियान धांपूयेतात

उतरां कोडसाणेन चिरडुंयेतात
उतरां अलक्षेन उडंवयेतात

उतरां रागान बडंवयेतात
उतरां मोगान मात गांवुयेतात

2. मागणे

ए कोंकणी रंगा ए नव्या तरंगा
लगीन तुम्चें जांव रे
रंग तरंग नांव पांव
कोंकणी गांवान गांव रे
कोंकणी गांवान गांव

गायन गळ्यांत गाजंव
पायानी नाच व्हाजंव
उत्रान उतर काळ्जां मतीं
आटव्न आटव्न आटव्न शिजंवरे

3. मागणे

धनिया देवा पाव
बगलेन तरी राव
सोसूंक न्हजो सोसुंक न्हजो
जिविताची दाव

मागोन मागोन तूं
नागोवन गेलाय मू
हांवेंय मागलें तर
दिशी कितें तूं ?

पेंकटांत म्हज्या मूंज
चिंतुंक येना ऊंच
कुडको एक दिनांय जाल्यार
दोनय दवर तूंच



4. वोरेसांव

आमचें मागणे वोरेसांव
व्हरगे घांटी गांवान गांव
ढांव ढांव ढांव ढांव

चिकोळेची पाकळी वोडून
चंद्रेमाचो कुडको काडून
तांब्डया रगता धार साडून

काळजांत तुज्या तरी मारून लांव
ढांव ढांव ढांव ढांव

चारांय कुशीं चुडी दिसों
मस्तकांत मांकोड नाचों
दीस तुजो कसोय वचों

रात आयची खुशल भरीत जांव
ढांव ढांव ढांव ढांव

5. नमो सर्वेश्वरा

नमो नमो नमो सर्वेश्वरा
आमच्या संसाराच्या साल्वादोरा
नमो नमो नमो ....

नेत्रावती जुवारी लागीं सरा
सत्प कोंकणांतु जिवाळ भरा
मेल्लेल्या पित्रानो दया करा
जियेंवच्या मित्रानो वेंगोवन धरा
नमो नमो नमो ....

मागतांव आज आमी आमच्या दारा
तोमा बेताळाची पारंपरा
नमो बापु स्वामी सांकतुवरा
नमो नमो नमो सर्वेश्वरा
नमो नमो नमो ....

6. बाणावलेच्या रानांतु

बाणावलेच्या रानांतु
बोबाव जणा मनांतु

रिगले कोले, रिगले कोले
कुंवडापिलांक न्हावुन गेले
आक्रांताचे उटले उले

बाणावलेच्या रानांतु
बोबाव जणा मनांतु

न्हयगा कोले, न्हयगा कोले
आयल्यां घेवून उतर उले
मंगळुरांतले चलयो चले



बाणावलेच्या रानांतु
पडल्यां तुमच्या मोगांतु

मोगान दोळे वोले वोले
गोपांत तुमच्या मेण जाले
रूपणे तुमचें दवरतले

जिवित भरून मनांतु
बाणावलेच्या रानांतु,

बाणावलेच्या रानांतु
एका एका खिणांतु
वोमते आनी उदारे
पडल्यां तुमच्या मोगांतु

7. तान भाग्लिंना

ओ ....तुज्या गालावयलीं
भिरंडां फोडुंक उड्डालों
तुज्या गालांची ताब्साण कशी
हाताक म्हज्या लाग्लिना

मोग म्हज्या काळ्जांत आसा
तोंडार उदेना
मोग म्हज्या मनांत आसा
उतरांत सादना

भिरंडां तुज्या पोल्यांवेलीं
फोडूंक मोगा उड्डाताना
तांबसाण तांची सांग कशी
हाताक म्हज्या लाग्लिना

सागोर मोगा मायपासाचो
तूं म्हण चिंतून उपेताना
मेक्ळ्या मोगाची साय शेळेर
कुडी अतम्यान भोग्लिना

दऱ्या पोटांत जाळां गालीं
तारल्या खोरूय पागलीना
तशी म्हजी तान गागेली
मोरा पऱ्यांती भाग्लिना

8. कोडयाळच्चीं बस्सां

तरनें एगत उटोंक जाय
मोणकीं तोंडां सुटोंक जाय
कोडयाळांतल्या बस्सांची ती लायलूट रावोंक जाय

कोंपटिशत कोंपटिशन
मुसमुसून ती येत गाडी
हांडीर आपल्या भुरग्याक घेवून आवय एकली मेट काडी
हाकले सायड हाकले सायड रायट म्हणून दरवड्टा
बाळशें तेणे आवय हेणें पळोवंक कोणाक परवड्टा

हांतलें वेगीं सुटोंक जाय
बिरमत दोळ्यांत उटोंक जाय
कोडयाळांतल्या बस्सांची ती लाय लूट रावोंक जाय

म्हातारो पळे हातीं दांडो पिरायेन कडकडटा
बरोडचिया सयत पोला कंडकटर दडबडटा
पिरा पोले दुंबु पोले म्हणून केवलो दारपिता
तितल्या भितर पोकरी बोटां बायलां कुल्यांक खरपीता

हांतले वेगीं सुटोंक जाय पोकरी बोटां कापुंक जाय
कोडयाळांतल्या बस्सांची ती लाय लूट रावोंक जाय

9. नवें वरस

पोटकळेचा फुलानी वेडकोळ मारली चंद्रेमा
परने किंतें नवें किंतें आमकां मातशें सांग मामा
कोणाक कायं कळचे आदीं झाड पिशें लायलां
नवें वरस आयलां

नवें वरस आयलां
परन्या पायांक नवीं जोतीं
नाचलीं दादले बायलां
नवें वरस आयलां

पोटकळेचे वेडकोळेंत चंद्राक कायं गमलेंना
परनें किंतें नवें किंतें सागोंक झरी जमलेंना
नवें कापड हाडचा आदीं परनें पिंजून घायलां
नवें वरस आयलां

नवें वरस आयलां
परन्या पायांक नवीं जोतीं
नाचलीं दादले बायलां
नवें वरस आयलां



10. मान ना

कल्वंताचा कमरावेरी भांगाराचें नेवाळें
नाका नोतीं गळ्यांत आसत सुवर्णाचें गोसाळें
तरी बाये तरी बाबा
आय्का म्हाका आय़्का म्हाका
संसराक हाचें भान ना
च्यार चोवगां मान ना

गरीबाच्या गुमटावेरी सोभागेचें गायानु
बोटां ताळ, पदां व्हाळ, नाच आस्येत पायानु
तरी बाये, तरी बाबा
आय्का म्हाका आय्का म्हाका
आय्कतेल्या कान ना
च्यार चोवगां मान ना

कोंकणी भास घासतेल्यांचीं मस्त जातात सोभाणा
फुलांमाळो गळ्यां तुरो मोडयायेरी रुदाना
तरी बाये तरी बाबा
आय्का म्हाका आय्का म्हाका
संसराक हाचें ध्यान ना
च्यार चोवगां मान ना



11. कापडां नात

रोजीगेर बोबाळ जाता
रोजी घोवाक गाळी दिता
कान म्हजो तांगेर वेता लज नसताना
आय्कून तिची दुखाळ कथा
काळिज म्हजें फासळून येता

कापडां नात न्हेसोंक लज उग्ती पडटाना
रोजीबायेक कापडां नात रोजीबायके कापडां नात
मिसाक वेचीं च्यार मात रोसाक वेचीं च्यार
रोजीबायेक कापडां नात रोजीबायेक कापडां नात
काजराक वेचीं च्यार मात बाजराक वेचीं च्यार

खंचोय घोव बिरमत पावत
कोणाचें तें काळिज रावत
नातल्यावेळिं न्हेसोंक लज उगती पडटना
घोव तिचो बेजार जाता
व्हडली एक थयली घेता
उटा उटीं बाजराक वेता घळाय नासतना

बिर्यालागीं रोजी वेता
बिर्याभितर दीश्ट दिता
दोळो म्हजो तांगेर वेता लज नासतना
कापडां आट्टी लकोन गेली
मात्यार पडून रोजी मेली
घरकार तिचो कापडां घेवून घरांत पावताना

12. माणक्यांचें लिसांव

हांव सांगोंक आयल्यां काणी
जांव आयकतेलीं शाणीं
आयका देकून ध्यानी मनी दोनी कानानी
त्या गादयांच्या मेरानी
बोबाळ केली माण्क्यानी
वादळ उटवन गनां वनीं च्यारी दिशानी

डरांव डरांव डरांव आमी डिस्को नाचोतांव
कोगळी बायेक कंतार कळना आमी शिकयतांव
डरांव डरांव डरांव आमी कांतार शिकयतांव
सोल्फां उतरां वोळचीं कशें आमी दाखयतांव

त्या आंब्या रुका तेणे, गायन गाजयलें कोणे
ताळियां मधें वाजलें विणे गोडश्या गुणांनी
कुहू कुहू कुहू काळीज कांपतागे लोव
आयकून थोडे माणके बोव रडतात शिणानी

कोगूळ एकसुरें बावलें, आयकून लजेन तोवलें
पाकटे फुलवन आकासाक पावलें दोनंच खिणांनी
हांगा सपंली काणी आयकतात दोनी कानानी
एक्सुऱ्या शाण्यांक लाव्येत वाटेक पांयशीं पिशनी

13. डायना बाय

ओ डायना बाय कुजनांत नाचता
हांच्या पोटांत कित्याक गा लासता
घागरो तिचो खाडके पऱ्यांत वयर उबता
सगळ्या गांवार खबर गाजता

आमोरेचेर कुंपार तिचो आयलोलो गुटान
एकलो म्हण्टा चोवना वेचो रावलोलो हटान
दुसरो म्हण्टा कुंपार अंक्वार तशीच डायना बाय
दोगायंकी तर भुरगीं जावनात कुंपार कसोकाय ?

तिसरो म्हण्टा बेजमेंताक आज पादऱ्याब आयलोलो
कुजनांत ताणी एकामेकाक दोळो लायलोलो
आंक्वार हातान आंक्वार बावळो बरोच चिड्डीलो
बरें भुरगें जायजे म्हणून पोलो मुड्डीलो

तिच्या पायान नाचता बावडी म्हाका वोळना
आयलो गेलो लांबय गोमटी कित्याक कळना
गांय्दोळाच्या तोंडांत क़ेदीं मोतीं गळना
नाचगे बाये नाचगे बाये संसार जळना

14. साळ्काची पाक्ळी

सळकाची पाक्ळी भेज दिवंक लागली
        हांव तळ्यांतु नाताना
लज म्हाका दिस्ली ताळयांच्या इडयान
        चंद्रेम तिळटसतना

पय्सापय्शिल्यान आंब्याच्या बोल्यान
        कोगळीन पिरलूक वाजली
पिरलुके नादान मोगाच्या सादाक
        शिरशिरो घेताना.......

लिपलेल्या मोगा साळकाच्या जाग्यार
        तूं जर म्हजे संगीं आसलो
सर्ग आनी संसार तळ्याच्या उदकार
        एक जातो कोण्णा ....

15. हांव पियेवन पियेवन मेलों

कोणाक सांगों नाका
म्हजें गुपीत राका
हांव पियेवन पियेवन मेलों
कोण तरी दोन थेंबे वोतून दिताले
तेन्नां जिवांत म्हज्या अजाप जाताले
परत्या परतून जीवंत जालों
हांव पियेवन पियेवन मेलों

बेब्दो म्हण वोलावन म्हाका तुमी पुरला
सोव्या शिरापानी मात्येक पायला
कोणे हेंडो म्हळो
कोणे बेब्दो म्हळो
हांव तालेंतां लिपयत गेलों
हांव पियेवन पियेवन मेलों

संसार हो अजूनी पातकांत लोळटा
सल्वण्यो लुक्साणा मात्याक माळटा
म्हाका उटोंक लाया
इल्लो वोतून दिया
पातकां लुक्साणांतलें सुटयतलों
हांव पियेवन पियेवन मेलों

16. कांटो

तुज्या केसांक चोयताना मोगा
म्हजे दोळे भरून येता
तोंडार चरचें वादळ पुसूंक
तकली केसांत पुरुन वेता

तुज्या केसांत पडलो मोसांत
लेकलें म्हजो मोगा वांटो
रगताचे व्हाळ रिगतां गालांत
तुजे बोबपिनेचो कांटो

हो कांटो गळ्याक तोपूंदी
हो कांटो काळीज फाफ्सुंदी
हो म्हजो दिवो पालवूंदी
तेसांव सलवूंदी काणी संपूंदी

तुज्या हरद्याक चोयताना मोगा
म्हजें काळीज फुमार जाता
तुज्या पालवांत चेपून खाडकी
रडुं म्हणून आशा येता

सदां वेंगेंत मोगा पासांत
म्हजो घेतोलोंगो वांटो
पाक्ळ्यो गेल्यो देंटूय गेलो
म्हज्या वांटयाक उरलो कांटो

17. हांव खरशेलों

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

हांव आशेलों आशेलों आशेलों
आल्मारितले बूक वाचूंक आशेलों
हांव खरशेलों खरशेलों खरशेलों
वाळय वाचून गेली हांव खरशेलों

रस्मा आंगलें तांब्डीं फितां न्हेसूनगो बाय
हालवन धलवन कमर तुजें खंयसर वेताय
गुळी जाता आटवन तुजी खतखती सोभाय
आशा येता आप्डूंक तुजी सिल्काची कोबाय

हांव आशेलों आशेलों आशेलों
तांब्डी फिंतां आपडूंक बाय आशेलों
हांव खरशेलों खरशेलों खरशेलों
घोव तिचो आप्डून गेलो हांव खरशेलों

निळ्या मळ्बार नेकेत्रांचो शिंवोर जाला
आत्मो म्हजो मेजूंक तांकां बरोच तानेला
दऱ्यावेळेर शिंप्डून आसात कोंग्याचीं करलां
काळीज म्हजें विंचूंक तांकां आशेन भरलां

हांव आशेलों आशेलों आशेलों
नेकेत्रां शिंवोर मेंजूक हांव आशेलों
हांव खरशेलों खरशेलों खरशेलों
म्हावाली मेजून गेलो हांव खरशेलों



18. किरा गा किरा गा



किरागा किरागा शिंप्टि कित्याक हालय्ता ?
करमलिच्या मळ्यांत कित्याक
कीर शिंप्टि हालयता ?
मतिमना चाळटासताना
मस्तें सवाल कालयता ?
किरागा किरागा शिंप्टि कित्याक हालयता

करमलिच्या मळ्यांत तरन्या फांत्या वेळांत
आंजु आमचें उड्टा मोड्टा सुरंगाराच्या ताळांत
उकल्ता त्या परमळांत कसलें नाकय फुलयता
कीर शिंप्टि हालय्ता........

आंज भडवो खांदीर बसून भंवर तिचें किसयता
उदेंतिचें रगत पुसून कपलार तिळो बसयता
आंजु आतां फातरातसलें अंतस्करण भुलयता
कीर शिंप्टि हालयता ....

हन्द्यावयल्या बोंगुल्यांचेर केसां राशी खेळ्टाना
चंद्रेमाचें चांदणे कुडीर आग्टें जावून जळटाना
अस्ल्यावेळीं सन्नेशी सयत नागडें पेंकाड धलयता
कीर शिंप्टि हालयता ....

19. कोंक्णी काजर

आल्तडिचो लोक आयलोगो काजराक
पल्तडिचो लोक आयलोगो काजराक
आयकोन काणी काजराची
काँक्णी लोका काजराची
काळ्जोराचो ताप आयलोगो माजराक

सावद मागप्याक सावद मागोंक कोंक्णी उतर मेळना
उपकार बावडूंक न्हवऱ्याबाबाक तेंक्यू शिवाय कळना
कोंक्णी मतिंत अशी कशी कोंक्णी वात जळना ?
पुडवें पावलां पेजाराक गुलाम जाल्यात इजाराक

आल्तडिचे उटले नाचोकं कोंक्णी व्हाजप व्हाजना
पल्तडिचे उटले नोचोंक कोंक्णी कांतार गाजना
वाड्तेल्याचे मोडकेंत लेगून कोंक्णी जेवण शिजना
सग्ळे लागतात रजाराक बेसांव पडों काजराक

हालव्न धलव्न वाडपी येता तुमची जतन करागा
दादोस्कायेन जेव्यंचें खाव्चें तुमच्या तुमच्या घरागा
कडिये बशी साडयार वोमती कोणी तरी धरागा
कांप लागा आयेराक, बेसांव कोंक्णी काजराक



20. आडकुलो गो बुडकुलो

आडकुलो गो बुडकुलो तेला तुपाचो
बायेगेर बाबु जाला फिरंगी रुपाचो
आंगणा दारा सुंरगार करा इंदा सोपाचो
बायेगेर बाबु जाला फिरंगी रुपाचो

बटाट्याचो बियाळो मातयेंत जर ओंपलो
बटाटोच जातलो दुसरो वाद संपलो
पियाव रोयल्यार लोसणी कांदो किरलून कसो येंवचो ?
भावोजीगो आमचो, बायेक फिरंगी कसो जांवचो ?

इगरजेच्या दारार गो बाय आमचें जालें
दिसाक तीन तेरसां लेखान ल्हान व्हड केल्लें
वारें ना वादळ ना घागरो कसो उबचो
भावोजीगो आमचो, बायेक फिरंगी कसो जांवचो?

रोजारिंचे मायेन पुणी बायेक आमच्या नाडलें
सांगात तिका जांव म्हणोन तिच्या जाळांत वोडलें
दोरीना कोळ्सो ना सांगात कित्या बांयचो ?
भावोजी गो आमचो बायेक फिरंगी कसो जांवचो ?

21. फारार फार

सोभयागे पंल्गणा इंदा पानानी
रंगवन काडा आंगणा तांब्डया बणानी

आज कोणी येंवचो आसा
आयकताती राती दिसा

धोलींचेर मार वय्ल्या वनानी
फारार फार जाताय राननी

पोळी करूक तांदूळ घाला व्हडल्या वनानी
पोळ्ये भितर पुरण भरा गोडा चुनानी
आज कोणी येंवंचो आसा
व्हाजया रे राती दिसा
धोलींचेर मार वय्ल्या वनानी
फारार फार जाताय राननी

पुरात चीवे लायात दिवे कव्ळ्या तणानी
वाट ताची सुरंगाराया वाती मेणानी
आज कोणी येंवचो आसा
व्हजया रे राती दिसा
धोलिंचेर मार वय्ल्या वनानी
फारार फार जाताय राननी

22. हांव पोवलेंत जागो जातां

वोडा रुकाबरी कलाकरा जीणे
बिडार खांद्यार करी, कावळो कोगूळ सुक्णे
त्रास लेकल्यात कोणे ग्रास केन्नाय उणें
लास पोटांत लिपवन, व्हजय आपलें विणें
हांव पोवलेंत जागो जातां
पेटेंत वोगो जातां
तांचे मदें आतां
उस्तून उस्तून दितां
जिविताचीं सतां
वोडारुकाबरी विल्फीय अशेंच करता
गोडा आवाज धरून कोंक्णी उत्रांत भरता
हॉलांत माटवांत नाचता काळजान काळीज गुंतता
विणें ताचें गाजता दिगंताच्या पोंता
हांव पोवलेंत जागो जातां
पेटेंत वोगो जातां
भुक लागल्यार आतां
उस्तून अस्तून खातां
जिविताचीं सतां
वोडारूकाबरी विल्फी तुजेंय जालें
बिडार केल्ल्या सुक्ण्यान पाल्यार मेळें केलें
कोयतो कुराड हातींत जोळ्वाक तयार करी
आयतो कवी मतींत आसो रूदन करी
आमी पोवलेंत जागे जातां
पेटेंत वोगे जातां
काम घाम मोळून
फुल पाक्ळी वोळून
विल्फी तुका दितां

23. जळार

दीस बुडलो रात आयली पडली सळार
दाटी मोटी वाट चुक्ली एक्ली जळार
दोळ्याक दोळो असो लागलो जाल्यार
व्हजयता पेंपारें म्हज्या कानार

जळारी जळारी उपकार करी
आडदोस मागतां तुज्या पायांचेरी
व्हजयनाका बिगिल म्हज्या कानांचेरी
प्रेशर कुक्कराचे गुड्डेबरी

कुशिन निदल्यागे ती येजमान म्हजी
ती नेणा इष्टागत म्हजी तुजी
पोल्यांक म्हज्या उमे दिशी जाल्यार
चाचवन चाचवन तुजी करीत सोजी

दुब्ळो कामेली हांव न्हयगे बाब
म्हाका चाबून तुका कितें लाब ?
रगताची रास तुका जायजे जाल्यार
डायेक्टर सायबाच्या कुल्यांक चाब

24. शिरांधारीचो पाव्स

चलो: शिरांधारीचों पाव्स मुन्ना असोय वोन्ताना
भिजून कित्याक वेताय मुन्ना सत्री नासताना
चली: सांतेक व्हचानारे बोना मिसाक वचना
सत्री हातीं आसतां मना जडाय सोसना
सांतेक व्हचानारे बोना मिसाक व्हचना

चलो: आमी बोणाक वचोयां
आमी रानांत नाचोयां
शिरांधारीचो पाव्स वोत्ता सत्री नास्ताना

चलो: केसांक फिंतां विस्तीद कोतां कुडीर आस्तान
जडाय कशी जायना मुन्ना मतीक सुस्ताना
संसाराच्यो रेग्रो रुली काय्दे आस्ताना
चली: तोडून काडूं मुक्ती जोडूंक भिरांत नास्ताना

चली: कुडीर तुज्या मुस्ताय्केचे बांध धोस्ताना
आशा येतच नाचोंक बेंडार कल्सांव नास्ताना
विचार देवाक रचलेंय कित्या लज नास्ताना
आदांव एवेक पेंकडार लेगून मूंज नास्ताना

25. रानांतल्या मांकडा

पाना इडयांतल्यान ....
पुस्पुशी लोव
युगा युगाचीं
मुस्मुशी दाव
तूंच म्हजो भाव ......
रानांतल्या मांकडा
ये खुशी पाव
बगलेन राव तूं
तूंच म्हजो भाव

आदांवची बोर काडली व्हडलीमांयच्यो काणयों
ल्हाना व्हडान, दोळे धांपून गळयल्यो मणयों
कोणे फट मारली कित्याक लाट मारली
चिंतून चिंतून जालें म्हजें मस्तक मोव

तुजीच खाडकी तुजीच उडकी तुजेच गूण चाल
दीस रात वेंगोन रावल्यांत जशी रूक वाल
तवळ तवळ खोर्जुता लोव
झडलेले शिंप्टेची पोरनिशी माव ....

सावकाराची अरनिल्ली मूट तुजेंच बेसांव
पाद्री टीचेरिची कूट तुजेंच लिसांव
तुजेच ते गूण इगर्जोंत लेगून
बोल्सानी हात घालून खोरपूंचें लोव

26. मायेमोगाची मामी

व्हाळा देगेरी मामी मामाच्या सांगाता रावताली
तिच्या शिरानी मायेमोगाची झरशी वाळटाली
आंब्याच्या रुकाक पळेल्यार तोरां घोस घोस देंवतालीं
पान्यांक तिच्या पोपाय लजेन तक्ली बागाय्ताली
मोगाळी मामये अशें कशेंगे ?
मायाळी मामये अशें कशेंगे ?
उल्या तुगेल्या अंकुरे पाल्या लागता पिशेंगे अशें कशेंगा

माम तोटांत आयलो जाल्यार वाट लागता तोटाक
भांगराचो फातर जावून पडटा खातेल्याच्या पोटाक
चुकून लेगून माडाक चोयल्यार अजाप गडपाता
दुस्र्याच दिसा बोंडुलो बावोन धरणीक शेवटाता
आवजाळी मामा अशें कशेंगा
दळ्दिऱ्या मामा अशें कशेंगा
हात तुगेलो लागताना लिंबया पडटा लाशेंगा अशें कशेंगा

माम गोटयाक वचत जाल्यार गोबळो भराना
मामी गेल्यार व्हडल्या कोळशांत जागो उराना
माम जावयेत गिंडयेंतलें दूद अर्देशें गिळटा
मामी जावयेत मायामोगान आपलेंय पिळटा
मोगाळी मामये अशें कशेंगे
मायाळी मामये अशें कशेंगे
उल्या तुगेल्या अंकुरे पाल्या लागता पिशेंगे अशें कशेंगे ?

27. बात्ताबाच्या पोटांत

बात्ताबाच्या पोटांत गुळो हाय
वेगीं वेगीं चिरून काडूंक जाय

उटाउटीं ताक्‍का व्हेलो
होस्पिटलांत दाखल केलो
बात्ताबाचे कांपूक लागले पाय

होस्पिटलांत बात्तबाचें कांयच चलना
लोंचा शिवाय म्हण्टात गांवार बोंचो हालना
बोंचो हालना, बोंचो हालना
नोट नोट देकल्या शिवाय कोणंच भुलना

वार्ड बॉयक पांच रुपय जाय
नर्स म्हण्टा पंच्वीस रुपय पाय

दाक्तेर सुरी धरिसोना
गुळो ताचो चिरीसोना
निळसो नोट पावयल्या शिवाय

पण्सा तेदो गुळो जालो हाय
बात्ताब दिसलो गाब जाल्ली गाय

आत्मो ताचो देवान व्हेलो
भिरांतीन तो गुळी जालो
सर्गार कोणय लोंच घेतीत काय !

28. इज्जाबाक इजार ना

इज्जाबाक इजार ना
तरी ताका बेजार ना
इज्जाबाक इजार ना म्हण
बिज्जामोक बेजार ना म्हण
आज काल इज्जाबाचें शिंतिद पाजरना

आसलें एक निळशें इजार ताच्या काजराचें
इज्जाबाक फळ तें जाल्लें ताच्या रजाराचें
बिज्जामेन रेशन हाडूंक ताचे दोनी पाय जोडून
व्हडलें जयत पोतें केल्लें त्याय इजाराचें

कापिये रंगार इजार ताचें शिंतिद भुलयतालें
न्हेसतासता काळजांत कोणी फोव कालयतालें
बिज्जामेक तें परनें जालें देकून कापून मेटार घालें
आज काल तें मेटार लोळोन पाय सुकयतालें

काळशा बणार इजार ताचें कसल्याय कामाक पांवचें
इगर्जेक सिमत्रीक काजराक वचोंक जांवचें
बिज्जामेन घाग्रो नातल्याक निदतासताना घेतलें न्हेसच्याक
इज्जाबान अर्दें पुडवें पेंक्टाक आतां लांवचें

29. कोंक्णी भाषेचें रुदान

आज़ मुगेली आसडी वोली कोंकणी म्हजें नांव
काळ्जाक मारिल्या भुरग्यानी भाली तांचें बरें जांव

आल्तारीर म्हजी बली भेटयली
इस्कोलांत म्हजी शीर तुटयली
दोगांयनी मेळून वोंडल्यो गा साली
मेलीं मुंगा हांव !

व्हडां व्हडांनी बोतलीक पावयली
दुब्ळ्या ल्हानांनी दिप्ती बावयली
उतरांची म्हज्या कसाय केली
कशें सोसूं हांव !

पिरायवंतानी कानाक खोवयली
तरन्या तरन्यानी कुज्नाक पावयली
काजरा हॉलानी घाल्तात गुळी
गुळी जालीं हांव !



30. सुडसुडे रेंवेचेर

सुडसुडे रेंवेचेर आप्टतालीं ल्हारां
चिंतून बसलां मोगा हांव लांब दीग व्होरां
ल्हारांक रेंव जाय रेंवेक ल्हार जाय
चिंतून लाचार जालां कोणाक कोण जाय

हांव जर जाय तुका
हांव जाय हाका ताका
हांव जर नाका तुका
सगळ्या संसाराक नाका, हांव नाका

पय्शिल्या मळबाचेर दऱ्यान उसयल्या दाय
मळबान फांक्ल्या ताचेर निळश्या रंगाची साय
मळबाक दऱ्यो जाय, दऱ्याक मळब जाय
चिंतून लाचार जालां कोणाक कोण जाय

रेंवे ल्हारांचे मेळी मळबावयले निळी
समजून घेयात तुमी म्हजे मतिच्यो वोळी
बाळाक मांय जाय मायेक बाळ जाय
चिंतून लाचार जालां कोणाक कोण जाय

हांव जर जाय तुका
हांव जाय हाका ताका
हांव जर नाका तुका
सगळ्या संसाराक नाका, हांव नाका

31. चंदामामा

चंदामामा, चंदामामा
व्हडल्या फेस्ताक येगा मामा
येगा चंदामामा

जिगि बिगी तारां मदें
चंद्रेमा तूं राय जाताय
मळ्बार तारां फुगताना
असो कसो रे भगून येताय ? हो .... हो .... चंदामामा
व्हडल्या फेस्ताक येगा मामा
शांवच्याक तुका मास दितां
धाटो मोटो जागा मामा

रोकेटाचेर बसून खंय
तुज्या आंगार वेतात खंय
आयले गेले देंवले जाल्यार
सोभाय तुजी उरात खंय ? हो........हो........चंदामामा
व्हडल्या फेस्ताक येगा मामा
पिंन्च्याक तुका सुर दितां
तांब्डो तांब्डो जागा मामा

32. झळ्काना

अल्तडी दोंग्रार मारललो उलो
पल्तडी मोगा पन्यान पाव्लोना
वोम्ताता म्हजा दुखांचो पेलो
तरी मुगेलो दोळो तोव्लोना
झळ्काना झळ्काना हें मतीक झळ्काना

पुर्विल्यो यादी मातीयेक पाय्तालीं
आंगा - अत्म्यांतु उजो उट्टाना
सुऱ्याचेर वचुंक निसण लाय्तालीं
करतेलीं कितें ? अशेंय जळ्टना ?
झळ्काना झळ्काना हें मतीक झळ्काना

चिंचेचीं फुलां बोक्डेचीं पिलां
मोगाच्या वस्तुंक कांय उणेंना
केसांची गुंगुर दुदाची गाब्ळां
एक्कांती कशी झर देंवना
झळ्काना झळ्काना हें मतीक झळ्काना

33. एका गुलाबाक तितीन पाना

एका गुलाबाक तितीन पाना
नवल केलां वोळ्टास्तना
धर-गो डिन्ना, धर-गो मिन्ना
आम्गेल्या घरा माळ्टलीं ना

आमी घेंवचीनांव आमी माळचीनांव
तुजी कूड धलना, तोडं फुलना, फुल दिताना

आम्गेल्या घरा धुपं धुवरता
सगळींच शिब्री हुंगतलीं ना
देवाचा कुडांत दिवो झळ्काता
संगळींच आंद्ळीं चोयतलीं ना
अम्गेल्या घरा शिंव्तीं आबोलीं
सगळींच आळ्शी वोळ्टलें ना
धर गो जिन्ना, धर गो विन्ना
आम्गेल्या घरा माळ्टलेंना

पायांक बांदलें पांयजण हांवें
सगळींच केप्पीं आयकुंचें ना
हातांत घेतली पिरलुक हांवें
जीवन म्हजें नाचतलें ना
मात्याक माळ्ळें पाक मोराचें
वांक्डया दोळ्यान तिळ्टलेंना
धरगो लिना, धर हेलेना
आम्गेल्या घरा माळ्टलेंना

34. कोगळींचो विवाद

आंबो पिकला, पियू पिया
जेव्णाक येगा पतिराया
भंव्तणी व्होर, व्हड तुजा
हांव जेविना, तुमींच खाया

लांब जिबेची मांय मेगेली
लांब काशेचो आन म्हजो
सुट-बुटांचो कुंपार आम्चो
निव्लेले रांदणीक फुंकी उजो
संगीं बसून आन पायां
तोंड धुयावो वेगीं येया

मायं तुगेली मोटी कोगुळ
केंळब्याचा तोटांत भंव्वें कोगुळ
आन तुगेलो अडेभागेचो
कुंपार खोटो विणगो सोम्गुळ
संगीं जेव्या माती खाया
संगीं गाया या बांग दिया

मांय आनी धय्राक आंसू
कुंपार आंसू उब्गणेक
पति तुगेले एक्सुरो आंसू
तांचेसंगीं बस रोवाणेक
देवाली माया वोगे जाया
तोंड धुयावो वेगीं येया

35. जोर्जी बुतेल

जोर्जी बुतेल्लो गाण्याक वेतालो
दीसभर तेल पिळुन घरा येतालो
जोर्जी बुतेल्लो विरार जातालो
आसल्याळीं गेलरीचेर आवाज़ कसलो?

जोर्जी बुतेल्लो जोर्जी बुतेल्लो
कालुबुलो कालुबुलो जातालो
जोर्जी बुतेल्लो जोर्जी बुतेल्लो
कुलुकुलो कुलुकुलो खातालो

आवाज कसलो बोकुल आस्तलो
शिंक्या वयलें दूध पियेव्न धांव्ता आस्तलो
जरलो आस्तलो उंदीर आस्तलो
जोर्जी बुतेल आय्कून मात गरम आस्तालो



36. तुम्चो गांव

तुम्च्या गावांत पावले तशे भोंवया म्हणुन जालें
तुम्च्या गावांत भोंवले आतां रावयां म्हणुन जालें

तुम्च्या दिसा चांफ्या वास तांत्ली सांज व्हरूं
दिली जाल्यार मोगान घेवूं नात्ल्यार मोगान चोरूं !

तुमच्या चलियांच्या मात्यार झिल्पां काळीज वोलें जालें
दोनंच हात वेंगोवं कशें खंय्च्या हातान धरूं !!
दिली जाल्यार मोगान घेवूं नात्ल्यार मोगान चोरूं !

तुम्च्या गावांत आम्चा बापानी सारलेलें आस्तलें फालें
नात्ल्यार कशें, उग्डास परने, आय्कानात मतींत जिरूंक
दिली जाल्यार मोगान घेवूं नात्ल्यार मोगान चोरूं !

आम्चा गावांत सळ्गी ससार आप्लेंय पेलें जालें
दिसता मतींत हेच मातियेंत जिवीत आम्चें सारूं
दिली जाल्यार मोगान घेवूं नात्ल्यार मोगान चोरूं !



37. देव पळेत आसा

हुंब्रार उबो जेजु राय
काळ्जांत सोभों मरी माय
नागवेलिची वाल म्हजी वाऱ्यार आसा
देव पळेत आसा

म्हाका कितें उणेंगाय
भात फुलुन जाल्या लाय
वर्सुगेच्या बाराय मासा दिसान दिसा
देव पळेत आसा

मोय्जे बापा इस्रायेला
फाराव्याक पाडाव केला
मेक्ळो केलो मायदेसा, बारदेसा
देव पळेत आसा

38. आदांव बापान खेल्लें कितें ?

आदांव बापान खेल्लें कितें ?
कोणेय तरी आम्कां सांगल्यार जातें
रात्ची सारकी नीद पडाना
आंबो तोरेंज या नेंद्रबाळें
लिंबो खाजुर या नारलावोळें
दिसाक मतींत जाप घडाना
आदांव बापा, आदांव बापा
खेल्लेंय कितें सांगगा बापा
मन्शाकुळा लागीं बापा, नाका तुका आपा लिपा
आमी चिंतुन चिंतुन चिंतुन चिंतुन जाल्यांव एका रूपा

पाद्री म्हण्टात आपुल मोटें
जाण्टे म्हण्टात फळ तें खोटें
मिशियांतुल्यान हासतात सांगताना
पोटांत नांगा करगलां तें
गळ्याक ताच्या शिरकलां तें
गुटये भाषेन दिसता चोय्ताना

शेकड्यां वर्सां आदीं खेल्लें ताणे
खातासतना ताणे देक्लां कोणे
तकली म्हजी चिंतुंक पावना
फळाक ताच्या उम्काळ घेतांव
रुस्तुरुसांवगा आमी दितांव
आजून दाडी फोडची रावना

39. मोग म्हाका कळना

आम्च्या घरामुक्ल्या एक जोड सुक्ण्या
तांब्डे बोंचीच्या मोगाच्या भरव्या
मोगाची दिवटी म्हाकाय दाकय
मोगाचीं केळीं मतींत पिकय
मोग म्हाका शिकय
मोग म्हाका कळना

आम्च्या घरा साम्श्वार जशें तशें आयलें
झांडा पेडांक तुवें मोगा पिशें लायलें
मनांत म्हज्या उजवाड जागय
उज्वाडांत त्या मोगा पिशें लागय
मोग म्हाका शिकय
मोग म्हाका कळना

आम्च्या घरा साम्श्वार रुकाचेरे बस्चें
रुकाचेर बसुन तोंड तोंड घास्चें
तांब्ड्या बोंचीनी केस म्हजे उगय
केसां सांदींनी मोगा पिशें रिगय
मोग म्हाका शिकय
मोग म्हाका कळना



40. इजाबेल

इजाबेलाच्या घोवागेर व्हावतात दुधा झरीगो
पिवून पिवून इजाबेलाच्यो फुगून आय्ल्यो पेरिगो

ओय ओय ओय

इजाबेलाच्या धोवागेर तोव्शिणीचें दालेंगो
खावून खावून इजाबेलाचें पोट उबार जालेंगो

ओय ....

इजाबेलाचो भरतारगा उतरांक जोडी मेळयमू
पोट पकेव्न गाल मोळून आप्ली मिशी वोळयमू

ओय ....

आगा म्हज्या भरतारा नाका तुजें दरबारमू
तुजें न्हयगा दातारा दुधातोव्शा कारबारमू

ओय ....

उतरा उल्याक आय्कना इजाबेल बावोलें
पणजेंतुल्या साय्बाच्या पायालागीं पोवोलें

ओय ....

साय्बा भोगस सावेरा मन्याद म्हजी उरय
देवागेलें आजाप करून पोट म्हजें जिरय

41. मोगाच्यो वोडी

मोग केलो एकच घडी
आय्ल्यो जिवाक वोडी मांय
संदा संदा भरल्त्यात घाडी
आय्ल्यो जिवाक वोडी मांय जिवाक वोडी

पोपाय खांवची आश जल्ली
पिशें लागलें मतींतु
भगचे आदीं आशा खाली
विरार जालें कातींतु

चाब्चे आदीं झडली दाडी
आय्ल्यो जिवाक वोडी मांय, जिवाक वोडी

हिरा काडी पाशार जाता
तशी तेलामेलांत्ल्यान
पुसुक्क करून निसरलें तें
हातां पायां चिलांत्ल्यान

मोगाच्यो त्यो नाना वोडी
आय्ल्यो जिवाक वोडी मांय, जिवाक वोडी

नुस्तें जिवें उडतें भडकें
जाता सारें मिटाचें
भरलेलेंय जाता बोडकें
कितेंच उरना गुटाचें

सुखोन जालां चाब्का बोडी
आय्ल्यो जिवाक वोडी मांय, जिवाक वोडी

42. शेंडो

चलोः हांव पाटले सिटीर बसलां
तूं बस्ल्या मुखले बस्केर
हांव भायर भितर लास्लां
अत्मो पडला रिस्केर
तुजो दुदया तेदो शेंडो
वांदरा भाषेन वागता
तटा फटा तटा फटा
नाकाक म्हज्या लागता

चलोः आगो हो शेंडो, आगो हो शेंडो
आगो हो शेंडो या कासुळेचो खांदो ?
चलीः व्हयरे हो शेंडो, व्हयरे हो शेंडो
म्हाज्याच मात्यार आसा वोगो तुका कस्लो वांदो ?

चलीः म्हजें शिंतीद चिंतुन कडलां
म्हजें काळीज फुटून रडलां
फॅशनानी उक्लून म्हाका
अर्दे वाटेर सोडलां
अर्दे रगत हन्द्यावयलें
भुरग्या बाळान वोडलां
देकून मात्यार संसाराचें
पूराय रेकॉन्ड मोडलां

चली: अरे हो शेंडो, अरे हो शेंडो
व्हयरे हो शेंडो म्हज्या लक्षणाचो गोंडो
चलो: व्हयगे हो शंडो, व्हयगे हो शेंडो
ताका चिंतुन शिंदुन वेता अक्कलाचो कांदो

चलो: म्हजे मतींत दुबाव चरला
हो खेळगे कसलो धरला ?
केस वाडोवन मात्या मुळांत
सारें गोबोर पुरला
या दिवोड भितर उरला
या कंट्री सोरो भरला
या पाय्नेलांत्ल्या जेजुबरी
संसार शेंडयांत धरला ?

चलो: आगो हो शेंडो, आगो हो शेंडो
मात्यार बांदुन केसां मुडो जडाय कशी सोसता ?
चली: अरे हो शेंडो, अरे हो शेंडो
म्हज्याच मात्यार आसा वोगो तुका कित्याक लास्ता !



चलो: तुजो दुदिया तेदो शेंडो ....
वांद्रा भाषेन वाग्ता
तटा फटा पटा फटा
चली: शट अप :

43. आम्गेर एक बाबु जाला

कोंब्ल्या बाबानो सादरे घाला
आम्गेर एक बाबु जाला
        आम्गेर एक बाबु जाला
        बाबु जाला

घरांत तेगी चलियो आमी
माम्मी सदांच शिण्ताली
मागचीं घरांत आय्लीं जाल्यार
"व्हरात हांका" म्हण्तालीं
        आमगेर एक बाबु जाला ....
        बाबु जाला

रातचो पाप्पा येता घरा
आम्कां देकोन शिण्तालो
पोटार खोरपून खरा खरा
"पेल्यान सरा" म्हण्तालो
        आम्गेर एक बाबु नाला ......
        बाबु जाला

घरांत आम्कां वास्रां तेगां
तांचेर कोणी शिणाना
आमींय चेडवां तीयं चेडवां
पेल्यान सरा म्हण्ता
        आमगेर एक बाबु जाला ....
        बाबु जाला

44. टिक टिक पान

टिक टिक पान
कण्केचें रान
सम्जना तर मना धर म्हजो कान
उमिण्यांची रास
तुजें म्हजें मास
नंगा भूखा हिंदुस्तान

तक्लेक एक वोट आसा आम्च्या देसांत
मोल ताचें रिगय्तात रगता मासांत

वोट जसो पेटेंत घालो
दिवोड तसो बिळांत गेलो
कोणे तरी गिळुन सोड्लो एका घासांत

वोट म्हजो ल्हान तरी घेतेल्याक म्हान
पोट म्हजें माटयाक वेता ताचें जाता भाण

टिक टिक टिक ....
वोट जालो काल पोर आम्च्या गांवांत
नवो सरकार आय्लो एलिसांवांत
तरी बाबा जायत कितें ?
चिंतांना मातें रितें
मोलादीक वोट म्हजो गेलो फोंडात !

वोट म्हजो ल्हान तरी घेतेल्याक म्हान
दिसांदीस गांव जाता भुकेचें साण

टिक टिक टिक ....

45. सात सात चोव्दा सन्ना

लग्नाक कोणी येंञ्चो ना
जेव्णाक कोणी बस्चो ना
सात सात चोव्दा सन्ना नाकात जाकीना

हाड जाकीना बुडकुलो लकय तळ्यांत
तुजें म्हजें उतर जाल़ां काञ्च्या मळ्यांत
उदका धार पुरोगो रोस कोणी लांञ्चोना
सात सात चोव्दा सन्ना नाकात जाकीना

आम्चें लगीन जातलेंगो पाव पेळ्यांत
पाञ्च्यां करना रोस लाव्यां अन्द्र्या वळ्यांत
पाद्री चीट वाचूचोना माटव कोणी बांदचो ना
सात सात चोव्दा सन्ना नाकात जाकीना

राक्तां अजून बुडकुलो तळ्याक पाव्लोना
सुरंगा फुलां विण्लो झेलो अजून बाव्लो ना
आय्कातागो जाकीना कोगळी मळ्यांत गायतना
सात सात चोव्दा सन्ना नाकात जाकीना



46. पुन्वेची रात

कोणालिगो तूं पोर, कोणालीगो नात
अर्दी जाली रात, हातांत ना वात
चांदणें आसत म्हण आयलीं

आमी दोगांय साडेसात
आज पुन्वेची ही रात
तरी चंद्रान केलो घात

एक पोसो भातगो एक पोसो लाय
फुल्ल्या आम्च्या तोंडार आज मोगरी जूय - जाय
नाच्तां नाच्तां लायगो आकासाचेर पाय
नाच्तां काबार मातेंगो पेंक्टार आय्ली लात

आज पुन्वेची.......ही......रात......

काळ्जाक तोप्ता भालोगो पोटाक पडता लास
केसान तुज्या चंद्रेमाच्या गळ्याक घालीन पास
गाल भरून हासगो उज्वाड पडों रास

आज पुन्वेची......ही......रात.....



47. आमी तुजीं बुलबुलां

सगळ्या जगा प्रास आम्चो
भेस बरो देस
तांत्ल्या तांतूं कोंकण आम्च्या
पोटा कुशी लास

कोंक्णी आम्ची भास
आम्चे माये पास
चाळीस लक्ष कोंक्णो आमी
[illegible]त्यार आम्च्या त्रास

वाह वाह रे कोंकणा सुटल्यांत तुजीं अंकणा
आमी तुजीं बुलबलां, आमी तुजीं साळयेरां
खंय्च्या रुकार गांव्चें आमी खंय्च्या गुडयार
चरचें आमी म्हणून कोण जाणा !

गोंय आम्च्या कळाराचेर
रास वोंप्ले लास

मारतात दोन जात लिपी
एकामेकाक घास
आमी कन्नड भाषेंत नास
तेणें केरळांत्ली भास

चाळीस लक्ष कोंक्णो आमी
आयकूत बोडाक त्रास
वाह वाह रे कोंकणा तूं तोड हीं बंदना
आमी तुजीं बुलबुलां ....

48. दाळ



फुल जालें देव हास्ताना
फळ जालें देव गाय्ताना
आनी फळाची ती दाळ जाली
देव नाच्तां नाच्ताना

मुगादाळ मानाची मोग वागय्ता
तोरीदाळ ल्हानांची भुक थांबय्ता
मास्ळी गांव घाणय्ता मास नांव म्हेळय्ता
दाळ मात सगळ्या गांवार एक्वट घडय्ता

पंजाबाची तेल्ती दाळ, काळीज धलय्ता
उत्तराची चाल्ती दाळ तोंड फुलय्ता
मराठयांची मसूर दाळ दूक भिजय्ता
अप्रूप्शें पोटांत मात घांटी व्हाजय्ता

केरळाची उडदा दाळ गाल फुगय्ता
तमिळांची पातळ दाळ [illegible]ता
गिरेस्ताचें जिरय्ता, दुरबळ्यांक उरय्ता
काश्मीरा थावन तेन्का पऱ्यांत एक्वट घडय्ता

49. स वो उपदेश

सात वर्सांचें बाळ मुगेलें
कुम्गारा दोतोरन उचारता

स वो उपदेस म्हण्टाना सम्जनास्ताना
माम्मी लागीन विचारता

माम्मी ताची आंय्डो घोंटुन
बांध्यासांत्लें निसरता
पाप्पाक विचार म्हण म्हण्टाना चली
म्हजेलागीं येवन सुस्कारता:

सांग पाप्पा म्हाका सांग पाप्पा
कोणी सांगीना सांग रपा रपा
प्रादुवार करचें म्हळ्यारी कितें
सम्जना म्हाका उतर मोटें

सांग पाप्पा म्हाका सांग पाप्पा
सांगूंक कळनास्तां जातां बेप्पा
जातां बेप्पा

दोन दिसां आदीं दोतोरन शिक्ताना
तक्लें ताणें तापय्लें
परत्यान परतीं सवालां विचारन
माद्रीचें तोंड धांपय्लें

प्रादुवार करचें म्हळ्यारी कितें
सांग म्हणोन लालेता
सांगोव्ना म्हणुन म्हजेलागीं येवन
हुस्कारन हुस्कारन गागेता
सांग पाप्पा ....

व्हड पिरायेन थोर जाणवायेन
सगळे मागणे धरूया
बेप्पा जाल्यांव चाप्पे जाल्यांव
देवाक विरार करूया

व्हय्याये साय्बा ल्हाना सानांचेर
बिरमत आमी पावुंया
प्रदुवाराचो उपदेस तांका
पुणी केन्सल करूँया
सांग पाप्पा..........



50. मिटाची कण

पेजे वाटली हातीं घेव्न
दऱ्या वेकेर राव्लांगा
कोणी विचारनाकात चोव्न
तोंड कशें बाव्लांगा ?

एक आस्ली मिटाकण
रागान म्हजेर उटल्यागा
म्हजो सांगात नाका म्हणुन
सरां सरां सुटल्यागा

एक आस्ली मिटाकण ल्हान सान मिटाकण,
घरचें म्हजें आयापण, सानपणांत व्हडपण

एका दिसा पिशेपणान
अन्दुया पायार राव्ता ती
चिव्ळ्या येदो म्हण्टा म्हाका
गाळी शिराप सोंव्ताती

दऱ्यायेदीं जातां म्हणुन
पिशे आशेन बुडटा ती
बाळ्पणा मित्राक सांडुन
दऱ्यांत वचून उडटाती !

जाय म्हजी मिटाकण ल्हान सान मिटाकण
घरचें म्हजें आयापण, सानपणांत व्हडपण

दीगा दऱ्या मिटाकण
तुज्या उद्कांत खिरल्यागा
वाटलेंतुली पेज म्हजी
मिटाविणें उरल्यागा

मासा मुदे मास्ळे लोदे
जेव्णाक म्हज्या नाकागा
ल्हान म्हजी मिंटाकण
आस्ल्यार पुरो म्हाकागा
दीगा म्हजी मिटाकण ल्हान सान मिटाकण
घरचें म्हजें आयापण सानपणांत व्हडपण



51. जिगि बिगि रात

जिगि बिगि रात ही जिगि बिगि रात
जिगि बिगि रातींत काजुल्यांची वात
जिगि बिगि रात ही जिगि बिगि रात
काजुल्यांचे वातींत कितलें म्हण दिसत ?

काजुल्यांचे झळ्केंत तक्लिश दिसत
तक्लेचे तेंग्ळेर केसशे आसत
आस्तित मुदियाळे, कोंगराळे, जिरसाळे
दोळ्यांक ना दिसत्, दोळ्यांक ना दिसत
म्हजेच मतीन म्हाका करचो हो घात
जिगि बिगि रात ....

वातिचे झळ्केंत आंगलेंशें दिसत
आंगल्याचे मोडींत कूडशी दिसत
आसतलीं बोंबगाळीं, सुळ्सुळी, हुळ्वुळी
दोळ्यांक ना दिसत, दोळ्यांक ना दिसत
म्हजेच मतीन म्हाका करचो हो घात
जिगि बिगि रात ....

जिगि बिगि झळ्केंत खाड्किशी दिसत
खाड्केचे उड्केंत तोंडशें आसत
आस्तलें वाड्कुळें, माणकुलें, गुळ्गुळें
दोळ्यांक ना दिसत, दोळ्यांक ना दिसत
म्हजेच मतीन म्हाका करचो हो घात
जिगि बिगि रात ....

52. तरनाटपण

भुरगेपण मरोंक सरोंक जाताना
तरनाटपण आंगापांगार येताना
सोसुंक नजो जाता मांय
मतींत जाता तशें कांय
बेणसुलिच्या पाडींत कोणी धांव्ताना
तरनाटपणा, तरनाटपणा
थका थका थका तुजीं उडकाणां
शिरान शिरो जातात तशो
गोड नारल तोप्ल्यांत घालुन दांब्ताना

वय्ले वोंट काळ्शेताना सोसाना
आंगा पांगा सुजीन गांव दिसना
सोसुंक नजो जाता मांय
मतींत जाता तशें कांय
पिटिकोटा नाडो कोणी वोड्टाना
तरनाटपणा ....
रात रात नाच्लें तरी वोळाना
उट्ता उजो वयर तरी झळाना
सोसुंक नजो जाता मांय
मतींत जाता तशें कांय
पिकली पुळी कोणे तरी पिळटाना
तरनाटपणा...............

53. बिरि बिरि पावसा

बिरि बिरि पाव्सा
बिरि बिरि पाव्सा
तूं येय नाकारे
म्हज्या पापियाच्या लग्ना दिसा
येयनाकारे

दोळ्यानी दूक फातर जालें
सय्रीक येतानांय थेंबो गळ्ळें ना
तुका कोणें रे सांगोन दिलें
न्हव्रयाचें तोडं हांवे पळेवना
भिरमतेन तुजें काळीज फुटोंरे
फण्णांत सासांव फुटता त्या जिन्सा
तूं येयनाकारे ....

गुन्यांवान काळीज शिजोन गेलां
धांप्लेलें पातक उबत गेलां
तुका कोणेंरे सांगुन दिलां
ल्हानपणी हांवें चून चोरन खेलां
शिक्षा नाकारे भोग्शी म्हाका
मागतां मुगेल्या पातक्व्या कुरसा
तूं येय नाकारे ....

आवय्च्च्या गुस्तार शेळें शित जेवलीं
बापय्च्या गुस्तार वोळ्वळ्यांनी लासलीं
तुका कोणे रे सांगुन दिलें
न्हव्रयाच्या गुस्ताक गुपीत आशेलीं
बाबु जातलो आगणांत खेळ्टलो
वोत सुशेगान येंन्च्या वरसा
तूं येयनाकारे.........

54. काळ्जाक वचोंक

काळ्जाक वचोंक पोटांत्ल्यान वाट
कायं मेळाना आड
मोग म्हगेलो आस्ल्यारी तुका
बशी भरून वाड

म्हज्या केसांनी बोटां चरय्शी पोटांत जळ्टस्ताना
उजो निवाना मोगाक पावना उम्या वेंगेची धाड

शिंव्तीं आबोलीं सदां फुल्तोलीं उगडास बेतास्तना
म्हाका दिनाका मेल्लयांच्या फोंडार झेले सोडव्न काड

दऱ्यावेळेरी करलांनी कुरल्यो पायां लागतास्ताना
करलां सोडुनी थय्ली भरूनी कुरल्यो घरांत हाड

हळदीचे खोले परमळा उल्यान आंतां फुलय्ताना
पुरणा पातोळी घरांत करताना म्हाका सांगोन दाड

धाक्टुल्या आळ्वान माणकुलो मोग संस्राक शिकय्ताना
पत्राडे जाले मेळ्ळें सांगाता ताय्कुळ्याचें झाड



55. आम्ची भास

मन्शा मन्शाक उतर आस्ता भेश्टें भाशिनाका
कोंक्णी भास आम्ची भास कशीय घाशिनाका

मेरसीबायेन जेंञ्चें न्हय पोस्णें सेंञ्चें आस्ता
मेरीबायेन खांञ्चें न्हय मानान जेंञ्चें आस्ता
मेरशें जाल्यार कशेंय घास लज दाक्षेण नास्ता
खांञ्चें म्हण, गिळचें म्हण कशेंय म्हळ्यार सज्ता

मिरोण मेल्यार पुरचो ताका बेजाराय तो करना
विगार जाल्यार मतियेक पांञ्चे, सरचें तो गा मरना
गोव्ळी बापाक मरण येना सरचेंय ताणें नास्ता
देवादीन जाल्ल्या ताका निकेपुंचें आस्ता

पियोनाच्या परन्या खांद्यार मांड्डो एदो आस्ता
दाक्तेराच्या बळ्वंत भुजार बुद्वंत तक्ली आस्ता
मंत्री साय्बाक मांड्डो नागा तक्लीय केदींच नास्ता
कुडिर आस्च्या बोड्क्याक ताच्या मस्तक म्हण्चें आस्ता



WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

56. आशेक वाट लाय्ली

हांव जांव तुज्या गिटाराची तार
मार मार मार बाये मार
व्हाजून व्हाजून व्हाजून
काडगो म्हजो नार
पय्ली पय्ली पय्सा पय्सुन पाट तुजी चोय्ली
काळ्जांत म्हज्या कोन्शा कोन्शांत आशा किरलुन आय्ली
तुज्यो फांतियो जातलों
तुजे पाटीर खेळ्टलों
मोगान मस्तेन लोळ्टलों
केस कात्रून सोड्लेय गाड्वा आशेक वाट लाय्ली
आतां .... जांव तुज्या गिटाराची तार
लागीं वेतच दिश्टिक आय्ली तुज्या हरद्यावय्ली
मायामोगान फुलुन आय्ली फुगासण भाय्ली
तुजा चेय्निंत वेतलों
ताचें पेंडेंट जातलों
तुज्या हरद्यार खेल्टलों
करियमणी बांद्लीय गाड्वा आशेक वाट लाय्ली
आतां .... जांव तुज्या गिटाराची तार
नदर म्हजी गालांवय्ल्या फोंड्कुलांचेर पाव्ली
जिग्ग करून काळ्जांत म्हज्या आशा अंक्रेव्न आय्ली
ल्हान्सो चाम्कोळ जातलों
तुज्या गालार बस्तलों
तुज्या बोटान मोळ्तलों
किम्चुन सोड्लो रगतान बुड्लो आशेक वाट लाय्ली
आतां .... जांव तुज्या गिटाराची तार

57. काल सांजेच्या वादळार

काल सांजेच्या वादळारी मांय
काल सांजेच्या वादळारी
सिल्काचें एक आंगलें उब्लें मांय
तेंक्लें आम्च्या पाटोसार
आंगलें उब्तालें फराफरा मांय
रास केसांची मळबावय्र
त्याय आंगल्यातं लिपोन आस्ली मांय
आंजा सारकेली एक नार

म्हाका नाका मांय, म्हाका नाका मांय
सांगात तुका जाय्त घरांत
लोव देंवय भितर व्हर

काल सांजेच्या बादळार मांय
काल सांजेच्या वादळार
आय्लेली नार ...... घट मुट मांय
चंद्रेम तिच्या कपलार
भिरडां तिगेल्या गालांचेर मांय
गुलाबा पाक्ळी वोंटांचेर
सर्गिंचे आंज उम्कळ घाली मांय
वाड्कुळे तिचे खाड्केचेर

म्हाका नाका मांय, म्हाका नाका मांय
आम्च्या घराक जाय्त सोभाय
मेजा वय्ल्या वाजांत भर

काल सांजोच्या वादळार मांय
काल सांजेच्या वादळार
आय्लेली नाका व्हड भुल मांय
लुसिफेर तिच्या मस्तकार
केस मुदियाळे दोळे काळे मांय
बुराक काड्डितत पोट्टकोळेर
नाड्गी पोलेगे, हरदें येदें मांय
लाळ देंवत म्हजे जिबेचेर

म्हाका नाका मांय म्हाका नाका मांय
लोव देंवय घरांत व्हर
तिका तुगेली सुन कर



58. सोमारि पापारि लाचारि

सोमारि पापारि लाचारि
शेंभोरानी नांवां तुका बेकारी
मरियेबरीं, सोऱ्याबरीं, देवाबरीं
रस्ते भोंव्तात काम नात्ले आचारी

कॉलेजीनी राशी घाल्यो डिग्र्यांच्यो
आफिसानी धाडी घाल्यो घार्ग्यांच्यों
फुडाऱ्यानी विरोध केलो सरकारान निरोध दिलो
तरी वाड्ल्यो हारी आम्च्यो बोक्ऱ्यांच्यों
सोमारि पापारि लाचारि

सुग्गी आसा कोळ्कें आसा एणेल ना
आम्च्या गावांत मेज आसा कदेल ना
भाक्री आसा चाक्री ना, घोडो आसा गाडी ना
वारें आसा उज्वाड आसा जनेल ना
सोमारि, पापारि, लाचारि

हांचेर आनी पातियेव्न राव्ल्यार जाव्वें ना
तोंडातुलें शित पोटाक पांव्वें ना
हाताक हात दीव्न नवो एक्वट बांदुन
चल फुडें बेकारपण उरचें ना
सोमारि, पापारि, लाचारि

59. वेडो

घेतात जाल्यार घेयात फुलां, तांब्डीं आबोलीं
तांब्डे, भुलिन तरनी मना सरगीं उबोलीं
पोक्रिपणा नाकात म्हाका नक्रे करीनाका
घेतात जाल्यार घेयात फुलां हाताक धरीनाका

वेडो मारिनाका, म्हाका साडो न्हेसय्नाका
वोडो फुगय्नाका म्हाका वेडो मारिनाका
गुलाब पळेव्न, हातान एका मोगरे खेळय्ता
दुस्न्या हातान पोल्याक पोशेव्न काळिज जकय्ता

काळ्जांत म्हाज्या जळ्ता उजो जळोव सारिनाका
घेतात जाल्यार घेयात फुलां घात करिनाका
वेडो मारिनाका ....

सग्ळे तुमी हरद्याक म्हज्या देक्चें सोडुंकना
फुलां विकुंक हाड्ल्यांत हांवे दूध हाडुंकना
भुरगीं घरांत राक्तात तांच्या पोटाक मारिनाका
घेतात जाल्यार घेयात फुलां थोटे मारिनाका

60. मांड सोभाण

मांड सोभाण म्हळ्यार कितें
म्हणानाकात आमी नेणा
संतोसाचें झरिक म्हणा
तीं मांड सोभाणा

खिण्कुळ्यांचीं घणा - घणा
पांयजणांचीं झणा झणा
उतरां तांक़ां मेळय तर
तीं मांड सोभाणा

कवितेक न्हव्रो म्हणा
व्हाजप तालाक व्हकल म्हणा
तांचें लगिन घड्ता तेन्ना
तीं मांड सोभाणा

आमी मांडार चार बोडां
मुकार तुमी म्हाजणा
आम्चो मोग घडात तेन्नां
तीं मांड सोभाणा



61. आबोल्याचो रंग

आबोल्या तुजो रंग उजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?

माण्कुल्या मुकार पाक्ळी पिटाची
साण्शिल्या सांदिंत दुब्ळ्या देंटाची
मोवाळायेंत कसो उजो रुजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?
आबोल्या ....

एक्सुरपणारी आल्बो श्रृंगार
आंक्वारपणाची साय आंगार
राशिच्या उज्यांत देव पुजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?
आबोल्या .... शिजोगो ?

म्हज्याय भितर जळ्ता सोरमुणा
भाय्ल्यान कुल्कुलो कसो कांय नेणा
आंग पांग मात, घामान भिजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?
आबोल्या ....

भितरलो उजो वोंकुंक नरगतां
नक्ली हाशानी लिपंव्क करगतां
म्हज्याच मोड्यार म्हजोच भोजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?
आबोल्या ....

म्हज्याय मुकार उजो पिकय
भितरलें सोरमुण भाय्ल्यान फांकय
माग घडों असो तुजो म्हजोगो
रांद्णिर तुज्या कितें शिजोगो ?
आबोल्या ....

62. उजो

राত वोलिंत कड्‌कड्‌टाना
चंद्राचें लेगुन दांत झड्‌टाना
काळ्जांत कसो पेट्टा उजो
तुज्या मोगाचो, तुज्या मोगाचो

पाव्सांत गुलाब शिरशिरताना
कांटो फुलाक वेंग मारताना
काळ्जांत कसो पेट्टा उजो
तुज्या मोगाचो, तुज्या मोगाचो

पाल्वुंक नजो सोसुंक नजो
धगाभगा करुन पेट्टा उजो
तुज्या मोगाचो, तुज्या मोगाचो

दोवाच्या येण्या फुल्लें साळक
फुगासांवान शिंवर सुज्लो
तुज्या मोगाचो, तुज्या मोगाचो

पाक्ळी मस्तिली तरन्या फुलाची
तांब्साण वाड्‌ली गोऱ्या गालाची
त्ये तांब्साणिंत्ल्यान उट्‌लो उजो

तुज्या मोगाचो, तुज्या मोगाचो
सिल्काची, साडी म्हेसुन घेताली

तल्कापरि तुं चलुन वेताली
सांगात जालो तुज्या पाल्वाचो
म्हज्या गालाचो, म्हज्या गालाचो
आदीं कळ्ळेंना, कळाना आतां
गालार घास्ताना सिल्काचीं सुतां
काळ्जांत कसो उट्टा उजो
तुज्या मोगाचो तुज्या मोगाचो

63. रात रात रड्‌लां

रात रात रड्‌लां आकांतांत पड्‌लां
मळ्बावेलें नकेत्र म्हजें, खंय्सर तरी झड्‌लां

आगो आगो चलिये उशा गोडा बेलिये
सांग म्हज्या फुडाराचें पोव्ळें तुवें काड्‌लां ?

काळिज नितळ आस्लें, पाप पातक नास्लें
सांग तुज्या तोंडार तुवें, वोरल कित्याक वोड्‌लां ?

अशें कशें जालें, चोरलें म्हजें फालें
सांग म्हज्या नशिबाचें, मोड्कें तुवें फोड्‌लां ?

चुकोन म्हाका कळ्ळां, खरेंच तुका मेळ्ळां
सांग म्हज्या दोळ्यांक लिपंव्क गुक्क गिळुन सोड्‌लां ?

सांग नात्ल्यार चलिये, दुलब आंक्वार कळिये
सांग सांग आप्शें तुजें पोट कशें वाड्‌लां ?



64. आजच अशें

आवय्स माव्शे आजच आय्ली
तुजे खातीर तोव्शिण लाय्ली
हरशें जाल्यार उटा उटीं
बोव्ळीं दुधियां दाटीं मोटीं
वांय्गीं तेंड्लीं भाजिये सोपां
कासुळेचीं पिट्शीं कापां
माव्शे, तुका रांदुन दितों
तुजे खोशियेंत दाधोस जातों
पुणगे सांगोंक लज्शी दिस्ता
हरशें हित्लांत जाय्ते आस्ता
पाटिक म्हज्या सय्तान लाग्ला
आजच हित्लांत कोलो रिग्ला !

आवय्स मित्रा, हुंव्रार उबो
खंती म्हज्यो जाल्यो गाबो
हरशें जाल्यार कोंबी मारतों
काज्चो सोरो ताळ्यांत भरतों
बाय्लेक सताव्न सन्ना करतों
तुजे सेवेंत अर्दे झरतों
कापी, दुधां बियर फेन्नी
कितें म्हण्चें म्हजी सनी
तोंड साडुंक लज्शी दिस्ता

हरशें दुडु खूबसो आस्ता
कोणगी म्हज्या मात्यार रड्ला

आजच बोल्साक बुराक पड्ला
आवय्स, म्हज्या काळ्जा गोंड्या
आजच आय्लेंय मोगा उंड्या
हरशें जाल्यार वेंगेंतं वोड्तों
तोंडार तुज्या चित्रां काड्तों
उबाळ उमे पोल्यार जोड्तों
गालावय्लीं बिंरडां फोड्तों
आजगो बाये लज्शी दिस्ता
हरशें खाड्की साफसूफ आस्ता
तोंडार म्हज्या सोन्वो वाड्ला
आजच म्हजो वाकोर मोड्ला

65. रांदलें रांदप

रादलें रांदप चिंतल्यापरी पानार पावना
नांगा ना ना नांगा ना ना

रात म्हणा मेणालागीं वात जळ्टाना
रातय आसा वातय आसा तुंच मुंगोना

लेंव्ट्र्या नाकाक आदींच कशी गजाल कळ्ळीना
झाय लेगुन बाव्ली जाल्यार परमळ दिंव्चीना

उमळ्यांचे काट जिरून दूक गळ्टाना
गळ्य्लेलें दूक दोळो परत घेंव्चोना

तानेक म्हणुन निर्वोग नास्तां दऱ्याक उड्टाना
दऱ्यो ताची तान भागोव्न, तुजी भाग्चिना

साव्बिणिच्या मोगान वाट्लेक पाव्ली घाल्ताना
मोगय गेलो, पाव्लीय गेली परत येंव्चीना

66. आगा कोंक्णी गांवागा

सगळें गुमट व्हजून
बाय तुका काड्‌लेंगो विंचून
आतां गुमट फोड्‌शी जाल्यार
कशें व्हरूंगो सोसून ?

तशी तुजी म्हजी भास
आम्च्या अंतरमळाचो लास
तिका नाच केली जाल्यार
आमी सगळींच जालीं नास

आगा कोंक्णी गांवागा
कोंक्णी भाषेक पावागा
गाळी कोणाक सोंव्च्यो जाल्यार
आम्चे भाषेन सोंवागा

आम्च्या आंगार खोमिस ना
टाय कॉलर शर्ट अँड बनियाना
आनी अशेच दीस गेल्यार
चोव्का कुड्‌कोय उरचोना

67. शेवियो रोस

दांबगे येज्मानी
शेवियो घोस घोस
कुमाद्रीन धाड्‌तां म्हळां
नारला वोळ्या रोस

किरा साळेरांची जोडी
घडिये दोंगरार रम्लीना
रोस आनी शेवियां सांगडी
जोडी केदीं जम्लीना
कुमाद्रीच्या मोगामायेक
करीनाकाय मोस

दांबगे येज्मानी ....

आव्लीनांगो पाव्लीना
आम्गेर कशें राव्लेंना
शेवियो रोस खायलें तरी
ताळ्या सक्ला देंव्लेना
हांवगो शेवी धवी धवी
तूं आपोसाचो रोस
दांबगे येज्मानी ....

68. मागिरचें मागिर

पोटाक कोको
उष्टों सुको
भेष्टो पोको
        अतम्याचो तो रोगगा
        लांब जियों मोगगा

मात्यार पाकें
मोनें मुखें
चिंतप सुकें
        मतिचो तो सोंगगा
        लांब जियों मोगगा

पाटिर पापो
तोंडार कोपो
झेता थापो
        दस्तुरेचो डोंगगा
        लांब जियों मोगगा



69. शिरिगुंडि शिमांव

बोल्सांत आसोन कास
जरी सुट्लो तुजो काच
भोंकाक तुजा येतलोगा
सुगंधेचो वास

रे शिमांव रे शिमांव
शिरिगुंडि शिमांवगा
रे शिमांव रे शिमांव
संसार तुजो दास

बोल्सांत नात्ल्यार कास
चोंय वाटेन त्रास
कोरगाराचो कुत्रो लेगुन
कुल्यांक मारी घास

रे शिमांव, रे शिमांव
शिरिगुंडि शिमांवगा
रे शिमांव रे शिमांव
संसाराक ना भास

बोल्सांत नात्ल्यार कास
मेजार नात्ल्यार मास
तिरसुल्यांच्यो शिंपियो तरी
बोल्सांत हालय रास

रे शिमांव, रे शिमांव
शिरीगुंडी शिमांवगा
रे शिमांव, रे शिमांव
संसाराक ना भास

70. पुन्वेचा चंद्रा



लेस उसाले केस भिसाळ्ळे
वेंगुन धररे मित्रा
वोंट हुळ्वुळे उम्यांक आशेले
गोपांत घेंरे मित्रा
पुन्वेचा पुन्वेचा चंद्रा
पुन्वेचा चंद्रा

काळिज भियेता तोंड मुयेता
सांगोंक गागेता
कुडी अतम्यार तर्नाट्पणाची आंक्री जागेता
पय्शिल्यान देक्लेंना, देक्ल्यारय लाग्शिल्यान लेक्लेंना,
जीव भिजोता, लज दिसोता
आय्क म्हज्या उत्रा तुं पुन्वेचा चंद्रा
पुन्वेचा पुन्वेचा चंद्रा
पुन्वेचा चंद्रा

रातीचीं सप्णा, सप्णांत भोग्णा
नव्या झोडिंचीं
वादळाविणे उब्तात न्हेस्णा तरन्या कुडिंचीं
धर्लीं तर मेळनांत, मेळ्ळ्यारय मुटितं रावनांत
मतिचा रोगा, धांव्डाय मोगा
उज्वाडाचा उतरा तूं पुन्वेचा चंद्रा
पुन्वेचा पुन्वेचा चंद्रा
पुन्वेचा चंद्रा

71. मोग म्हळ्यार कितें ?

मोग म्हळ्यार कितें ? मोग म्हळ्यार कितेंरे नरा ?
केव्लो काळ्जांत रिगल्लयाफरा
तक्ली पंदा पाय वाऱ्यार
शिंतिद केन्ना नास्तां थाऱ्यार
काकिये मुळां जिबे पंदा हरद्यागुडा संदाक संदा

धस धस धस धस जाता
धस धस धस धस जाता

मागिर नाच नाच नाच्याशें जाता
वेड्कोळ गालुन दोळे मारून
पोटलुन धरून शिंतिद फारून .... हा
नाच्याशें जाता
मोग म्हळ्यार कितें ? मोग म्हळ्यार कितेंगो नारी ?
यम्कोंडाची उज्यासारी
हुलोप ताचो जब्बोर तरी
जाय्ना केदीं गोबोर करी
नाका मुळां काळ्जां पंदा शिरान शिश सदानं सदां

ल्हास ल्हास ल्हास ल्हास येता
तरी नाच नाच .... नाच्याशें जाता

मोग म्हळ्यार कितें ? मोग म्हळ्यार सांग्चें कितें
मेण मेण जाता मातें
आत्म्यांतुले कुडिंतुलें
मतिंतुलें चेतन सग्ळें
उज्यावय्ल्या दुधाबरी खत्खत्यान उबार सरी

घास घास घास घास जाता
रांद्दिण मुळांत वोतुन वेता।

72. पार्टी पळेनाका

काळिज म्हजें भोळें, उतर म्हजें मेळें
मिलन जातच तंचे, धवेंय जालें काळें
आतां उम्कोळ घेतां, गिदान वोड्लीं मासां
सुणीं लेंव्तात हाडां, चिंत्नेन जिवोच आसां
सुणी लेंव्तात हाडां, चिंत्नेन जिवोच आसां

तुं जिणी झळय्नाका, दोळे वोळय्नाका
हांव तुज्याच पाट्ल्यान आसां - पुण पार्टीं पळेनाका

काळ्जांत रुप्णे तुजें मोगान वाडोन आय्लें
चोरुन रुप्णे तुवें, पर्कयाचा चेप्याक लाय्लें
आतां भिरांत धरताय, पातक म्हणोन रड्ताय
हावंगो उम्कोळांत्ल्यान तुका भुझय्त आसां
तुका धस्तिनाका, पातक उस्तिनाका

हांव तुजाच्य पाट्ल्यान आसां - पुण पार्टीं पळेनाका
आजून पासांत आसां कुसोन यतात मासां
शिरांची जाल्यांत भेसां, जिवांत उन्ल्यांत कुसां
जरी उम्कोळ घेतां, तांतुंच जिवो जातां
तुज्या काज्रा दिसा सांगोंक उभो जातां
बाये कऱ्हानाका जियेंव्क, नऱ्हानाका
हांव तुज्याच पाट्ल्यान आसां पुण पार्टीं पळेनाका



73. खंय वेताय सांग चाफ्रा

चाफ्राबाबाचा मरणा दखयांत तोवल्ल्या हजारों अभिमानी पय्किंत्लों एक्लो बाब डेनिस मोंतेर चाफ्राबाबाचा आत्मीय मन्शां पय्किंत्लोय एक्लो. 'मांड सोभाण' चो कार्यकारी समिती सांदोय तो जाव्नासा. चाफ्राबाबाचा वेग्ळाचाराचा सिंतिमेंताचे उमाळे हया कवितेद्वारीं ताणे उचारल्यात. हो आदेव्स हजारों कोंकणीलोकां तर्फेन चाफ्राबाबाच्या पांयाथळा अर्पित करतांव

खंय वेताय सांडुन आतां ?
तोडुन काडुन पर्नीं घडपां
जोडुंव्क शिकव्न नवीं बादपां
नव्या दिश्टिन पळेंव्क फालें कोण आसा ? सांग चाफ्रा

कीर कोगुळ काव्ळ्या कोंब्ल्या
आशा खुश्यो आसा तश्यो
वाचुन सांग्पी कोण आसा ? सांग चाफ्रा

गोरुं बेंरुं मेरुं मांकडा
कुस्त्यो मस्त्यो उग्त्यान उस्तुन
शिस्तेन गुंतुकं कोण आसा ? सांग चाफ्रा

गांड्या बोंड्या शेंड्या साड्या
सांभाय सुंन्गार पुराय रंगार
सुरायेन रंग्पी कोण आसा ? सांग चाफ्रा

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

मालकांच्यो घडामोडी, कामेल्यांच्यो ताडवोडी
धार्मिकांच्यो फडाफडी, भिंयाविण खडाखडी
किडव्कं आनी कोण आसा ? सांग चाफ्रा

जिवितांत्ली सतां कवितेंत्ल्या उत्रानी
नवीं तंत्रा नवीं सूत्रां
नाटकानी पत्रानी उत्रांव्चो मांत्रिक - कोण आसा ? सांग चाफ्रा

तुज्या मेटानी बाक्कार पिदुंकं
तुज्या सण्णानी अक्कल शिदुंकं
त्राण आम्का खंय आसा ? सांग चाफ्रा
खंय वेताय ? सांडुन आतां सांग .... सांग .... सांग चाफ्रा

ಜಿವಿತಾಂತ್ಲಿಂ ಸತಾಂ ಕವಿತೆಂತ್ಲ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ
ನವಿಂ ತಂತ್ರಾಂ ನವಿಂ ಸೂತ್ರಾಂ
ನಾಟಕಾನಿ ಪತ್ರಾಂನಿ ಉತ್ರಾಂವ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂತ್ರಿಕ್ ಕೋಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ್ರಾ

ತುಜಾ ಮೆಟಾನಿ ಬಾರ್ಕ್ಯಾರ್ ಪಿಂದುಂಕ್
ತುಜಾ ಸಪ್ಣಾನಿ ಅಕ್ಕಲ್ ಶಿಂದುಂಕ್
ತ್ರಾಣ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಖಿಂಯ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ್ರಾ

ಖಿಂಯ್ ವೆತಾಯ್? ಸಾಂಡುನ್ ಆತಾಂ ಸಾಂಗ್....ಸಾಂಗ್...ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ್ರಾ.

COVER: DESIGN & PRINT
[illegible]

ಮೊತಿಯಾಂ

ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಚಿಂ ಪದಾಂ

Fr. ... Shenoy
GOWRI-MADHAV, BASTI GARDENS
THUMBAY - 574 170
BANTWAL

ಸಂಪಾದಕ್

ಶ್ರೀ ಫ್ರೆಡ್‌ಕುಮಾರ್ ಕುಪ್ಪೆಕಾಡ್ [illegible]

ಪ್ರಕಾಶಕ್

ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್ ಪ್ರಕಾಶನ್

CENTRE LIBRARY
9725
1532
P-Kon
Fred

ಪಾಂತ್ಲಿಂ [illegible] ಸಗ್ಳ್ಯಾಂ ಪದಾಂಕ್ ಶ್ರೀ ಎರಿಕ್ ಒಝೇರಿಯೊ [illegible] ತಾಳೊ ಆನಿ ಸಂಗೀತ್ ಬಸಯ್ಲ್ಯಾಂ.

"MOTIYAN"

A Collection of songs of Late Chafra Decosta.

Year 1993

© MANDD SOBHANN PRAKASAN
'AASRO', Seminary View,
III Cross, Mangalore -575002 D.K.

Edited by : Sri Fred Kumar, Kuchikadu

975
1532
P->KON
FRE

Publisher : MANDD SOBHANN PRAKASAN,
KONKANI CULTURAL CENTRE
'AASRO', Seminary View,
III Cross, Mangalore -575002 D.K.

Printed at : Digantha Mudrana Ltd.
Yeyyadi, Mangalore -8. Ph: 412551.

Illustrations & Art Work :
JAGATH ARTS,
BENDOORWELL, MANGALORE-2

Price Rs. 20.00

With Best Compliments from
Basti Vaman Shenoy
Basti Prakashana
Basti Gardens
Thumbay, Buntwal

ಮರ್ಣಾಚೆರ್ ಜಯ್ತ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂ

ಪರ್ಯ್ಕಾನ್ ತಿಂಬ್ ಉತ್ರಾಂ ಉಚಾರಿಜೆ ಪಡ್ಯಾತ್: ತೊ ಜಬರ್‌ದಸ್ತ್ ಉಜ್ವಾಡಾಚ್ಯಾ ಕಿರ್ಣಾಳ್ ಸುರ್ಯಾಬರಿ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಮಂದ್ ಪ್ರಕಾಸಾಚ್ಯಾ ಮೆಣಾಳ್ ವಾತಿಬರಿ; ತಾಚೆ ವಿಶಿಂ ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಬರಂವ್? ತೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಶಾಣ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್‌ಬರಿ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ತಾಚ್ಯಾ ನೆಣ್ತ್ಯಾ ಪುತಾಬರಿ; ತಾಚೆವಿಶಿಂ ಹಾಂವ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗೊಂ? ತರ್‌ಯ್ ಥೊಡೆಪಾವ್ಟಿಂ ಪೊಸೊಭರ್ ಮಿಟಾನ್ ದರ್ಯಾವಿಶಿಂ ಚಿಂತಿಜೆ ಪಡ್ತಾ ಆನಿ ಥೆಂಬೆ ಥೆಂಬೆ ಪಿಟಾನ್ ರುಚಿಚ್ಯಾ ಪಾನ್ಪೊಳ್ಯಾಂವಿಶಿಂ ತರ್ಕ್ಲ ಖಿರಯ್ಜೆ ಪಡ್ತಾ, ಕಿರ್ಣಾಂ ಕಾತಿಂತ್ ರೊಂಬ್ಲ್ಯಾಶಿವಾಯ್ ಸುರ್ಯಾಚಿ ಥಾವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಕಳನಾ ಆನಿ ಮೀಟ್ ಪೆಜೆಂತ್ ಚಾರ್ಲ್ಯಾಶಿವಾಯ್ ದರ್ಯಾಚೆಂ ಮೊಲ್ ಮೆಜುಂಕ್ ಮೆಳನಾ. ದೆಕುನ್ ದಿ. ಚಾಫ್ರಾಚ್ಯಾ ' ಮೊತಿಯಾಂ' ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಹಿಂ ಪ್ರಸ್ತಾವನಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಬರಯ್ತಾಂ :

ಮಂಗ್ಳುರಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾಶೆತಾಂತ್ ಹ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಚ್ಯೆ ಸುರ್ವೆರ್ ಬೋವ್ ಥೊಡೆ ಅನಾಮಿಕ್ ಕವಿ ಕಾಜ್ವೊನ್ ಮಾಜ್ವಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಥಿರಾಸಾಣೆಚೊ ಕವಿ ಉಬ್ಜಾಲ್ಲೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಲುವೀಸ್ ಮಸ್ಕರೇಞ್ಞ. ಮಸ್ಕರೇಞ್ಞಾ ಸಾಂಗಾತಾ ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಪನ್ನಾಸಾವ್ಯೆ ಇಸ್ವೆ ಪರ್ಯ್ಕಾಂತ್ ಮಿಣ್ಕಾಲ್ಲೆ ಕವಿ ಮಸ್ಕರೇಞ್ಞಾಚ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಥಳಾಯ್ ಪಾವ್ಲೆನಾಂತ್. ಕೊಂಕ್ಣಿಲೊಕಾಕ್ ಕವಿತೆಚೆಂ ಗಂಧ್‌ವಾರೆಂ ಜಾಯ್ನಾತ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ಟಾನಾ ಕೊಣೇಂಯ್ ಕಿತ್ಯಾಪಾಸೂನ್ ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಗುಂದ್ಯಾಚೆರ್ ಕವಿತಾ ರಚ್ಚಿ ? ಹ್ಯಾ ಕಿತ್ಯಾಚಿಚ್ ಪರ್ವಾ ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ ಚಾ.ಫ್ರಾ. ದೆಕೊಸ್ತಾನ್ ಮಸ್ಕರೇಞ್ಞಾನ್ ನಾಂಗ್ರಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶೆತಾಂತ್ ಬೆಳೆಂ ರಾಡುಂಕ್ ಸುರು ಕೆಲೆಂ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಕ್ ಮರ್ಯಾದ್ ಹಾಡ್ಚೆಖಾತೀರ್ ಸಪ್ನಾಂಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಸಪ್ನಾಂನಿ 'ಸಪ್ನಾಂತುಲೆಂ ರಾಜ್' ಬಾಂದುನ್ ತೊ ಪೆಚಾಡ್ಲೊ. ತಾಚಿಚ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ವೆಗ್ಳಿ ವಾಟ್ ಧರ್‍ಲಿ. ಕೊಣೇಂಯ್ ತಾಚೊ ಪಾಟ್ಲಾವ್ ಕರುಂಕ್‌ನಾ ತರ್‌ಯ್, ಪಾಟಿಂ ತಾಣೆ ಪಳೆಲೆಂ ನಾ ಪಾಟಿಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್‌ನಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಕಾ ಆಪುಣ್ ಎಕ್ಸುರೊ ಮ್ಹಣ್ ಕಳ್ಳೆಂಚ್‌ನಾ. ಕೆದೊಳ್ ಪರ್ಯ್ಕಾಂತ್? ಚಾಳ್ಸಾಂವಯ್ರ್ ವರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಹ್ಯೆ ಕವಿತಾಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಆಕ್ರೇಚ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾರ್ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ' ಪರಡೆಲಾ' 'ರಂಗ್-ತರಂಗ್' ಪಂಗ್ಡಾಂನಿ ಪದಾಂಖಾತೀರ್ ಆಪ್ಣಾಯ್ತಾಚ್ 'ಮಾಂಡ್‌ಸೊಭಾಣ್' ಪಂಗ್ಡಾನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕವಿತಾಂಕ್

ನವಿಚ್ ಘೆಂವ್ನಿ ದಿಲಿ. ಪದಾಂಚ್ಯಾ ಕೊವ್ಳ್ಯಾಂನಿ, ದೂರ್‌ದರ್ಶನಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್‍ಯಾಂನಿ ಚಾ.ಫ್ರಾ., ಲೊಕಾಕ್ ಲಾಗಿಂ ಜಾಲೊ. ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾವರ್ವಿಂ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂನಿ ಘೊಳುಂಕ್ ಸಾಧ್ಯ್ ಜಾಲ್ಯೊ. ಮಾಂಡ್‌ಸೊಭಾಣಾನ್ ಕಿತೆಂ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಕ್ ದಿಲೆಂ ಆನಿ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ನ್ ಕಿತೆಂ ಮಾಂಡ್‌ಸೊಭಾಣಾಕ್ ದಿಲೆಂ-ತೆಂ ಹಾಂಗಾ ಬರವ್ನ್ ಪುರೊ ಪಡ್ಚೆಂಯ್ ನಾ. ಗೊಂಯ್ಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ ತಾಕಾ ಶಾಳೆಂತ್ ಶಿಕ್ತಾಲಿಂ ತರ್‌ಯ್, ಜಾಗ್ ಪ್ರಕಾಶನಾನ್ ತಾಚೆಂ 'ಸೊಂಶ್ಯಾಚೆ ಕಾನ್' ಪುಸ್ತಕ್ ಪರ್ಗಟ್ತಾಚ್ ಘರಾಂನೀಯ್ ತಾಕಾ ವಾಚ್ಯೊ ಆವ್ಕಾಸ್ ಲಾಬ್ಲೊ. ತ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಕೇಂದ್ರ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾಡೆಮಿಚಿ ಊಂಚ್ ಪ್ರಶಸ್ತಿ ಆಪ್ಣಾಯ್ತಾಚ್, ತಾಚೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ಪ್ರಗತಿ ಪ್ರಕಾಶನಾನ್ ಕಾನಡಿ ಲಿಪಿಂತ್‌ಯ್ ಪರ್ಗಟ್ಲೆಂ. ಪಾಟಾಪಾಟ್ ಮಂಗ್ಳುರಿ ಕೊಂಕ್ಣಿಪರ್ಜೆನ್ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಕ್ 'ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಕುಲರತ್ನ' ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬಿರುದ್‌ಯ್ ದಿಲೆಂ.

ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ತಶೆಂಚ್ 'ಜಾಗೆ ಕವಿ' ಪಂಗ್ಡಾದ್ವಾರಿಂ ಮಂಗ್ಳುರಿ ಕೊಂಕ್ಣಿಂತ್ಲ್ಯಾ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ಕವಿಂಲಾಗಿಂ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ನ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ ಶೆತಾಂತ್ ಆಯ್ಲೆವಾರ್ ಜಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಘಡ್ಲ್ಯಾ, ತಾಕಾ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಕಾರಣ್ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಕೊಣ್‌ಯ್ ಧಯ್ರ್ ಘೆಂವ್ಚೊನಾ. ತಾಚ್ಯೆ ಸಾವ್ಳೆಂತ್ ಆಮ್ಚೆ ಜಾಯ್ತೆ ತರ್ನಾಟೆ ಕವಿ ವಾಡೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಆನಿ ಆತಾಂ ತಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾಂತ್ ತಾಂಣಿ ತಾಂಚ್ಯೊಚ್ ವೆಗ್ಳ್ಯೊ ತರ್‌ಯ್ ಕೊಂಕ್ಣಿಕ್ ಊಂಚ್ ಉಬಾರ್‍ಚ್ಯೊ ವಾಟೊ ಧರುಂಕ್ ಆಸಾತ್. ತಾಚೆಂ ಮರಣ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕವಿಂಕ್ ಜಿಯೆಂವ್ಚೆಂ ಧಯ್ರ್, ಕವಿ ಜಾವ್ನ್ ಉಂಚಾಯೆಕ್ ಚಡ್ಚೆಂ ಹಟ್ ಫಾವೊ ಕರ್‍ಚ್ಯಾಂತ್ ನವಲ್ ನಾ.

'ಮೆಲ್ಲೆ ಮ್ಹಶೀಕ್ ಬಾರಾ ಶೆರ್ ದೂದ್' ಮ್ಹಣ್ಚೆಬರಿ ಚಾಫ್ರಾ ಮಾತ್ಯೆಕ್ ಸಾರೆಂ ಜಾಲ್ಲೊಚ್- ಕೊಂಕ್ಣಿಚೊ ಭೀಷ್ಮ, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಳ್ಬಾವಯ್ಲೆಂ ಶಿಮ್ಚಿ ನೆಕೆತ್ರ್ - ಜಾಲೊ. ಪುಣ್‌ಮ್ಹಾಕಾ ಆನಿ ಚಡೀತ್ ಕರುನ್ 'ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್' ಪಂಗ್ಡಾಚ್ಯಾ ಎರಿಕ್ ಒಝ್ಯೂರಿಯೊಕ್ ಚಾಫ್ರಾಚೊ ಜಲ್ಮ್, ತಾಚಿ ಜಿಣಿ ಆನಿ ತಾಚೆಂ ಮರಣ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಚೊ ಅರ್ತ್ ಸೊಡುಂಕ್ ಸವಾಲ್ ಉಡವ್ನ್ ಗೆಲಾಂ.

ಬರವ್ಪಿ ಜಾವ್ನ್ ಚಾಫ್ರಾಕ್ ಸಮಾಜೆಚೊ ಹುಸ್ಕೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ತಾಚಿಂ ಪತ್ರಾಂ ಬಾಳ್ಯಾಲಿಂನಾಂತ್. ಬಾಳ್ಯಾಲಿಂನಾಂತ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಕ್‌ಯ್ ಬದ್ಲೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಆಮ್ಚೆ ಸಮಾಜೆನ್ ತಿಂ ಮಾಂದ್ಲಿಂನಾಂತ್. ತಾಚ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂಚಿ ಗತ್‌ಯ್‌ತಶೀಚ್ ಜಾಲಿ. 'ದೊರೊ' 'ತರ್ನೆಂ ತರ್ನೆಂ ಮೊರ್ನೆಂ' ತಸಲಿಂ ನಾಟಕಾಂ ತೀಸ್

ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಲೊಕಾನ್ ಇನ್ಕಾರ್ ಕರುನ್ ಆಯ್ಲೆವಾರ್ ಇನಾಮಾಂಚೊ ಶಿಂವೊರ್ ವೊತುನ್ ಆಪ್ಲಾಯ್ಲಿಂ. ಮ್ಹಣ್ಚಟ್ ಚಾಫ್ರಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂ ಮುಕಾರ್ ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲಿ ಸಮಾಜ್ ಅಸ್‌ಲ್ಲಿ. ತಾಣೆ ಫುಡಾರಾಖಾತೀರ್ ಬರಯ್ಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಆನಿ ಆಮ್ಚೆ ಸಮಾಜೆಚ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯಾ ವೇಗಾಚೊ ಫರಕ್ ಕಿತ್ಲೊ ಜಾಣಾಂತ್? ಏಕ್ ನ್ಹಯ್, ದೋನ್ ನ್ಹಯ್...ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ!

ಚಾಫ್ರಾ ಏಕ್ ಉತ್ತೀಮ್ ಭಾಷಣ್‌ಗಾರ್. ತಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚಿ ಧೊಮೊಸ್ ಆಯ್ಕೊವ್ಪ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ರೊಂಬ್ತಾಲಿ ಆನಿ ಕಾನಾಂಕ್ ನಾಟ್ವತಾಲಿ. ತಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಮನಾಂ ಪಿಸ್ವಂವ್ಪ್ಯೊ, ಕಾಳ್ಜಾಂ ಧಲಂವ್ಪ್ಯೊ ಜಾದೂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಹೊ ಜಾದೂ, ತಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾನ್ ಆಮ್ಚೆಥಾವ್ನ್ ಝೂಂಪಯ್ ಮಾರ್ನ್ ವೆಲಾ ತರ್‌ಯ್ ತಾಚ್ಯಾ ನಾಟಕಾಂ ಆನಿ ಕವಿತೆವರ್ವಿಂ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂಕ್, ಕೊಂಕ್ಣಿಚಿ ಪಿಳ್ಗಿ ಬಾಳ್ವತಾವರೇಗ್ ಶಾಸ್ವಿತ್ ಉರ್ತಲೊ.

ಪತ್ರ್‌ಕಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಚಾಫ್ರಾ ಸಾಂಗಾತಾ ಉಣ್ಯಾರ್‌ಉಣೆ ಸಾತ್ ವರ್ಸಾಂ ತರ್‌ಯ್ ಖಾಂದಾಕ್ ಖಾಂದ್ ಲಾವ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿ ಹಾವೆಂ ತಿಂತೇರ್ ಝುರಯ್ಲ್ಯಾಂ. ಹರ್ಯೆಕಾ ಅಂಕ್ಯಾಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಣೆ ಕರ್ಚಿ ತಿ ತಯಾರಾಯ್ ವಿಷಯ್ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್ಚಿ ರೀತ್, ಲೇಖನ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಕಸಲೆಚ್ ಕಷ್ಟ್ ಲೆಕಿನಾಸ್ತಾಂ ಕರ್ಚೊ ವಾವ್ರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರ್‌ಗಾರಿಕೆಂತ್ ಹಾವೆಂ ಆದಿಂ ಜಾಂವ್, ಆತಾಂ ಜಾಂವ್ ದೆಕೊಂಕ್‌ನಾ. ದುಡ್ವಾಚ್ಯೆ ಅಡ್ಚಣೆಕ್ ಆನಿ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ಹೆರ್ ಕಾರಣಾಂಕ್ ತಾಚಿಂ ಪತ್ರಾಂ ಕುರ್ವಾಲಿಂ ತರಯ್, ಕಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕ್ ಅಂಕೊ ಕೊಂಕ್ಣಿಚೆ ಚರಿತ್ರೆಂತ್ ಶಾಸ್ವಿತ್ ಉರ್ತಲೊ.

ಪುಣ್ ಸಾಹಿತಿ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಕ್ ಹಾವೆಂ ಚಡೀತ್ ಪಸಂದ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕವಿ ಜಾವ್ನ್ ! ಹರ್ಯೆಕ್ ಕವಿತಾ ನವ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯೆ ಬುನ್ಯಾದಿಚೆರ್ ತೊ ರಚ್ತಾಲೊ. ತ್ಯೊ ವಾಚ್ತ್ರಲ್ಯಾರ್ ಏಕೇಕ್ ಪಾಪ್ಟಿಂ ಏಕೇಕ್ ಇಮಾಜಿ ದೊಳ್ಯಾಂಮುಕಾರ್ ಫುಡ್ ಜಾತಾತ್. ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ಸುರ್ಯಾನ್ ಮೊಳ್ಬಾಚ್ಯಾ ಪೊಲ್ಯಾರ್ ಪಸ್ರಾಂವ್ಚ್ಯಾ ರಂಗಾಬರಿ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ರಂಗಾಳ್. ಆಪುಟ್ ದುಧಾಂತ್ ಲೊಣಿ ಉಪ್ಕೆಲ್ಲೆಬರಿ ತಾಚ್ಯೆ ಕವಿತೆಂನಿ ಸಂಗೀತ್ ಉಪ್ಕೆತಾ. ತಾಚ್ಯೆ ಕವಿತೆಂಚೊ ಸ್ವಾಧ್- ವಾಚುನ್ ಜಿರಯ್ತಲ್ಯಾಂಕ್ ಮಾತ್ ಕಳೀತ್. ತಾಚ್ಯೆ ಕವಿತೆಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಹರ್ಯೆಕ್ ಪಾಪ್ಟಿಂ ನವೊಚ್ ಅನ್ಭೋಗ್ ದಿಲಾ ಆನಿ ತ್ಯಾದೆಕುನ್ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಪರಿಕ್ಷೆಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾನ್ ಲಿಸಾಂವ್ ಶಿಕ್‌ಲ್ಲೆಬರಿ ಹಾಂವ್ ಶಿಕ್ಲಾಂ

ಚಾ.ಫ್ರಾ.ನ್ ಪದಾಂ ತೀನ್ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾಂಚೆರ್ ಘುಡ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಪಯ್ಲೆಂ ನಾಟಕಾಂ ಖಾತೀರ್ ತಾಣೆ ಹೊ ವಾವ್ರ್ ಕೆಲೊ ತರ್, ಉಪ್ರಾಂತ್ ಘೊಡ್ಯಾ ಸಂಗೀತ್

ಕಾರ್ಯಾವಳಿಂಖಾತೀರ್ ತಾಣೆ ಪದಾಂ ಘುಡ್ಲಿಂ. ಆಕ್ರೇರ್ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾಚ್ 'ಮಾಂಡ್‍ಸೊಭಾಣ್' ಪಂಗ್ಡಾನ್ ತಾಳೆ ಬಸವ್ನ್ ಗಾಯ್ಲಿಂ. ಪುಣ್ ಬಾಘ್ರಾಬ್ಯಾ ಸಕ್ಕಡ್ ಪದಾಂಕ್ ಕವಿತೆಚೀಚ್ ಮರ್ಯಾದ್ ಆಸಾ. ತಾಳೆ ಲಾವ್ನ್ ತಿಂ ಗಾಯ್ತಾನಾ ತಾಂಕಾಂ ಆಮಿ ಪದಾಂ ಮ್ಹಣ್ಟಾಂವ್ ತರ್‍ಯ್ ತಾಂಚ್ಯೆ ಬಾಂದಾವಳಿಚ್ಯೆ ದಿಶ್ಟಿನ್, ಆಲಂಕಾರಿಕ್ ದಿಶ್ಟಿನ್, ತಾಂತುಂ ಉಬ್ಯೊ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಇಮಾಜಿಂಚ್ಯೆ ದಿಶ್ಟಿನ್, ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯೆ ಗುಂಡಾಯೆ ದಿಶ್ಟಿನ್ ಬಾಘ್ರಾಚಿಂ ಪದಾಂ ಕವಿತಾಚ್! ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಾಂತ್ಲೊ ಲಯ್, ತಾಳ್ ಆನಿ ಉಪ್ಮೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಸಂಗೀತಾವರ್‍ವಿಂ ತಿಂ ಆಪಾಪಿಂಚ್ ಪದಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಬದಲ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಬಾ.ಘ್ರಾ.ಚ್ಯಾ ಚಡುಣೆ ಸರ್ವ್ಯ್ ಕವಿತಾಂಕ್ ಕಾಂತಾರಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಬದ್ಲುಂಚಿ ಸಕತ್ ಆಸಾ ಆನಿ ತಾಚಿಂ ಸರ್ವ್ಯ್ ಕಾಂತಾರಾಂ ಆಪ್ಲೆಸ್ತಕಿಂ ಕವಿತಾ ಜಾವ್ನ್ ಉರ್ತಾತ್.

ಬಾ.ಘ್ರಾ.ಚ್ಯಾ ಪದಾಂನಿ ಮೊಗಾಚೆಂ ಮೇಲ್, ನಿರಾಶೆಚೆಂ ತೇಲ್ ಸರಾಗ್ ಉಪ್ಮೆತಾ. ಹೊ ಮೋಗ್ ಉತಳ್ ನ್ಹಯ್, ಗುಂಡಾಯೆಂತ್ ಪಾಳಾಂ ರೊಂಬಯಿಲ್ಲೊದೆಕುನ್ ಮೆಂದ್ವಾಂತ್ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಚಿಂತ್ನಾಂಚೊ ರೊವೊ ಸದಾಂಯ್ ಕಿರ್ಲತಾ. ಖಂಯ್ ಏಕ್‍ಪಾವ್ಟಿಂ ತೊ ಪೊಲ್ಯಾವೆಲಿಂ ಭಿಂಡ್ಡಾಂ ಫೊಡುಂಕ್ ಉಡ್ಡಾತಾ ಆನಿ ಖಂಯ್ ಏಕ್‍ಪಾವ್ಟಿಂ ಮೋಗ್ ಕರುಂಕ್ ವಚುನ್ ಚೆಡ್ವಾಚ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಚಿ ಬೊಬ್‍ಪಿನ್ ಆನಿ ಬಾಜ್ವೆಚಿ ಆಲ್ಪಿನ್ ಗಾಲಾಂನಿ ರೊಂಬವ್ನ್ ರಗ್ತಾಚಿ ವ್ಹಾಳ್ ವ್ಹಾಳಯ್ತಾ. ಮೋಗ್ ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ನಿವನಾ; ಆಲ್ಪಿನೆಚೊ ಕಾಂಟೊ ಕಾಳೀಜ್ ಘಾಪ್ಸುಂದಿ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ಬೊಬೋ ಘಾಲ್ತಾ.

ಬಾ.ಘ್ರಾ.ಚ್ಯಾ ಕಾಂತಾರಾಂನಿ ಜಾನಪದಾಚೊ ಝುರೊ ತಶೆಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ರುಕಾವೆಲೊ ಘುರೊ ಭರೊನ್ ವೊಮ್ತಾತಾ. 'ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆಚೆಂ ರುದಾನ್,' 'ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್' 'ಕೊಂಕ್ಣಿ ರಾಜಾರ್' - ತಾಚೊ ಕೊಂಕ್ಣಿಚೆರ್ ಆಸ್ಚೊ ಹುಸ್ಕೊ ದಾಕಯ್ತಾನಾ. 'ಅಡ್ಕುಲೊಗೊ ಬುಡ್ಕುಲೊ' 'ಸಾತ್ ಸಾತ್ ಚೊವ್ವಾ ಸನ್ನಾಂ', 'ಘಾರಾರ್ ಘಾರ್', 'ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ವಾಡಾಳಾರ್', ಕಲ್ವಂತಾಚ್ಯಾ ಕಮ್ರ್ಯಾವೆರಿ', 'ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು', ಇತ್ಯಾದಿ ಪದಾಂ ಬಾ.ಘ್ರಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾತ್ಯೆಚ್ಯಾ ಚಮತ್ಕಾರೀಕ್ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಸುತಾರಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಕಳಯ್ತಾತ್.

ತತ್ವ/ಗ್ನ್ಯಾನ್ ಪಾಚಾರ್‍ಬಿಂ ಜಾಯ್ತಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂಯ್ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ಆಸಾತ್. ಏಕೇಕ್ ಪದ್ ಏಕಾಪರಸ್ ಉಂಚ್ಲೆಂ- ಭುಂಯ್ ಮಂಡಳಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಏಕೆಕಾ ಘರಾಂತ್ ವ್ಹರ್‍ನ್ ಪಾವಂವ್ಚೆ ತಸಲೆಂ. ಹೊ ಆನ್ಯೊಗ್ ತುಮಿಂಚ್ 'ಮೊತಿಯಾಂ' ಪುಸ್ತಕ್ ಘೆವ್ನ್,

ಘೆತ್ಲ್ಯಾಉಪ್ರಾಂತ್ ವಾಚುನ್, ವಾಚ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಗಾವ್ನ್, ಗಾಯ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹೆರಾಂಕ್ ಸಾಂಗೊನ್ ಭೊಗುಂಕ್‌ಜಾಯ್.

ಹಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂ-ಚಾ.ಫ್ರಾ. ಮರೊಂಕ್‌ನಾ, ಜಿವಂತ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಪಾಚಾರ್‍ಚಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂ. ಹಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಚ್ಯಾ ಮರ್‍ಣಾಚೆರ್ ಜಯ್ತ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಕಾಂತಾರಾಂ. ತಿಂ ಆತಾಂ ಬುಕಾರುಪಿಂ ಪರ್‍ಗಟ್ಲ್ಯಾ 'ಮಾಂಡ್‌ಸೊಭಾಣಾಕ್' ಶಾಭಾಸ್ಕಿ ದಿತಾನಾ, ತಿಂ ವಾಚುಂಕ್ ಸುರ್ವಾತ್ ಕರ್‍ಚ್ಯಾ ತುಕಾಯ್ ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಚ್ಯಾ ಪದಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಬರೊ ಯೆವ್ಕಾರ್ ಮಾಗ್ತಾಂ.

'ಮೊತಿಯಾಂ' ಪುಸ್ತಕಾದ್ವಾರಿಂ ಚಾ.ಫ್ರಾ. ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಸರ್‍ವಾಂಚ್ಯಾ ಘರಾಂನಿ ಸದಾಂ ರಾವೊಂ.

ಮೆಲ್ವಿನ್ ರೊಡ್ರಿಗಸ್
ರಿಯಾದ್.
14.03.1993

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೇ ಕೇಂದ್ರ್

"ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್" - ಆಮರ್ ಚಾಫ್ರಾಬಾಬಾಚೆಂ ಸಪಣ್, ತೆಂ ಉಟಾಉಟಿಂ ಜಾರ್‍ಯೆರ್ ಹಾಡ್‍ಲ್ಲೆಂ ಸಾಧನ್ ಎರಿಕ್ ಒಜೆರ್ ಬಾಬಾಚೆಂ. "ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್" ಇತ್ಲ್ಯಾ ಉಂಚಾಯೆಕ್ ಪಾವಜೆ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಚಾ ಕಾರ್‍ಯಕಾರಿ ಸಮಿತಿಚಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂಚೊ ಮೊಟೊ ವಾವ್ರ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಅಭಿಮಾನಿಂಚೊ ಸಹಕಾರ್ ಪ್ರಮುಖ್ ಕಾರಣ್.

1986 ವ್ಯಾ ನವೆಂಬ್ರಾಚೆ 30 ತಾರಿಕೆರ್ ಸ್ಥಾಪಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಜ್ 75 ವೆಂ ಯಶಸ್ವೀ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್ ಕಾರ್‍ಯಂ ಪ್ರದರ್‍ಶಿತ್ ಕರ್‍ತಾ. ಹ್ಯಾ ಮಟ್ವ್ಯಾ ಆವ್ದೆಂತ್ ಆಮಿ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸಾಹಸಿಕ್ ಸಾಧನಾದ್ವಾರಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಉಂಚಾಯೆಚೊ ಪಾಟ್ ಲಾಭ್ಲಾ. ತರ್‍ಯ್ ಹ್ಯಾ ಗರ್‍ವಾನ್ ಆಮಿಂ ಫುಮಾರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಂವ್.

ಆಮ್ಚೆ ಉದ್ದೇಶ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಗೀತಾಚಿ ಆಸ್ಮಿತಾಯ್ ಸೊಧ್ನ್ಯೊ, ತಾಕಾ ನವೆಂ ರೂಪ್ ದಿಂವ್ನ್ಚೊ ಮಾತ್‍ನ್ಹಯ್, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್‍ವೇದ್, ದೇಶೀಯ್ ತಶೆಂಚ್ ನವೆಸಾಂವಾಚೆಂ ವಾದಳ್ ಉಟವ್ನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಕ್ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ರಿತಿರ್ ದೇಶೀಯ್ ವಿಶಿಷ್ಟತಾ ಆನಿ ಸ್ವರೂಪ್ ಮಿಸ್ಳಾಂವ್ಚೆಂ, ವಿವಿಧ್ ಪ್ರಾಂತಾಂಚಾ, ಭಾಸ್ಭುಟಾಂಚಾ, ಕುಳಿಯೆಂಚಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಲೆಕ್, ಕಲಾಕಾರಾಂಕ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿಮೊಗಿಂಕ್ ಎಕ್ತಾರಾಚಿ ಗಾಂಟಿನ್ ಗಾಂಟಾಂವ್ಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತ್ಯೆ ದಿಶೆನ್ ಆಮಿಂ ಸಬಾರ್ ಪ್ರಯೋಗ್, ಸಾಧನಾಂ, ಕಾರ್‍ಯವಳಿಂಚಿಂ ಪ್ರದರ್‍ಶನಾ ದೀತ್ತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂವ್, ಸಂಗಿಂ ಜಬರ್‍ದಸ್ತ್ ಯಶ್‍ಯ್ ಜೊಡ್ಲ್ಯಾಂ.

1) ಭಾರತ್‍ಭರ್ ಶಿಂಪಡ್ಲೆಲ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿಂಕ್ ಎಕ್ಟಾವ್ನ್ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾನ್ ತಾಳೊ ಬಸವ್ನ್ ಎದೊಳ್ಚಾ 74 ಪುದರ್‍ಶನಾನಿ ಗಾವ್ನ್ ದಾಕಯ್ಲ್ಯಾಂ.

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಲೆಚ್ಯಾ, ಸಾಹಿತ್ಯಾಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಳ್ಯಾಂತ್ ಆಮಿ ಕೆಲ್ಲೆ ಸಭಾರ್ ನವೆ ಪ್ರಯೋಗ್ ತಶೆಂಚ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆ ಥರಾವಳ್ ಪ್ರಕಾರ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಚೆ -ಪದಾಂ, ನಾಚ್, ಲೋಕ್‍ವೇದ್ (ಜಾನ್ ಪದ್) ಕಲಾ, ರಾಂದಪ್ -ಜೆವಣ್, ರಿತಿ-ರಿವಾಜಿ ಆನಿಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಇತ್ಯಾದಿಂಚೆರ್ ಆಮಿ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಪ್ರದರ್‍ಶನಾಂನಿ ಖಂಡಿತ್ ಭಳಾದೀಕ್ ಪ್ರಭಾವ್ ಪಡ್ಲಾ.

ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್, ಜೆವಣ್ ಸೊಭಾಣ್, ಗುಮಟ್ ಸೊಭಾಣ್, ಮಾಟವ್ ಸೊಭಾಣ್, ನಾಚ್ ಸೊಭಾಣ್, ಸಂಸಾರಾಚೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಬಾಯ್ಲಾ ಪ್ರದರ್‍ಶನ್, ತಶೆಂಚ್

ಸಂಸಾರಾಚೊ ವ್ಹಡ್ ಬಾಯ್ಲಾ ಪ್ರದರ್ಶನ್, ಲಗ್ಬಗ್ 500 ಕಲಾಕಾರಾಂಕ್ ಏಕಾ ಮಾಂಚಿಯೆರ್ ಹಾಡುನ್ ಮಾಂಡೊ-ನಾಚ್ ಆನಿ ಪದಾಂಚೆಂ ವಯ್ಭವೀಕ್ ಪ್ರದರ್ಶನಾಚೆಂ- ಮಾಂಡೊ ಫೆಸ್ತ್.

"ಪರಬ್" ಪಯ್ಲೆಂ ಅಖಿಲ್ ಭಾರತೀಯ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೇ ಫೆಸ್ತ್- ಅಕ್ತೋಬರ್ 17 ಥಾವ್ನ್ 25 -1992. ಅಮ್ಚ್ಯಾ ಘುನೆಸ್ತ್ ಆನಿ ಗಿರೆಸ್ತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಹರ್ ಪ್ರಕಾರಾಂಚ್ಯಾ ಥರಾವಳ್ ಕುಸಾಂವಿಶಿಂ ಜಾಗ್ರುತ್ ಕರುನ್ ಪ್ರದರ್ಶಿತ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಆನಿ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆಚಿ ಗಿರೆಸ್ತ್ ಕಾಯ್ ಆನಿ ಘುನ್ ಊಂಚಾಯೆಕ್ ಪಾವಯ್‌ಲ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಮಹಾಸಾಧನ್.

'ಅಂತರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಬಾಯ್ಲಾ' - ಕೊಂಕ್ಣಿ, ಸಿನ್ಹಾಲಿ, ಕೆನ್ಯಾ ಆನಿ ಇತರ್ ಬಾಯ್ಲಾ ಸಂಗೀತ್-ನಾಚ್ ಹಾಚೆಂ ಪ್ರದರ್ಶನ್ (ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಗುಜ್ರಾಥೀ ದಾಂಡಿಯಾ ಆನಿಪಂಜಾಬೀ ಬಾಂಗ್ರಾ ನಾಚಾಚೆಂ ಮೆಳಫ್)

'ದಬಾಜೊ' ಆರ್ಕೆಸ್ಟ್ರಾ- ಕಾಜರಾಂಕ್ ಏಕ್ ಮಾತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಗೀತ್ ಪಂಗಡ್.

ಮುಕ್ಲೆಂ ಯೆವ್ಜಣಾಂ.

'ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೇ ಕೇಂದ್ರ್' ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಸ್ಥಾಪಿತ್ ಜಾಲಾಂ. ತ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾಚೊ ಗೌರವಾಧ್ಯಕ್ಷ್ ಚಾಫ್ರಾಬಾಬಾನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಚೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಆಕೆರ್ ಕೆಲಾಂ. ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಚಾಫ್ರಾಬಾಬಾನ್ ಹಾತ್ ಭೊಂವ್ಡಾಯ್ನಾಸ್ತಾಂ ಸೊಡ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಿತೆಂಚ್‌ನಾ ಮ್ಹಣ್ಶೆತ್. ತಾಚಿಂ ಸಬಾರ್ ಕೃತ್ಯಾಂ ಎದೊಳ್ ಪರ್ಗಟ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾಂ ಬಾಕಿ ಉರ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೇಂದ್ರಾನ್ ಹೆಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ಕಮರ್ ಬಾಂದ್ಲ್ಯಾಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾದಿಶೆನ್ ಹೆಂ ಪಯ್ಲೆಂ ಹಂತ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಪದಾಂಚೊ ಸಂಗ್ರಹ್ 'ಮೊತಿಯಾಂ' ಆಜ್ ಆಮಿ ಉಜ್ವಾಡಾಯ್ತಾಂವ್. ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಹಂತಾನಿ ತಾಚಿಂ ಕವಿತಾ, ನಾಟಕಾಂ, ಲೇಖನಾ ಇತ್ಯಾದಿ ಪರ್ಗಟ್ ಕರ್ಚ್ಯೊ ವಾವ್ರ್ಯ್ ಆಮಿಂ ಕರುಂಕ್ ಆಸಾ.

ಚಾಫ್ರಾಬಾಬಾಚ್ಯಾ ನಾಂವಾರ್ ನಾಟಕ್ ತರ್ಭೆತಿ ಕೇಂದ್ರ್ ಆಸಾ ಕರುನ್ ಯುವಜಣಾಂಕ್ ನಾಟಕ್‌ರಂಗಾಚ್ಯಾ ಹರ್ ಪ್ರಾಕಾರಾನಿ ಖ್ಯಾತ್ ನಾಟಕಿಸ್ತಾಂ ಥಾವ್ನ್ ತರ್ಭೆತೀ ದಿವವ್ನ್ ಚಾಫ್ರಾಬಾಬಾಚಿ ನಾಟಕ್ ಹವ್ಯಾಸಿ ಥರಾನ್ ಹರ್ ಆಯ್ತಾರಾನಿ ('ಖಾಯಂ ಆಯ್ತಾರಾಚೊ ರಂಗ್ ಮಂಚ್') ಖೆಳಂವ್ಚೆ.

ಪಿತುಳ್ಚೆಂ ಬೇಂಡ್ ಮರೊನ್ ವೆಚಿ ಕಲಾ. ತ್ಯಾ ಕಲೆಕ್ ಆನಿ ತಾಚಾ ಕಲಾಕಾರಾಂಕ್ ಭದ್ರುತಿ ದಿಂವ್ಚೆ ಖಾತಿರ್ ಏಕ್ ನಿಧಿಚೆಂ ಸ್ಥಾಪನ್. ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಲಾ ಆನಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಂತ್ಲೆ ಜೇಯ್ ಪ್ರಕಾರ್ ಆಸಾತ್ ತಾಂಚಿಂ ಸೊದ್ನಾಂ ಕರೂನ್, ಅಧ್ಯಯನ್ ಆನಿ

ಪ್ರಯೋಗ್ ಕರೂನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷೆಚ್ ಸಂಸಾರಾಚಾ ಕೊನ್ಯಾಕೊನ್ಯಾರ್ ಪಾವಂವ್ಚ್ಯಾ ಉದ್ದೇಶಾನ್ ಹೊ ಸಂಸ್ಥೊ ಸ್ಥಾಪಿತ್ ಜಾಲಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಅಭಿಮಾನಿಂಚೊ ನಿರಂತರ್ ಸಹಕಾರ್ ಆಮಿಂ ಆಪೇಕ್ಷಿತಾಂವ್.

'ಕೊಂಕಣ್ ಭಂಡಾರ್'

ಪರ್ಯಂತ್ ಆಮಿಂ ಸರ್ವ್ ಕೊಂಕ್ಣ್ಯಾಂನಿ ಎಕಾ ಮಾಂಚಿಯೆರ್ ಹಾಡೂನ್ ಕೊಂಕ್ಣ್ಯಾಂಚೊ ಎಕ್ವಾರ್ ಘಡ್ಲೊ. ಆನಿ ಹೊ ಎಕ್ವಾರ್ ಥಿರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ದಿಶೆನ ಆಮಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾನ್ ಪಂಗಡ್ ಘೆವ್ನ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಎಕ್ವಟ್ ಕಿತ್ಯಾರ್ ಗರೆಚೊ ಮ್ಹಳ್ಳಿಂ ಸಮ್ಜುಂವ್ಚ್ಯಾರ್ ತಾಂಚೆಲಾಗಿಂ ವೆಚೊ. ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವಾವ್ರಾ, ಪುಸ್ತಕಾಂ [illegible]
[illegible]

ಮಾಂಡ್‌ಸೊಭಾಣಾ ತರ್ಫೇನ್
ಫ್ರೆಡ್ ಕುಮಾರ್ ಕುಚ್ಚಿಕಾಡು
ಉಪಾಧ್ಯಕ್ಷ್.

ಚಾ.ಫ್ರಾ. ದೆಕೊಸ್ತಾ



WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001532

- 10-10-1931 ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಮಾರ್ನೆಮಿಕಾಟ್ಯಾರ್ ಜಲ್ಮ್. ಚಾರ್ಲ್ಸ್ ಫ್ರಾನ್ಸಿಸ್ ಮ್ಹಣ್ ವೊಲಾಯಿಲ್ಲೆಂ.
- 1934 ದೊ|ಕಾಸ್ಮಿರ್ ಮೊತಿಚಿ ಚಿಕಿತ್ಸೆನ್ ಎಕಾ ಘೋರ್ ಅಸ್ವಸ್ಥಾಂತ್ಲೊ ಪಾಶಾರ್. ಉಗ್ಡಾಸ್ ದವರ್ನ್ ಪಯ್ನಾರಿಂತ್ ದೊ | ಮೊತಿಚ್ಯಾ ಮರ್ನಾ ವೆಳಿಂ ತಾಂಚ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಚೆರ್ ಏಕ್ ಲಾಂಬ್ ಲೇಖನ್ ಬರಯ್ಲ್ಲೆಂ.
- 1946 ಪಯ್ಲೊ ನಾಟಕ್, "ನಿಮ್ಣುರ್ ಬೊತ್ಲ್" ಶೆಜಾರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸೊಪ್ಯಾರ್ ಖೆಳಯ್ಲ್ಲೊ. ಪಡ್ದೊ ಜಾವ್ನ್ ಶೆಜಾರ್ನಿಚೆಂ ಕಾಪಾಡ್ ಹಾಡಲ್ಲೆಂ.
- ಪ್ರಾಥಮಿಕ್ ಶಿಕಪ್. ಜೆಪ್ಪು ಸಾಂ ಜುವಾಂವ್ ಹಾಯರ್ ಎಲಿಮೆಂಟರಿ ಇಸ್ಕೊಲಾಂತ್. 1948 ಮಿಲಾರ್ ಹಾಯ್‌ಸ್ಕೂಲಾಂತ್ ಎಸ್.ಎಸ್.ಎಲ್.ಸಿ. ಪಾಸ್.
- 1-5-1948 ಕುಟ್ಮಾಸಂಗಿಂ ಬೊಂಬಂಯ್ತ್ ವಸ್ತಿ. ಭಾರತೀಯ್ ಎಲಿಸಾಂವ್ ಖಾತ್ಯಾಂತ್ ಪಯ್ಲೊ ವಾವ್ರ್. ಆಡೇಜ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಬಿ.ಇ.ಎಸ್.ಟಿ. ತ್ ಕಾಮ್. ಮಾಗಿರ್ ಧಾ ವರ್ಸಾಂನಿ ಸ್ವಂತ್ ಛಾಪ್ಯಾನೊ ಉಘಡ್ಲೊ.
- 1951 'ಪಯ್ನಾರಿ'ಂತ್ ಬರಪ್. ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ತ್ಯಾ ಪತ್ರಾಚೊ ಸಂಪಾದಕ್ ಜಾಲೊ. ತೀನ್ ವರ್ಸಾಂ ಹೆಂ ಸಂಪಾದಕ್‌ಪಣ್ ಚಲಯ್ತಾನಾ 'ವೊಲಾಚಿ ಮರ್ಯಾದ್' ಪಯ್ಲಿ ಕಥಾ ಆನಿ 'ತುಕಾಯ್ ಆಸಾ ವಾಂಟೊ' ಹ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್.

- 1953 ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿಚೆರ್ ಸರಾಗ್ ಕವಿತಾಂಚಿ ವಿತ್ರಾಪ್ಳಿ. ಪಯ್ಲಿ ಕವಿತಾ "ಸಪ್ನಾಂತುಲೆಂ ರಾಜ್" ಮೀರ್ಗ್. ಉದೆಂತಿಚೆಂ ನೆಕೆತ್ರ್, ಪರ್ವೆಚೊ ಆವಾಜ್ ಆನಿ ಸಾದ್ ಪತ್ರಾಂಚೆರ್ ಉಜ್ವಾಡ್ಲಿ. ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿಚ್ಯಾ ಶ್ರೀ ವಿಷ್ಣು ನಾಯ್ಕಾನ್ ಗೊಂಯ್ಕಾರಾಂಕ್ ತಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ ವಾಚುನ್ ದಾಕಯ್ಲ್ಯೊ. "ಕೊಂಬ್ಯಾ ಬಾಬಾಂನೊ ಸಾದ್‌ರೆ ಘಾಲಾ" ಗೀತ್ ಖೂಬ್ ಗಾಜ್ಲೆಂ.
- 1955"ಅಂಕ್ವಾರ್ ಮೆಸ್ತ್ರಿ" ಬೊಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಇಂಗ್ಲೆಜ್ ಪತ್ರಾನಿಂ ಪಯ್ಲೆಂ ವಿಮರ್ಶ್ಯಾಂತ್ ಆಯ್ಲೊ. ಗಲ್ಫಾಂತ್ ದರ್ಸ್ ತಾಚೆ 18 ಪ್ರಯೊಲ್‌ಎದೊಳ್ ಜಾಲೆ.
- 1956 ಜಾಗ್ ಮಾಗಾಚೊ ಸಂಪಾದಕ್.
- 1960 ಪಯ್ಲಿ ಕಾದಂಬರಿ, "ಸಂಯ್ಸಾಚೆಂ ಪಾತಕ್" ಪಯ್ನಾರಿಚ್ಯಾ ಪಾನಾಂನಿ ಸಾಂಖಿಳ್ ಕಥಾ ಜಾಲಿ. ಪಯ್ನಾರಿಂತ್ ದೋತಿವಿರೋಧ್ ಸಂಸ್ಥೊಸ್ಥಾಪನ್. ದೋತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ 17 ಕಾಜರಾಂನಿ ಸುಧಾರ್ಸುಂಚೊ ಪಂಗಡ್.ದೊತಿ ವಿರೋಧ್ ನಾಟಕ್ "ಸೊಭಿತ್ ಸಂಸಾರ್" ಮರಾಠಿ ದಯ್ನಿರ್ "ಮರಾಠಾಂತ್" ನಾಂವಾಡ್ಡಿರ್ ನಾಟಕಿಸ್ತ್ ಶ್ರೀ ಪಿ.ಕೆ. ಅತ್ರೆ ಥಾವ್ನ್ ವಿಮರ್ಶ್ಯೊ ಜೊಡ್ತಾ.
- 1962 ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ಪಾಠ್‌ಪುಸ್ತಕಾಂನಿ ಕವಿತಾ ಅವರ್ತಾತ್
- 1968 "ಭಾಂಗಾರ್ ಮನಿಸ್" ನಾಟಕಾಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಪ್ರಯೋಗ್ ಪ್ರೇಕ್ಷಕ್ ನಾಸ್ತಾಂ ರದ್ದ್ ಜಾತಾ. ಪುಣ್ ಮಾಗಿರ್ ತಾಚೆ ಲಗ್ಬಗ್ 25 ವಯ್ರ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಜಾತಾತ್. ತಾಚೆ 7 'ನಾಟಕ್ ಕಲಾಸಂಪತ್' ಹಾಚೆಂ ಇನಾಮಾಂ ಜೊಡ್ತಾತ್. ಕ್ರಮೇಣ್ 13 ನಾಟಕ್ 7 ಮಟ್ವೆ ನಾಟ್ಕುಳೆ, ಪಾಂಚ್ ನವಲ್ ಕಥಾ, ತಿನ್ಶ್ಯಾಂ ವಯ್ರ್ ಕವಿತಾ ಆನಿ ಲೇಕ್ ನಾತಲ್ಲಿಂ ಲೇಖನಾಂ, ಪ್ರಬಂಧಾಂ ಬರವ್ನ್ ಕಾಡ್ತಾ.
- 1969 ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ವಸ್ತಿ. "ಜೊರ್ಬಿಬುತೆಲ್" ಆನಿ "ತರ್ಣೆಂ ತರ್ಣೆಂ ಮೊರ್ಣೆಂ" ನಾಟಕ್ ಮಾಂಚಿಯೆರ್ ಯೆತಾತ್.
- 1974 ಕಾಜರ್, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆ ಮಂಡಳಾಚೊ ಸ್ಥಾಪಕ್ ಅಧ್ಯಕ್ಷ್.
- 1975 ಪಾವ್ರುರಾಂತ್ ಕೊರ್ಗ್ಗಾರ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಚೆಂ ಶೋಷಣ್ "ಉದೆವ್" ಪತ್ರಾಂತ್ ಉಗ್ತಡಾಕ್ ಹಾಡ್ತಾ.
- 1976 ಜಿವಿತ್ ಪತ್ರಾಚಿ ಸುರ್ವಾತ್.
- 1986 ಗೊಂಯಾಂ ಸಾಂಖಳೆಂತ್ 'ಅಖಿಲ್ ಭಾರತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೇಖಕ್ ಸಮ್ಮೇಳ್'ಹಾಚೊ ಅಧ್ಯಕ್ಷ್.

- ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ 'ಪರಡೆಲಾ', 'ರಂಗ್‌ತರಂಗ್' ಆನಿ "ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್" - ಸಂಗೀತ್ ಜಮ್ಯಾಂಕ್ 150 ವಯ್ರ್ ಗಿತಾಂ ರಚ್ಯಾತ್.
- 1988 ಗೊಂಯಾಂತ್ ಚಾರ್ ಪುಸ್ತಕಾಂ ನಾಗರೀಂತ್ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್
- 1989 "ಸೊಂಶಾಚೆ ಕಾನ್ " ಕವಿತಾ ಜಮ್ಯಾಕ್ 'ಕೇಂದ್ರೀಯ್ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾದಮಿ' ಪ್ರಶಸ್ತಿ. ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ಇಂಗ್ಲೆಜ್, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಆನಿ ಮರಾಠಿ ಪತ್ರಾಂನಿ ಲಾಂಬ್ ಧೀಗ್ ಉಲ್ಲೇಖ್ ಆನಿ ಲೇಖನಾಂ ಆನಿ ಸಂದರ್ಶನಾ. ಕೇರಳಾಚ್ಯಾ ಮಲೆಯಾಳಿ ಪತ್ರಾಂನಿ ಕಥಾ ಛಾಪುನ್ ಯೆತಾತ್.
- 1990 ಮಂಗ್ಳುರ್ಚಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪರ್ಬಾ "ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಕುಲರತ್ನ್" ಮಾನ್ ದಿವುನ್ ಸನ್ಮಾನ್ ಕರ್ತಾತ್.

'ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್' ಹಾಚೊ ಗೌರವಾಧ್ಯಕ್ಷ್. ಎದೊಳ್ಚ್ಯಾ ಸರ್ವ್ 'ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್' ಸಂಗೀತ್ ಕಾರ್ಯಾವಳಿನಿ 'ಸುತಾರ್' ಜಾವ್ನ್ ಲೊಕಾಮತಿಂಕ್ ದಾಧೊಸ್ ಕೆಲಾಂ.

ಗೊಂಯಾಂಥಾವ್ನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಅಕಾದಮಿ ಪ್ರಶಸ್ತಿ ಘೆವ್ನ್ ಪಾಟಿಂ ಗಾಂವಾಂಕ್ ಪಾವ್ಲ್ಯಾ ಚಾ.ಫ್ರಾ. ಬಾಬಾನ್ ದೋನ್‌ಚ್ ದಿಸಾಂನಿ ಮಣ್ಣೆ 1992 ಇಸ್ವೆಚಾ ದಸೆಂಬ್ರಾಚಾ ತೀನ್ ತಾರ್ಕೆರ್ ಅಪ್ಲೆಂ ಜಿಣ್ಯೆ ಪಯ್ಣ್ ಸಂಪಯ್ಲೆಂ. ಚಾ.ಫ್ರಾ. ಅಮರ್ ಜಾಲೊ.

ಅಮರ್ ಚಾ.ಫ್ರಾ. ಬಾಬಾಚಾ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವಾ ವಿಶಿಂ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ಧರ್ಮ್, ರಾಜಕೀಯ್ ಆನಿ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಗೊಡ್ಡು ಸಂಪ್ರದಾಯ್, ಫಿತಿಸ್ಪಣಾಂ ಆನಿ ಪಾಡಾರಿ ಆತರ್ಪಣಾಂಚೆರ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಲೇಖನಾಂ, ಕವನಾಂ, ಪದಾಂ, ನಾಟಕ್ ಆನಿ ಭಾಷಣಾಂನಿ ದಯಾದಾಕ್ಷಿಣೆವಿಣ್,ಭಿಂಯಾವಿಣ್ ರೊಸಾಳ್‌ಆನಿ ಗಂಭೀರ್ ಉತ್ರಾನಿ ಶೀದಾ ಠಿಕಾ ಪ್ರಹಾರ್ ಕರುನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ವಿಶಿಷ್ಟ್ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವಾಚೊ ಧೀಮಂತ್.

ಎಕ್‌ಚ್ ಸಂಗ್ತಿಚೆರ್ ಪದಾಂ ಆನಿ ಕವಿತೆಕ್ ಸಹಜ್‌ಲ್ಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ರಿತಿರ್ ರಚ್‌ಲ್ಲೊ ಅಪ್ರೂಪ್ ಶಿಲ್ಪಿತೊ.

ವಿಡಂಬನ್ ವಿನೋದ್, ಠಿಕಾ, ಶಿಣ್ ಆನಿ ಮಾಯಾಮೋಗ್ ಉಬಾರ್ನ್ ಸವಾಲಾಂ ಉಡವ್ನ್, ಜಾಪ್ ವಿಚಾರುನ್ ದೆವಾಲಾಗಿಂ ಶೀದಾ ಸಂವಾದ್ ಚಲಯ್‌ಲ್ಲೊ ಮನಿಸ್ ಅಖ್ಯಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಶೆತಾಂತ್ ಚಾ.ಫ್ರಾ. ಬಾಬ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ದುಸ್ರೊ ಝುಳ್ಕನಾ.

1. ಉತ್ರಾಂ

ಉತ್ರಾಂ ಕ್ರೋಧಾನ್ ಜಳಂವ್ಯೆತಾತ್
ಉತ್ರಾಂ ಮಯ್ಯಾಸಾನ್ ಲೊಳಂವ್ಯೆತಾತ್

ಉತ್ರಾಂ ಶಿಣಾನ್ ಕಾಂಪುಯೆತಾತ್
ಉತ್ರಾಂ ಭಿಯಾನ್ ಧಾಂಪುಂಯೆತಾತ್

ಉತ್ರಾಂ ಕೊಡ್ಸಾಣೇನ್ ಚಿರ್ಡುಂಯೆತಾತ್
ಉತ್ರಾಂ ಆಲಕ್ಷೇನ್ ಉಡಂವ್ಯೆತಾತ್

ಉತ್ರಾಂ ರಾಗಾನ್ ಜಡಂವ್ಯೆತಾತ್
ಉತ್ರಾಂ ಮೊಗಾನ್ ಮಾತ್ ಗಾಂವ್ಯುಯೆತಾತ್

2. ಮಾಗ್ಣೆ

ಏ ಕೊಂಕ್ಣಿ ರಂಗಾ, ಏ ನ್ಹವ್ಯಾ ತರಂಗಾ
ಲಗೀನ್ ತುಮ್ಚೆಂ ಜಾಂವ್‌ರೇ
ರಂಗ್ ತರಂಗ್ ನಾಂವ್ ಪಾಂವ್
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಗಾಂವಾನ್ ಗಾಂವ್‌ರೇ
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಗಾಂವಾನ್ ಗಾಂವ್

ಗಾಯನ್ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಗಾಜಂವ್
ಪಾಯಾಂನಿ ನಾಚ್ ವ್ಹಾಜಂವ್
ಉತ್ರಾನ್ ಉತರ್ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಮತಿಂ
ಆಟವ್ನ್ ಆಟವ್ನ್ ಆಟವ್ನ್ ಶಿಜಂವ್‌ರೇ.

3. ಮಾಗ್ಣೆ

ಧನಿಯಾ ದೆವಾ ಪಾವ್
ಬಗ್ಲೆನ್ ತರಿ ರಾವ್
ಸೊಸುಂಕ್ ನ್ಹಜೊ ಸೊಸುಂಕ್ ನ್ಹಜೊ
ಜಿವಿತಾಚಿ ದಾವ್

ಮಾಗೊನ್ ಮಾಗೊನ್ ತೂಂ
ನಾಗೊವ್ಣ್ ಗೆಲಾಯ್ ಮೂ
ಹಾಂವೆಯ್ ಮಾಗ್ಲೆಂ ತರ್
ದಿಶಿ ಕಿತೆಂ ತೂಂ ?

ಪೆಂಕ್ಚಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮೂಂಜ್
ಚಿಂತುಂಕ್ ಯೆನಾ ಊಂಚ್
ಕುಡ್ಕೊ ಏಕ್ ದಿಸಾಂಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ದೊನ್ಯ್ ದವರ್ ತೂಂಚ್

4. ವ್ಹೊರೆಸಾಂವ್



ಆಮ್ಚೆಂ ಮಾಗ್ಣೆಂ ವ್ಹೊರೆಸಾಂವ್
ವ್ಹರ್‍ಗೆ ಘಾಂಟಿ ಗಾಂವಾನ್ ಗಾಂವ್
ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್

ಚಿಕೊಳಿಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ ವ್ಹೊಡುನ್
ಚಂದ್ರೆಮಾಚೊ ಕುಡ್ಕೊ ಕಾಡುನ್
ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ರಗ್ತಾ ಧಾರ್ ಸೊಡುನ್
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ತರಿ ಮಾರುನ್ ಲಾಂವ್
ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್ ಧಾಂವ್

ಚಾರಾಂಯ್ ಕುಶಿಂ ಚುಡಿ ದಿಸೊಂ
ಮಸ್ತಕಾಂತ್ ಮಾಂಕೊಡ್ ನಾಚೊಂ
ದೀಸ್ ತುಜೊ ಕಸೋಯ್ ವಚೊಂ
ರಾತ್ ಆಯ್ಲಿ ಖುಶಾಲ್‌ಭರಿತ್ ಜಾಂವ್
ಧಾಂವ್, ಧಾಂವ್, ಧಾಂವ್, ಧಾಂವ್

5 . ನಮೋ ಸರ್ವೇಶ್ವರಾ

ನಮೋ ನಮೋ ನಮೋ ಸರ್ವೇಶ್ವರಾ
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಚ್ಯಾ ಸಾಲ್ವಾದೊರಾ
ನಮೋ ನಮೋ ನಮೋ..........

ನೇತ್ರಾವತಿ ಜುವಾರಿ ಲಾಗಿಂ ಸರಾ
ಸಪ್ತ ಕೊಂಕಣಾಂತು ಜ಼ೀವಾಳ್ ಭರಾ
ಮೆಲ್ಲಲ್ಯಾ ಪಿತ್ರಾನೊ ದಯಾ ಕರಾ
ಜಿಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಮಿತ್ರಾನೊ ವೆಂಗ಼್ವ್ನ್ ಧರಾ
ನಮೋ ನಮೋ ನಮೋ..........

ಮಾಗ್ತಾಂವ್ ಆಜ್ ಆಮಿ ಅಮ್ಚ್ಯಾ ದಾರಾ
ತೋಮಾ ಬೇತಾಳಾಚಿ ಪಾರಂಪರಾ
ನಮೋ ಬಾಪು ಸ್ವಾಮಿ ಸಾಂಕ್ತುವರಾ
ನಮೋ ನಮೋ ನಮೋ ಸರ್ವೇಶ್ವರಾ
ನಮೋ ನಮೋ ನಮೋ..........

6. ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು

ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು
ಬೊಬಾವ್ ಜಣಾ ಮನಾಂತು
ರಿಗ್ಲೆಕೊಲೆ ರಿಗ್ಲೆಕೊಲೆ
ಕುಂಕ್ವಾಪಿಲಾಂಕ್ ವ್ಹಾವುನ್ ಗೆಲೆ
ಆಕಾಂತಾಚೆ ಉಟ್ಲೆ ಉಲೆ
ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು
ಬೊಬಾವ್ ಜಣಾ ಮನಾಂತು
ನ್ಹಯ್‌ಗಾ ಕೊಲೆ ನ್ಹಯ್‌ಗಾ ಕೊಲೆ
ಅಯ್ಲ್ಯಾಂ ಘೆವುನ್ ಉತರ್ ಉಲೆ
ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ಲೆ ಚಲಿಯೊ ಚಲೆ
ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು
ಪಡ್ಲ್ಯಾಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಮೊಗಾಂತು
ಮೊಗಾನ್ ದೊಳೆ ವೊಲೆವೊಲೆ
ಗೊಪಾಂತ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಮೇಣ್ ಜಾಲೆ
ರುಪ್ಣೆ ತುಮ್ಚೆಂ ದವರ್‍ತಲೆ
ಜಿವಿತ್ ಭರುನ್ ಮನಾಂತು
ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು
ಬಾಣಾವ್ಲೆಚ್ಯಾ ರಾನಾಂತು
ಏಕಾ ಏಕಾ ಖಿಣಾಂತು
ವೊಮ್ತೆ ಆನಿ ಉದಾರೆ
ಪಡ್ಲ್ಯಾಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾಮೊಗಾಂತು



7.ತಾನ್ ಭಾಗ್ಲಿನಾ

ಓ.....ತುಜ್ಯಾ ಗಾಲಾವಯ್ಲಿಂ
ಬಿಂರ್ದ್ಯಾಂ ಫೊಡುಂಕ್ ಉಡ್ಡಾಲೊಂ
ತುಜ್ಯಾ ಗಾಲಾಂಚಿ ತಾಂಬ್ಸಾಣ್ ಕಶಿ
ಹಾತಾಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲಾಗ್ಲಿನಾ?

ಮೋಗ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಆಸಾ
ತೊಂಡಾರ್ ಉದೆನಾ
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮನಾಂತ್ ಆಸಾ
ಉತ್ರಾಂತ್ ಸಾದನಾ.

ಭಿಂರ್ದ್ಯಾಂ ತುಜ್ಯಾ ಫೊಲ್ಯಾಂವೆಲಿಂ
ಫೊಡುಂಕ್ ಮೊಗಾ ಉಡ್ಡಾತಾನಾ
ತಾಂಬ್ಸಾಣ್ ತಾಂಚಿ ಸಾಂಗ್ ಕಶಿ ?
ಹಾತಾಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲಾಗ್ಲಿನಾ

ಸಾಗೊರ್ ಮೊಗಾ ಮಯ್ಯಾಸಾಚೊ
ತುಂ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತುನ್ ಉಪೆತಾನಾ
ಮೆಕ್ಕ್ಯಾ ಮೊಗಾಚಿ ಸಾಯ್ ಶೆಳೇರ್
ಕುಡಿ ಅತ್ಮ್ಯಾನ್ ಭೊಗ್ಲಿನಾ

ದರ್ಯಾ ಫೊಟಾಂತ್ ಜಾಳಾಂ ಗಾಲಿಂ
ತಾರ್ಲ್ಯಾಖೊರೂಯ್ ಪಾಗ್ಲಿನಾ
ತಶೀ ಮ್ಹಜಿ ತಾವ್ ಗಾಗೆಲಿ
ಮೊರಾ ಪರ್ಯಾಂತೀ ಭಾಗ್ಲಿನಾ

8. ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚಿೀಂ ಬಸ್ಸಾಂ

ತರ್ನೆಂ ರಗತ್ ಉಟೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಮೊಣ್ಯೆಂ ತೊಂಡಾಂ ಸುಟೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಬಸ್ಸಾಂಚಿ ತಿ ಲಾಯ್‌ಲೂಟ್ ರಾವೊಂಕ್ ಜಾಯ್

ಕೊಂಪಿಟಿಶನ್ ಕೊಂಪಿಟಿಶನ್
ಮುಸ್‌ಮುಸೊನ್ ತಿ ಯೆತ್ ಗಾಡಿ
ಹಾಂಡಿರ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಘೆವುನ್ ಆವಯ್ ಎಕ್ಲಿ ಮೆಟ್ ಕಾಡಿ
ಹಾಕ್‌ಲೆ ಸಾಯ್ಡ್ ಹಾಕ್‌ಲೆ ಸಾಯ್ಡ್ ರಾಯ್ಟ್ ಮ್ಹಣುನ್ ದರ್‍ವಡ್ಯಾ
ಬಾಳ್ಯೆಂ ತೆಣೆ ಆವಯ್ ಹೆಣೆ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಕೊಣಾಕ್ ಪರ್‍ವಡ್ಯಾ?

ಹಾಂತ್ಲೆಂ ವೆಗಿಂ ಸುಟೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಬಿರ್ಮತ್ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ಉಟೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಬಸ್ಸಾಂಚಿ ತಿ ಲಾಯ್ ಲೂಟ್ ರಾವೊಂಕ್ ಜಾಯ್

ಮ್ಹಾತಾರೊ ಪಳೆ ಹಾತಿಂ ದಾಂಡೊ ಪಿರಾಯೆನ್ ಕಡ್ಕಡ್ಯಾ
ಬರೊಡ್ಚಿಯಾ ಸಾಯ್ತ್ ಪೋಲಾ ಕಂಡಕ್ಟರ್ ದಡ್ಡಡ್ಯಾ
ಪಿರ ಪೋಲೆ ದುಂಬು ಪೋಲೆ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕೆಪ್ಲೊ ದಾರ್‍ಪಿತಾ
ತಿತ್ಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಪೊಕ್ರಿ ಬೊಟಾಂ ಬಾಯ್ಲಾಂ ಕುಲ್ಯಾಂಕ್ ಖೊರ್‍ಪಿತಾ

ಹಾಂತ್ಲೆಂ ವೆಗಿಂ ಸುಟೊಂಕ್‌ಜಾಯ್ ಪೊಕ್ರಿಬೊಟಾಂ ಕಾಪುಂಕ್ ಜಾಯ್
ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಬಸ್ಸಾಂಚಿ ತಿ ಲಾಯ್ ಲೂಟ್ ರಾವೊಂಕ್ ಜಾಯ್

9. ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್

ಪೊಟ್ಯೊಳೆಚಾ ಫುಲಾನಿ, ವೆಡ್ಯೊಳ್ ಮಾರ್ನಿ ಚಂದ್ರಿಮಾ
ಪರ್ನೆ ಕಿತೆಂ, ನ್ಹವೆಂ ಕಿತೆಂ, ಆಮ್ಕಾಂ ಮಾತ್ಯಂ ಸಾಂಗ್ ಮಾಮಾ
ಕೊಣಾಕ್ ಕಾಂಯ್ ಕಳ್ಟೆ ಆದಿಂ, ಝುಡ್ ಪಿಶೆಂ ಲಾಯ್ಲಾಂ
ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ.

ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ
ಪರ್ನ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಕ್ ನ್ಹವಿಂ ಜೊತಿಂ
ನಾಚ್ಲಿಂ ದಾದ್ಲೆ ಬಾಯ್ಲಾಂ
ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ

ಪೊಟ್ಯೊಳೆಚಿ ವೆಡ್ಯೊಳೆಂತ್, ಚಂದ್ರಾಕ್ ಕಾಂಯ್ ಗಮ್ಲೆಂನಾ
ಪರ್ನೆ ಕಿತೆಂ, ನ್ಹವೆಂ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಝುರಿ ಜಮ್ಲೆಂನಾ
ನ್ಹವೆಂ ಕಾಪಡ್ ಹಾಡ್ಟಾ ಆದಿಂ ಪರ್ನೆಂ ಪಿಂಜುನ್ ಘಾಯ್ಲಾಂ
ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ

ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ
ಪರ್ನ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಕ್ ನ್ಹವಿಂ ಜೊತಿಂ
ನಾಚ್ಲಿಂ ದಾದ್ಲೆ ಬಾಯ್ಲಾಂ
ನ್ಹವೆಂ ವರಸ್ ಆಯ್ಲಾಂ



10. ಮಾನ್ ನಾ

ಕಲ್ವಂತಾಚಾ ಕಮ್ರ್ಯಾವೆರಿ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ನೆವಾಳೆಂ
ನಾಕಾ ನೊತಿಂ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಆಸಾತ್ ಸುವರ್ನಾಚೆಂ ಗೊಸಾಳೆಂ
ತರಿ ಬಾಯೆ ತರಿ ಬಾಬಾ
ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ
ಸಂಸ್ರಾರ್ ಹಾಚೆಂ ಭಾನ್ ನಾ
ಚಾರ್ ಚೊವ್ಗಾಂ ಮಾನ್ ನಾ

ಗರೀಬಾಚ್ಯಾ ಗುಮ್ಟ್ಯಾವೆರಿ ಸೊಭಾಗೆಚೆಂ ಗಾಯಾನು
ಬೊಟಾಂ ತಾಳ್ ಪದಾಂವ್ಹಾಳ್ ನಾಚ್ ಆಸ್ಕೆತ್ ಪಾಯಾನು
ತರಿ ಬಾಯೆ ತರಿ ಬಾಬಾ
ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ
ಆಯ್ಯಾತೆಲ್ಯಾ ಕಾನ್ ನಾ
ಚಾರ್ ಚೊವ್ಗಾಂ ಮಾನ್‌ನಾ

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸ್ ಘಾಸ್ತೆಲ್ಯಾಂಚಿಂ ಮಸ್ತ್ ಜಾತಾತ್ ಸೊಭಾಣಾ
ಫುಲಾಂ ಮಾಳೊ ಗಳ್ಯಾಂ ತುರೊ ಮೊಡ್ಯಾಚೆರಿ ರುದಾನಾ
ತರಿ ಬಾಯೆ ತರಿ ಬಾಬಾ
ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಯ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ
ಸಂಸ್ರಾರ್ ಹಾಚೆಂ ಧ್ಯಾನ್ ನಾ
ಚಾರ್ ಚೊವ್ಗಾಂ ಮಾನ್ ನಾ



11. ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್

ರೊಜಿಗೆರ್ ಬೊಬಾಳ್ ಜಾತಾ ರೊಜಿ ಘೊವಾಕ್ ಗಾಳಿ ದಿತಾ
ಕಾನ್ ಮ್ಹಜೊ ತಾಂಗೆರ್ ವೆತಾ ಲಜ್ ನಾಸ್ತಾನಾ
ಆಯ್ಕೊನ್ ತಿಚಿ ದುಖಾಳ್ ಕಥಾ
ಕಾಳಿಜ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಫಾಸ್ಕೊನ್ ಯೆತಾ
ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್ ನ್ಹೆಸೊಂಕ್ ಲಜ್ ಉಗ್ತಿ ಪಡ್ತಾನಾ

ರೊಜಿಬಾಯೆಕ್ ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್ ರೊಜಿಬಾಯೆಕ್ ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್
ಮಿಸಾಕ್ ವೆಚಿಂ ಚಾರ್ ಮಾತ್ ರೊಸಾಕ್ ವೆಚಿಂ ಚಾರ್
ರೊಜಿಬಾಯೆಕ್ ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್ ರೊಜಿಬಾಯೆಕ್ ಕಾಪ್ಡಾಂ ನಾಂತ್
ಕಾಜ್ರಾಕ್ ವೆಚಿಂ ಚಾರ್ ಮಾತ್ ಬಾಜ್ರಾಕ್ ವೆಚಿಂ ಚಾರ್

ಖಂಚೊಯ್ ಘೊವ್ ಬಿರ್ಮತ್ ಪಾವಾತ್ ಕೊಣಾಚೆಂ ತೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ರಾವಾತ್
ನಾತ್ಲ್ಯಾವೆಳಿಂ ನ್ಹೆಸೊಂಕ್ ಲಜ್ ಉಗ್ತಿ ಪಡ್ತಾನಾ
ಘೊವ್ ತಿಚೊ ಬೆಜಾರ್ ಜಾತಾ
ವ್ಹಡ್ಲಿ ಏಕ್ ಥಯ್ಲಿ ಘೆತಾ
ಉಟಾಉಟಿಂ ಬಾಜ್ರಾಕ್ ವೆತಾ ಘೆಳಾಯ್ ನಾಸ್ತಾನಾ.

ಬಿರ್ಮ್ಯಾಲಾಗಿಂ ರೊಜಿ ವೆತಾ ಬಿರ್ಮ್ಯಾ ಭಿತರ್ ದೀಷ್ಟ್ ದಿತಾ
ದೊಳೊ ಮ್ಹಜೊ ತಾಂಗೆರ್ ವೆತಾ ಲಜ್ ನಾಸ್ತಾನಾ
ಕಾಪ್ಡಾಂ ಆಟ್ಪೆ ಲಕೊನ್ ಗೆಲಿ
ಮಾತ್ಯಾರ್ ಪಡೊನ್ ರೊಜಿ ಮೆಲಿ
ಘರ್ಯಾರ್ ತಿಚೊ ಕಾಪ್ಡಾಂ ಘೆವುನ್ ಘರಾಂತ್ ಪಾವ್ತಾನಾ.

12. ಮಾಣ್ಕ್ಯಾಂಚೆಂ ಲಿಸಾಂವ್

ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂ ಕಾಣಿ
ಜಾಂವ್ ಆಯ್ಕ್ಯಾತೆಲಿಂ ಶಾಣಿ
ಆಯ್ಕ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ಧ್ಯಾನಿಮನಿ ದೊನೀ ಕಾನಾನಿ
ತ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂಚಾ ಮೆರಾನಿ
ಬೊಬಾಳ್ ಕೆಲಿ ಮಾಣ್ಕ್ಯಾನಿ
ವಾದಾಳ್ ಉಟೆವ್ನ್ ರಾನಾಂ ವನಿಂ ಚಾರೀ ದಿಶಾನಿ.

ಡರಾಂವ್ ಡರಾಂವ್ ಡರಾಂವ್ ಆಮಿ ಡಿಸ್ಕೊ ನಾಚೊತಾಂವ್
ಜೊಗ್ಗಿಬಾಯೆಕ್ ಕಂತಾರ್ ಕಳ್ನಾ ಆಮಿ ಶಿಕಯ್ತಾಂವ್
ಡರಾಂವ್ ಡರಾಂವ್ ಡರಾಂವ್ ಆಮಿ ಕಂತಾರ್ ಶಿಕಯ್ತಾಂವ್
ಸೊಲ್ಫಾಂ ಉತ್ರಾಂ ಮೊಳ್ಬಿಂ ಕಶಿಂ ಆಮಿ ದಾಕಯ್ತಾಂವ್.

ತ್ಯಾ ಆಂಬ್ಯಾ ರುಕಾ ತೆಣೆ, ಗಾಯನ್ ಗಾಜಯ್ಲಂ ಕೊಣೆ ?
ತಾಳಿಯಾಂ ಮಧೆಂ ವಾಜ್ಲಂ ವಿಣೆ ಗೊಡ್ಯಾ ಗುಣಾಂನಿ
ಕುಹುಕುಹುಕುಹು ಕಾಳಿಜ್ ಕಾಂಪ್ತಾಗೆ ಲೋವ್
ಆಯ್ಕೊನ್ ಘೊಡೆ ಮಾಣ್ಕೆ ಬೋವ್ ರಡ್ತಾತ್ ಶಿಣಾನಿ.

ಕೊಗುಳ್ ಎಕ್ಸುರೆಂ ಬಾವ್ಲಂ ಆಯ್ಕೊನ್. ಲಜೆನ್ ತೊವ್ಲಂ
ಪಾಕ್ಟೆ ಫುಲವ್ನ್ ಆಕಾಸಾಕ್ ಪಾವ್ಲಂ ದೊನ್'ಂಚ್ ಖಿಣಾನಿ
ಹಾಂಗಾ ಸಂಪ್ಲೆಲಿ ಕಾಣಿ ಆಯ್ಕ್ಯಾತಾತ್ ದೊನಿ ಕಾನಾನಿ
ಎಕ್ಸುರ್ಯಾ ಶಾಣ್ಯಾಂಕ್ ಲಾವ್ಯೆತ್ ವಾಟೆಕ್ ಪಾಂಯ್ಯಿಂ ಪಿಶ್ಯಾನಿ.

13. ಡಾಯ್ನಾ ಬಾಯ್

ಓ ಡಾಯ್ನಾಬಾಯ್ ಕುಜ್ನಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾ
ಹಾಂಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಕಿತ್ಯಾರ್‌ಗಾ ಲಾಸ್ತಾ?
ಘಾಗ್ರೊ ತಿಚೊ ಖಾಡ್ಕ ಪರ್‍ಯಾಂತ್ ವಯ್ರ್ ಉಬ್ತಾ
ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಗಾಂವಾರ್ ಖಬರ್ ಗಾಜ್ತಾ.

ಆಮೊರೆಚೆರ್ ಕುಂಪಾರ್ ತಿಚೊ ಆಯ್ಲೊಲೊ ಗುಟಾನ್
ಎಕ್ಲೊ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಚೊವ್ನಾ ವೆಚೊ ರಾವ್ಲೊಲೊ ಹಟಾನ್
ದುಸ್ರೊ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಕುಂಪಾರ್ ಆಂಕ್ವಾರ್ ತಶೀಚ್ ಡಾಯ್ನಾಬಾಯ್
ದೊಗಾಯಿಕ್ಯ ಜರ್ ಬುರ್‍ಗಿಂ ಜಾವ್ನಾಂತ್ ಕುಂಪಾರ್ ಕಸೊಕಾಯ್?

ತಿಸ್ರೊ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಬೆಜ್ಮಂತಾರ್ ಆಜ್ ಪಾದ್ರ್ಯಾಬ್ ಆಯ್ಲೊಲೊ
ಕುಜ್ನಾಂತ್ ತಾಣೆ ಎಕಾಮೆಕಾರ್ ದೊಳೊ ಲಾಯ್ಲೊಲೊ
ಆಂಕ್ವಾರ್ ಹಾತಾನ್ ಆಂಕ್ವಾರ್ ಬಾವ್ಲ್ಯಾ ಬರೊಚ್ ಚಿಡ್ಡಿಲೊ
ಬರೆಂ ಬುರ್‍ಗೆಂ ಜಾಯ್ಜೆ ಮ್ಹಣುನ್ ಫೊಲೊ ಮುಡ್ಡಿಲೊ

ತಿಚ್ಯಾ ಪಾಯಾನ್ ನಾಚ್ತಾ ಬಾವ್ಡೀ ಮ್ಹಾರಾ ವೊಳಾನಾ
ಆಯ್ಲೊ ಗೆಲೊ ಲಾಂಬಯ್ ಗೊಮ್ಟೀ ಕಿತ್ಯಾರ್ ಕಳಾನಾ
ಗಾಂಯ್ಡೊಳಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂತ್ ಕೆದಿಂ ಮೊತಿಂ ಗಳಾನಾ
ನಾಚ್ಗೀ ಬಾಯೀ ನಾಚ್ಗೀ ಬಾಯೀ ಸಂಸಾರ್ ಜಳಾನಾ.

14. ಸಾಳ್ಕ್ಯಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ

ಸಾಳ್ಕ್ಯಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ ಭೆಜ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ
ಹಾಂವ್ ತಳ್ಯಾಂತು ನಾತಾನಾ
ಲಜ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್ಲಿ ತಾಳ್‌ಯಾಂಚ್ಯಾ ಇಡ್ಯಾನ್
ಚಂದ್ರೆಮ್ ತಿಳ್ಕಸ್ತಾನಾ

ಪಯ್ಸಾಪಯ್ಸಿಲ್ಯಾನ್ ಆಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಯಾನ್
ಕೊಗ್ಳಿನ್ ಪಿರ್ಲುರ್ ವಾಜ್ಲಿ
ಪಿರ್ಲುಕೆ ನಾದಾನ್ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಸಾದಾಕ್
ಶಿರ್ಕಿರೊ ಯೆತಾನಾ

ಲಿಪ್ಲೆಲ್ಯಾ ಮೊಗಾ ಸಾಳ್‌ಕಾಚ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್
ತುಂ ಜರ್ ಮ್ಹಜೆಸಂಗಿಂ ಆಸ್ಲೊ
ಸರ್ಗ್ ಆನಿ ಸಂಸಾರ್ ತಳ್ಯಾಚಾ ಉದ್ಕಾರ್
ಏಕ್ ಜಾತೊ ಕೊಣ್ಣಾ



15. ಹಾಂವ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಮೆಲೊಂ

ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗೊ ನಾಕಾ
ಮ್ಹಜೆ ಗುಪಿತ್ ರಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಮೆಲೊಂ
ಕೊಣ್ ತರೀ ದೋನ್ ಥೆಂಬೆ ಒತುನ್ ದಿತಾಲೆ
ತೆನ್ನಾಂ ಜಿವಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆಜಾಪ್ ಜಾತಾಲೆಂ
ಪರ್‍ತ್ಯಾ ಪರ್‍ತುನ್ ಜೀವಂತ್ ಜಾಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಮೆಲೊಂ

ಬೆಬ್ದೊ ಮ್ಹಣ್ ವೊಲಾವ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತುಮಿ ಪುರ್‍ಲ್ಲಾ
ಸೊವ್ಯಾ ಶಿರಾಪಾನಿ ಮಾತ್ಯೆರ್ ಪಾಯ್ಲಾ
ಕೊಣೇ ಹೆಂಡೊ ಮ್ಹಳೊ
ಕೊಣೇ ಬೆಬ್ದೊ ಮ್ಹಳೊ
ಹಾಂವ್ ತಾಲೆಂತಾಂ ಲಿಪಯ್ತ್ ಗೆಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಮೆಲೊಂ

ಸಂಸಾರ್ ಹೊ ಆಜೂನಿ ಪಾತ್ಕಾಂತ್ ಲೊಳ್ಟಾ
ಸಲ್ವಣ್ಕೊ ಲುಕ್ಸಾಣಾ ಮಾತ್ಯಾಕ್ ಮಾಳ್ಟಾ
ಮ್ಹಾಕಾ ಉಟೊಂಕ್ ಲಾಯಾ
ಇಲ್ಲೊ ವೊತುನ್ ದಿಯಾ
ಪಾತ್ಕಾಂ ಲುಕ್ಸಾಣಾಂತ್ಲಿಂ ಸುಟಯ್ತಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಮೆಲೊಂ



16. ಕಾಂಟೊ

ತುಜ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಕ್ ಚೊಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹೊಗಾ
ಮ್ಹಜೆ ದೊಳೆ ಭರುನ್ ಯೆತಾ
ತೊರ್ಣಿಡಾರ್ ಚರ್ಬಿಂ ವಾದಾಳ್ ಫುಸುಂಕ್
ತಕ್ಲೆ ಕೆಸಾಂತ್ ಪುರುನ್ ಯೆತಾ
    ತುಜ್ಯಾ ಕೆಸ್ಾಂತ್ ಪಡ್ಲೊ ಮೊಸಾಂತ್
    ಲೆಕ್ಲೆರ ಮ್ಹಜೊ ಮೊಗಾವಾಂಟೊ
    ರಗ್ತಾಚೆ ವ್ಹಾಳ್ ರಿಗ್ತಾಂ ಗಾಲಾಂತ್
    ತುಜೇ ಬೊಪ್ಪಿನೆಚೊ ಕಾಂಟೊ
ಹೊ ಕಾಂಟೊ ಗಳ್ಯಾಕ್ ತೊಪುಂದಿ
ಹೊ ಕಾಂಟೊ ಕಾಳಿಜ್ ಪಾಪ್ಸುಂದಿ
ಹೊ ಮ್ಹಜೊ ದಿವೊ ಪಾಲ್ವುಂದಿ
ತೆಸಾಂವ್ ಸಲ್ವುಂದಿ, ಕಾಣಿ ಸಂಪೊಂದಿ
    ತುಜ್ಯಾ ಹರ್ಸ್ಯಾಕ್ ಚೊಯ್ತಾನಾ ಮೊಗಾ
    ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಫುಮಾರ್ ಜಾತಾ
    ತುಜ್ಯಾ ಪಾಲ್ವಾಂತ್ ಚೆಪುನ್ ಖಾಡ್ಕಿ
    ರಡುಂ ಮ್ಹಣುನ್ ಆಶಾ ಯೆತಾ
ಸದಾಂ ವೆಂಗೆಂತ್ ಮೊಗಾ ಪಾಸಾಂತ್
ಮ್ಹಜೊ ಘೆತೊಲೊಂಗೊ ವಾಂಟೊ
ಪಾಕ್ಕ್ಯೊ ಗೆಲ್ಯೊ ದೆಂಟೊಾಯಿ ಗೆಲೊ
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವಾಂಟ್ಯಾಕ್ ಉರ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ.

17. ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
975

ಹಾಂವ್ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ
ಆಲ್ಮಾರಿಂತ್ಲ ಬೂಕ್ ವಾಚುಂಕ್ ಆಶೆಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ
ವಾಳಯ್ ವಾಚುನ್ ಗೆಲಿ ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ

ರಸ್ಮಾ ಆಂಗ್ಣಂ ತಾಂಬ್ಡಿಂ ಫಿಂತಾಂ [illegible] ಜಾಯ್
ಹಾಲವ್ನ್ ಧಲವ್ನ್ ಕಮರ್ ತುಜೆಂ ಖಂಯ್ಸರ್ ವೆತಾಯ್ ?
ಗುಳಿ ಜಾತಾ ಆಟವ್ನ್ ತುಜಿ ಖತ್ಕತಿ ಸೊಭಾಯ್
ಆಶಾ ಯೆತಾ ಆಪ್ಡುಂಕ್ ತುಜಿ ಸಿಲ್ಕಾಚಿ ಕೊಬಾಯ್

ಹಾಂವ್ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ
ತಾಂಬ್ಡಿಂ ಫಿಂತಾಂ ಆಪ್ಡುಂಕ್ ಬಾಯ್ ಆಶೆಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ
ಘೊವ್ ತಿಚೊ ಆಪ್ಡುನ್ ಗೆಲೊ ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ

ನಿಳ್ಯಾ ಮಳ್ಬಾರ್ ನೆಕೆತ್ರಾಂಚೊ ಶಿಂವೊರ್ ಜಾಲಾ
ಆತ್ಮೊ ಮ್ಹಜೊ ಮೆಜುಂಕ್ ತಾಂಕಾಂ ಬರೊಚ್ ತಾನೆಲಾ
ದರ್ಯಾ ವೆಳೆರ್ ಶಿಂಪ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಸಾತ್ ಕೊಂಗಾಂಕ್ಚಿಂ ಕರ್‍ಲಾಂ
ಕಾಳಿಜ್ ಮ್ಹಜೆಂ ವಿಂಚುಂಕ್ ತಾಂಕಾಂ ಆಶೆನ್ ಭರ್‍ಲಾಂ

ಹಾಂವ್ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ ಆಶೆಲೊಂ
ನೆಕೆತ್ರಾಂ ಶಿಂವೊರ್ ಮೆಜುಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಆಶೆಲೊಂ
ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ ಖರ್ಯೆಲೊಂ
ಮ್ಹಾವಾಲಿ ಮೆಜುನ್ ಗೆಲೊ ಹಾಂವ್ ಖರ್ಯೆಲೊಂ

18. ಕಿರಾಗಾ ಕಿರಾಗಾ



ಕಿರಾಗಾ ಕಿರಾಗಾ ಶಿಮ್ಪಿ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಾಲಯ್ತಾ ?
ಕರ್ಮಲಿಚ್ಯಾ ಮಳ್ಯಾಂತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್
        ಕೀರ್ ಶಿಮ್ಪಿ ಹಾಲಯ್ತಾ?
ಮತಿ ಮನಾ ಚಾಳ್ವಸ್ತಾನಾ
        ಮಸ್ತಂ ಸವಾಲ್ ಕಾಲಯ್ತಾ
ಕಿರಾಗಾ ಕಿರಾಗಾ ಶಿಮ್ಪಿ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಾಲಯ್ತಾ ?

ಕರ್ಮಲಿಚ್ಯಾ ಮಳ್ಯಾಂತ್ ತರ್ನ್ಯಾ ಘಾಂತ್ಯಾ ವೆಳಾಂತ್
ಆಂಜು ಆಮ್ಚೆಂ ಉಡ್ಯಾಮೊಡ್ಯಾ ಸುಂರ್ಗ್ಯಾರಾಚ್ಯಾ ತಾಳಾಂತ್
ಉಕಲ್ತಾ ತ್ಯಾ ಪರ್ಮಳಾಂತ್ ಕಸ್ಲೆಂ ನಾಕ್‍ಯ್ ಫುಲಯ್ತಾ
ಕೀರ್ ಶಿಮ್ಪಿ ಹಾಲಯ್ತಾ......

ಆಂಜ್ ಭಡ್ವೊ ಖಾಂದಿರ್ ಬಸೊನ್ ಭಂವರ್ ತಿಚಿ ಕಿಸಯ್ತಾ
ಉಬೆಂತಿಚೆಂ ರಗತ್ ಪುಸೊನ್ ಕಪ್ಲಾರ್ ತಿಳೊ ಬಸಯ್ತಾ
ಆಂಜು ಆತಾಂ ಘಾತ್ರಾತಸ್ಲೆಂ ಅಂತಸ್ಕರಣ್ ಭುಲಯ್ತಾ
ಕೀರ್ ಶಿಮ್ಪಿ ಹಾಲಯ್ತಾ.........

ಹರ್ವ್ಯಾವಯ್ಲ್ಯಾ ಬೊಂಗುಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಕೆಸಾಂ ರಾಶಿ ಖೆಳ್ಯಾನಾ
ಚಂದ್ರೆಮಾಚೆಂ ಚಾಂದ್ಣೆಂ ಕುಡಿರ್ ಆಗ್ಟೆಂ ಜಾವುನ್ ಜಳ್ಯಾನಾ
ಅಸ್ಲ್ಯಾವೆಳಿಂ ಸನ್ನಶಿ ಸಯ್ತ್ ನಾಗ್ಣೆಂ ಪೆಂಕಾಡ್ ಧಲಯ್ತಾ
ಕೀರ್ ಶಿಮ್ಪಿ ಹಾಲಯ್ತಾ........

19. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜರ್

ಆಲ್ತಡಿಚೊ ಲೋಕ್ ಆಯ್ಲೊಗೊ ಕಾಜರಾಕ್
ಪಲ್ತಡಿಚೊ ಲೋಕ್ ಆಯ್ಲೊಗೊ ಕಾಜರಾಕ್
ಆಯ್ಲೊನ್ ಕಾಣಿ ಕಾಜರಾಚಿ
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕಾ ಕಾಜರಾಚಿ
ಕಾಳ್ಜೊರಾಚೊ ತಾಪ್ ಆಯ್ಲೊಗೊ ಮಾಜರಾಕ್

ಸಾವದ್ ಮಾಗ್ಪ್ಯಾರ್ ಸಾವದ್ ಮಾಗೂಂಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉತರ್ ಮೆಳನಾ
ಉಪ್ಕಾರ್ ಬಾವ್ಡುಂಕ್ ನ್ಹವ್ರ್ಯಾಬಾಬಾಕ್ ತೆಂಕ್ಯೂ ಶಿವಾಯ್ ಕಳನಾ
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮತಿಂತ್ ಆಶಿ ಕಶಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಾತ್ ಜಳನಾ?
ಪುಡ್ವೆಂ ಪಾವ್ಲಾಂ ಪೆಜಾರಾಕ್ ಗುಲಾಮ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ಇಜಾರಾಕ್

ಆಲ್ತಡಿಚೆ ಉಟ್ಲೆ ನಾಚೊಂಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವ್ಹಾಜಪ್ ವ್ಹಾಜನಾ
ಪಲ್ತಡಿಚೆ ಉಟ್ಲೆ ನಾಚೊಂಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಂತಾರ್ ಗಾಜನಾ
ವಾಡ್ತೆಲ್ಯಾಚೆ ಮೊಡ್ಕೆಂತ್ ಲೆಗೂನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಜೆವ್ಣ್ ಶಿಜನಾ
ಸಗ್ಳೆ ಲಾಗ್ತಾತ್ ರಜಾರಾಕ್, ಬೆಸಾಂವ್ ಪಡೊಂ ಕಾಜರಾಕ್

ಹಾಲವ್ಣ್ ಧಲವ್ಣ್ ವಾಡ್ಪಿ ಯೆತಾ ತುಮ್ಚಿ ಜತನ್ ಕರಾಗಾ
ಧಾದೊಸ್ಕಾಯೆನ್ ಜೆಂವ್ಣೆಂ ಖಾಂವ್ಚೆಂ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾಗಾ
ಕಡಿಯೆ ಬಶಿ ಸಾಡ್ಯಾರ್ ವೊಮ್ತೀ ಕೋಣೀ ತರೀ ಧರಾಗಾ
ಕಾಂಪ್ ಲಾಗಾ ಆಯೆರಾಕ್, ಬೆಸಾಂವ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜರಾಕ್.



20. ಆಡ್ಕುಲೊಗೊ ಬುಡ್ಕುಲೊತೆಲಾತುಪಾಚೊ

ಆಡ್ಕುಲೋಗೊ ಬುಡ್ಕುಲೊ ತೆಲಾತುಪಾಚೊ
ಬಾಯೇಗೆರ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ ಫಿಂರ್ಗ್ಗಿರುಪಾಚೊ
ಆಂಗ್ಣ್ಯಾದಾರಾ ಸುಂರ್ಗ್ಗಾರ್ ಕರಾ ಇಂದಾಸೊಪಾಚೊ
ಬಾಯೇಗೆರ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ ಫಿಂರ್ಗ್ಗಿರುಪಾಚೊ

ಬಟಾಟ್ಯಾಚೊ ಬಿಯಾಳೊ ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಜರ್ ವೊಂಪ್ಲೊ
ಬಟಾಟೊಚ್ ಜಾತಲೊ ದುಸ್ರೊ ವಾದ್ ಸಂಪ್ಲೊ
ಪಿಯಾವ್ ರೊಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಲೊಸ್ಣಿಕಾಂದೊ ಕಿರ್ಲೊನ್ ಕಸೊ ಯೆಂವ್ಚೊ?
ಭಾವೋಜಿಗೊ ಆವ್ಮೊ, ಬಾಯೇರ್ ಫಿಂರ್ಗ್ಗಿ ಕಸೊ ಜಾಂವ್ಚೊ?

ಇಗರ್ಜೆಚ್ಯಾ ದಾರಾರ್‌ಗೊ ಬಾಯ್ ಆಮ್ಚಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ
ದಿಸಾರ್ ತೀನ್ ತೆರ್ಸಾಂ ಲಿಖಾನ್ ಲ್ಹಾನ್‌ವ್ಹಡ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ
ವಾರೆಂ ನಾ ವಾದಳ್ ನಾ ಗಾಗ್ರೊ ಕಸೊ ಉಬ್ಜೊ?
ಭಾವೋಜೀಗೊ ಆವ್ಮೊ, ಬಾಯೇರ್ ಫಿಂರ್ಗ್ಗಿ ಕಸೊ ಜಾಂವ್ಚೊ?

ರೊಜಾರಿಚೇ ಮಾಯೆನ್ ಪುಣಿ ಬಾಯೇರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ನಾಡ್ಲೆಂ
ಸಾಂಗಾತ್ ತಿಕಾ ಜಾಂವ್ ಮ್ಹಣೋನ್ ತಿಚ್ಯಾ ಜಾಳಾಂತ್ ವೊಡ್ಲೆಂ
ದೊರೀ ನಾ ಕೊಳ್ಸೊ ನಾ ಸಾಂಗಾತ್ ಕಿತ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಚೊ ?
ಭಾವೋಜಿಗೊ ಆವ್ಮೊ, ಬಾಯೇರ್ ಫಿಂರ್ಗ್ಗಿ ಕಸೊ ಜಾಂವ್ಚೊ?

21. ಘಾರಾರ್ ಘಾರ್

ಸೊಭಯಾಗೆ ಪಂಲ್ಗಣಾ ಇಂದಾ ಪಾನಾನಿ
ರಂಗವ್ಹ್ ಕಾಡಾ ಆಂಗ್ಣಾ ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ಬಣಾನಿ
ಆಜ್ ಕೊಣೀ ಯೆಂವ್ಚೊ ಆಸಾ
ಆಯ್ಯಾತಾತೀ ರಾತೀ ದಿಸಾ
ಧೊಲಿಂಚೆರ್ ಮಾರ್ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವನಾನಿ
ಘಾರಾರ್ ಘಾರ್ ಜಾತಾಯ್ ರಾನಾನಿ

ಪೊಳಿ ಕರುಂಕ್ ತಾಂದುಳ್ ಘಾಲಾ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ವಾನಾನಿ
ಪೊಳಿಯೆ ಭಿತರ್ ಪುರಣ್ ಭರಾ ಗೊಡಾಚುನಾನಿ
ಆಜ್ ಕೊಣೀ ಯೆಂವ್ಚೊ ಆಸಾ ವ್ಹಾಜಯಾರೆ ರಾತೀ ದಿಸಾ
ಧೊಲಿಂಚೆರ್ ಮಾರ್ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವನಾನಿ
ಘಾರಾರ್ ಘಾರ್ ಜಾತಾಯ್ ರಾನಾನಿ

ಪುರಾತ್ ಚಿವೆ ಲಾಯಾತ್ ದಿವೆ ಕವ್ಳ್ಯಾ ತಣಾನಿ
ವಾಟ್ ತಾಚಿ ಸುಂರ್ಗಾರಾಯಾ ವಾತಿ ಮೆಣಾನಿ
ಆಜ್ ಕೊಣಿ ಯೆಂವ್ಚೊ ಆಸಾ
ವ್ಹಾಜಯಾರೆ ರಾತೀ ದಿಸಾ
ಧೊಲಿಂಚೆರ್ ಮಾರ್ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವನಾನಿ
ಘಾರಾರ್ ಘಾರ್ ಜಾತಾಯ್ ರಾನಾನಿ.

22. ಹಾಂವ್ ಪ್ರೊವ್ಲೆಂತ್ ಜಾಗೊ ಜಾತಾಂ

ವೊಡಾರುಕಾಬರಿ, ಕಲಾಕಾರಾ ಜಿಣೆ
ಬಿಡಾರ್ ಖಾಂದ್ಯಾರ್ ಕರಿ, ಕಾವ್ಳ್ಯಾ ಕೊಗುಳ್ ಸುಕ್ಣಿಂ
ತ್ರಾಸ್ ಲೆಕ್ಲ್ಯಾತ್ ಕೊಣೆ, ಗ್ರಾಸ್ ಕೆನ್ನಾಯ್ ಉಣೆ.
ಲಾಸ್ ಪೊಟಾಂತ್ ಲಿಪವ್ನ್, ವಾಜಯ್ ಆಪ್ಲೆಂ ವಿಣೆ.

ಹಾಂವ್ ಪ್ರೊವ್ಲೆಂತ್ ಜಾಗೊ ಜಾತಾಂ
ಪೆಟೆಂತ್ ವೊಗೊ ಜಾತಾಂ
ತಾಂಚೆ ಮದೆಂ ಆತಾಂ
ಉಸ್ತುನ್ ಉಸ್ತುನ್ ದಿತಾಂ
ಜಿವಿತಾಚಿಂ ಸತಾಂ

ವೊಡಾರುಕಾಬರಿ ವಿಲ್ಫಿಯ್ ಆಶೆಂಚ್ ಕರ್ತಾ
ಗೊಡಾ ಆವಾಜ್ ಧರುನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉತ್ರಾಂತ್ ಭರ್ತಾ
ಹೊಲಾಂತ್ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾ ಕಾಳ್ಜಾನ್ ಕಾಳಿಜ್ ಗುಂತ್ತಾ
ವಿಣೆ ತಾಚೆಂ ಗಾಜ್ತಾ ದಿಗಂತಾಚ್ಯಾ ಪೊಂತಾ

ಹಾಂವ್ ಪ್ರೊವ್ಲೆಂತ್ ಜಾಗೊ ಜಾತಾಂ
ಪೆಟೆಂತ್ ವೊಗೊ ಜಾತಾಂ
ಭುಕ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾರ್ ಆತಾಂ
ಉಸ್ತುನ್ ಉಸ್ತುನ್ ಖಾತಾಂ
ಜಿವಿತಾಚಿಂ ಸತಾಂ

ವೊಡಾರುಕಾಬರಿ ವಿಲ್ಫಿ ತುಜೆಂಯ್ ಜಾಲೆಂ
ಬಿಡಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸುಕ್ಣ್ಯಾನ್ ಪಾಲ್ಯಾರ್ ಮೆಳೆಂ ಕೆಲೆಂ
ಕೊಯ್ತೊ ಕುರಾಡ್ ಹಾತಿಂತ್ ಜೊಳ್ವಾರ್ ತಯಾರ್ ಕರಿ
ಆಯ್ತೊ ಕವಿ ಮತಿಂತ್ ಅಸೊ ರುದಾನ್ ಕರಿ.

ಆಮಿಂ ಪ್ರೊವ್ಲೆಂತ್ ಜಾಗೆ ಜಾತಾಂ
ಪೆಟೆಂತ್ ವೊಗೆ ಜಾತಾಂ
ಕಾಮ್ ಧಾಮ್ ಮೊಳುನ್
ಫುಲ್ ಪಾಕ್ಳಿ ವೊಳುನ್
ವಿಲ್ಫಿ ತುಕಾ ದಿತಾಂ

23. ಜಳಾರ್

ದೀಸ್ ಬುಡ್ಲೊ ರಾತ್ ಆಯ್ಲಿ ಪಡ್ಲಿ ಸಳಾರ್
ದಾಟಿ ಮೊಟಿ ವಾಟ್ ಚುಕ್ಲಿ ಎಕ್ಲಿ ಜಳಾರ್
ದೊಳ್ಯಾರ್ ದೊಳೊ ಅಸೊ ಲಾಗ್ಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ವ್ಹಾಜಯ್ತಾ ಪೆಂಪಾರೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾರ್

ಜಳಾರಿ ಜಳಾರಿ ಉಪ್ಕಾರ್ ಕರಿ
ಆಡ್ಲೊಸ್ ಮಾಗ್ತಾಂ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಚೆರಿ
ವ್ಹಾಜಯ್ನಾಕಾ ಬಿಗಿಲ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂಚೆರಿ
ಪ್ರೆಶರ್ ಕುಕ್ಕರಾಚಿ ಗುಡ್ಡೆ ಬರಿ.

ಕುಶಿನ್ ನಿದ್ಲ್ಯಾಗೆ ತಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಮ್ಹಜಿ
ತಿ ನೆಣಾ ಇಷ್ಟ್ಯಾಗತ್ ಮ್ಹಜಿ ತುಜಿ
ಪೊಲ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉಮೆ ದಿಶಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಚಾಚವ್ನ್ ಚಾಚವ್ನ್ ತುಜಿ ಕರಿತ್ ಸೊಜಿ

ದುಬ್ಳೊ ಕಾಮೆಲಿ ಹಾಂವ್ ನ್ಹಯ್ಗಿ ಬಾಬ್?
ಮ್ಹಾಕಾ ಚಾಬೊನ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ಲಾಬ್?
ರಗ್ತಾಚಿ ರಾಸ್ ತುಕಾ ಜಾಯ್ಜ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಡಾಯ್ರೆಕ್ಟರ್ ಸಾಯ್ಬಾಬ್ಯಾ ಕುಲ್ಯಾಂಕ್ ಚಾಬ್



24. ಶಿರಾಂಧಾರಿಚೊ ಪಾವ್ಸ್

ಚಲೊ: ಶಿರಾಂಧಾರಿಂಚೊ ಪಾವ್ಸ್ ಮುನ್ನಾ ಅಸೊಯ್ ವೊತ್ತ್ಾನಾ
ಭಿಜುನ್ ಕಿತ್ಯಾ ವೆತಾಯ್ ಮುನ್ನಾ ಸತ್ರಿನಾಸ್ತಾನಾ ?
ಚಲಿ: ಸಾಂತೆಕ್ ವ್ಹಚಾನಾರೇ ಬೊನಾ ಮಿಸಾಕ್ ವಚನಾ
ಸತ್ರಿ ಹಾತೀಂ ಆಸ್ತಾಂ ಮನಾ ಜಡಾಯ್ ಸೊಸನಾ

ಚಲೊ: ಆಮೀ ಬೊಣಾಕ್ ವಚೊಯೊಂ
ಆಮೀ ರಾನಾಂತ್ ನಾಚೊಯಾಂ
ಶಿರಾಂಧಾರಿಚೊ ಪಾವ್ಸ್ ವೊತ್ತಾ ಸತ್ರಿ ನಾಸ್ತಾನಾ

ಚಲೊ: ಕೆಸಾಂಕ್ ಫಿಂತಾಂ ವಿಸ್ತಿದ್ ಕೊಂತಾಂ ಕುಡೀರ್ ಆಸ್ತಾನಾ
ಜಡಾಯ್ ಕಶೀ ಜಾಯ್ನಾ ಮುನ್ನಾ ಮತೀಕ್ ಸುಸ್ತಾನಾ
ಸಂಸಾರಾಚ್ಯೊ ರೆಗ್ರ್ಯೋ ರುಲಿ ಕಾಯ್ದೆ ಆಸ್ತಾನಾ
ಚಲಿ: ತೊಡುನ್ ಕಾಡುಂ, ಮುಕ್ತ್ ಜೊಡುಂಕ್ ಭಿರಾಂತ್ ನಾಸ್ತಾನಾ

ಚಲಿ: ಕುಡಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಮುಸ್ತಾಯ್ಕಿಚೆ ಬಾಂದ್‌ದೊಸ್ತಾನಾ
ಆಶಾ ಯೆತಚ್ ನಾಚೊಂಕ್ ಬೆಂಡಾರ್ ಕಲ್ಸಾಂವ್ ನಾಸ್ತಾನಾ
ವಿಚರ್ ದೆವಾಕ್ ರಚ್ಲೆಂಯ್ ಕಿತ್ಯಾ ಲಜ್ ನಾಸ್ತಾನಾ
ಆದಾಂವ್ ಎವೇಕ್ ಪೆಂಕ್ಡಾರ್ ಲೆಗೂನ್ ಮೂಂಜ್ ನಾಸ್ತಾನಾ.



25. ರಾನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾ

ಪಾನಾ ಇಡ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್........
ಪುಸ್ಪುಶಿ ಲೋವ್
ಯುಗಾ ಯುಗಾಂಚಿ......
ಮುಸ್ಮುಶಿ ದಾವ್......ತುಂಚ್ ಮ್ಹಜೊ ಭಾವ್
ರಾನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಕ್ಡಾ
ಯೇ ಖುಶಿ ಪಾವ್
ಬಗ್ಲೆನ್ ರಾವ್ ತುಂ
ತುಂಚ್ ಮ್ಹಜೊ ಭಾವ್



ಆದಾಂಪ್ಸಿ ಬೋರ್ ಕಾಡ್ಲಿ ವ್ಹಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಚ್ಯೊ ಕಾಣಿಯೊ
ಲ್ಹಾನಾ ವ್ಹಡಾನ್ ದೊಳೆ ಧಾಂಪುನ್ ಗಳಯ್ಲ್ಯೊ ಮಣಿಯೊ
ಕೊಣೆ ಫಟ್ ಮಾರ್ಲಿ, ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಲಾಟ್ ಮಾರ್ಲಿ ?
ಚಿಂತುನ್ ಚಿಂತುನ್ ಜಾಲೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಮಸ್ತಕ್ ಮೋವ್.

ತುಜಿಚ್ ಖಾಡ್ಕಿ, ತುಜಿಚ್ ಉಡ್ಕಿ, ತುಜೆಚ್ ಗೂಣ್ ಚಾಲ್
ದೀಸ್ ರಾತ್ ವೆಂಗೂನ್ ರಾವ್ಯಾಂತ್ ಜಶಿ ರೂಕ್ ವಾಲ್
ತವಳ್ ತವಳ್ ಖೊರ್ಸುತಾ ಲೋವ್
ಝುಡ್ಲೆಲೆ ಶಿಮ್ಪೆಚಿ ಪೊರ್ನಿಶಿ ಮಾವ್....

ಸಾವ್ಕಾರಾಚಿ ಅರ್ನಿಲ್ಲಿ ಮೂಟ್ ತುಜೆಂಚ್ ಬೆಸಾಂವ್
ಪಾದ್ರಿ ಟಚೇರಿಚಿ ಕೂಟ್ ತುಜೆಂಚ್ ಲಿಸಾಂವ್
ತುಜೆಚ್ ತೆ ಗೂಣ್ ಇಗರ್ಜೆಂತ್ ಲೆಗೂನ್
ಬೊಲ್ಸಾನಿಂ ಹಾತ್ ಘಾಲುನ್ ಖೊರ್ಪುಂಚೆಂ ಲೋವ್

26. ಮಾಯೆಮೊಗಾಚೇ ಮಾಮೀ

ವ್ಹಾಳಾ ದೆಗೆರಿ ಮಾಮಿ ಮಾಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾ ರಾವ್ತಾಲಿ
ತಿಚ್ಯಾ ಶಿರಾನಿಂ ಮಾಯ ಮೊಗಾಚಿ ಝುರ್‌ಶಿ ವಾಳ್ಟಾಲಿ
ಆಂಬ್ಯಾಚಾ ರುಕಾಕ್ ಪಳೆಲ್ಯಾರ್ ತೊರಾಂ ಘೊಸ್ ಘೊಸ್ ದೆಂವ್ತಾಲಿಂ
ಪಾನ್ಯಾಂಕ್ ತಿಚ್ಯಾ ಪೊಪಾಯ್ ಲಜೆನ್ ತಕ್ಲಿ ಬಾಗಾಯ್ತಾಲಿ
ಮೊಗಾಳಿ ಮಾಮಿಯೆ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗೆ ?
ಮಾಯಾಳಿ ಮಾಮಿಯೆ ಅಸೆಂ ಕಶೆಂಗೆ ?
ಉಲ್ಯಾ ತುಗೆಲ್ಯಾ ಅಂಕುರೆ ಪಾಲ್ಯಾ ಲಾಗ್ತಾ ಪಿಶೆಂಗೆ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗೆ?

ಮಾಮ್ ತೊಟಾಂತ್ ಆಯ್ಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ವಾಟ್ ಲಾಗ್ತಾ ತೊಟಾಕ್
ಭಾಂಗ್ರಾಚೊ ಫಾತರ್ ಜಾವುನ್ ಪಡ್ಟಾ ಖಾತೆಲ್ಯಾಚಾ ಪೊಟಾಕ್
ಚುಕೊನ್ ಲೆಗುನ್ ಮಾಡಾಕ್ ಚೊಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಜಾಪ್ ಗಡ್ಟಾತಾ
ದುಸ್ರ್ಯಾಚ್ ದಿಸಾ ಬೊಂಡುಲೊ ಬಾವೊನ್ ಧರ್ನಿಕ್ ಶೆವ್ಟಾತಾ.
ಆವ್ಹಾಳಿ ಮಾಮಾ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗಾ .?
ದಳ್ಬಿರ್ಯಾ ಮಾಮಾ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗಾ ?
ಹಾತ್ ತುಗೆಲೊ ಲಾಗ್ತಾನಾ ಲಿಂಬ್ಯಾ ಪಡ್ಟಾ ಲಾಶೆಂಗಾ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗಾ ?

ಮಾಮ್ ಗೊಟ್ಯಾಕ್ ವಚತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಗೊಬ್ಯೊ ಭರಾನಾ
ಮಾಮಿ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಕೊಳ್ಯಾಂತ್ ಜಾಗೊ ಉರಾನಾ
ಮಾಮ್ ಜಾವ್ಯೆತ್ ಗಿಂಡ್ಯೆಂತ್ಲೆಂ ದೂದ್ ಅರ್ದಶೆಂ ಗಿಳ್‌ತಾ
ಮಾಮಿ ಜಾವ್ಯೆತ್ ಮಾಯಾಮೊಗಾನ್ ಆಪ್ಲೆಂಯ್ ಪಿಳ್‌ತಾ
ಮೊಗಾಳಿ ಮಾಮಿಯ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗೆ ?
ಮಾಯಾಳಿ ಮಾಮಿಯೆ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗೆ ?
ಉಲ್ಯಾ ತುಗೆಲ್ಯಾ ಅಂಕುರೆ ಪಾಲ್ಯಾ ಲಾಗ್ತಾ ಪಿಶೆಂಗೆ ಅಶೆಂ ಕಶೆಂಗೆ ?

27. ಬಾತ್ತಾಬಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್

ಬಾತ್ತಾಬಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಗುಳೊ ಹಾಯ್ಣ್
ವೆಗಿಂ ವೆಗಿಂ ಚಿರುನ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಜಾಯ್
ಉಟಾಉಟಿಂ ತಾಕಾ ವ್ಹೆಲೊ
ಹೊಸ್ಪಿಟಲಾಂತ್ ದಾಖಿಲ್ ಕೆಲೊ
ಬಾತ್ತಾಬಾಚಿ ಕಾಂಪೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ ಪಾಯ್

ಹೊಸ್ಪಿಟಲಾಂತ್ ಬಾತ್ತಾಬಾಚೆಂ ಕಾಂಯ್ಂಚ್ ಚಲಾನಾ
ಲೊಂಬಾ ಶಿವಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾತ್ ಗಾಂವಾರ್ ಬೊಂಚೊ ಹಾಲಾನಾ,
ಬೊಂಚೊ ಹಾಲಾನಾ ಬೊಂಚೊ ಹಾಲಾನಾ ಬೊಂಚೊ ಹಾಲಾನಾ,
ನೋಟ್ ನೋಟ್ ದೆಖ್ಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ಕೊಣ್ಂಚ್ ಭುಲಾನಾ

ವಾರ್ಡ್ ಬೊಯಾಕ್ ಪಾಂಚ್ ರುಪಯ್ ಜಾಯ್
ನರ್ಸ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಪಂಚ್ವಿಸ್ ರುಪಯ್ ಪಾಯ್
ದಾಕ್ತೆರ್ ಸುರಿ ಧರಿಸೊನಾ
ಗುಳೊ ತಾಚೊ ಚಿರಿಸೊನಾ
ನಿಳ್ಯೊ ನೋಟ್ ಪಾವಯ್ಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್

ಪೊಣ್ಯಾ ತೆದೊ ಗುಳೊ ಜಾಲೊ ಹಾಯ್
ಬಾತ್ತಾಬ್ ದಿಸ್ಲೊ ಗಾಬ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಗಾಯ್
ಆತ್ಮೊ ತಾಚೊ ದೆವಾನ್ ವ್ಹೆಲೊ
ಭಿರಾಂತೆನ್ ತೊ ಗುಳಿಜಾಲೊ
ಸರ್ಗಾರ್ ಕೊಣ್ಯ್ ಲೋಂಚ್ ಘೆತಿತ್ ಕಾಯ್ ?

28. ಇಜ್ಜಾಬಾಕ್ ಇಜಾರ್ ನಾ

ಇಜ್ಜಾಬಾಕ್ ಇಜಾರ್ ನಾ
ತರಿ ತಾಕಾ ಬೆಜಾರ್‌ನಾ
ಇಜ್ಜಾಬಾಕ್ ಇಜಾರ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್
ಬಿಜ್ಜಾಮೆಕ್ ಬೆಜಾರ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್
ಆಜ್ ಕಾಲ್ ಇಜ್ಜಾಬಾಚೆಂ ಶಿಂತಿದ್ ಪಾಜಾರ್ನಾ

ಆಸ್ಲೆಂ ಏಕ್ ನಿಳ್ಶೆಂ ಇಜಾರ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಚೆಂ
ಇಜ್ಜಾಬಾಕ್ ಫಳ್ ತೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ತಾಚ್ಯಾ ರಜಾರಾಚೆಂ
ಬಿಜ್ಜಾಮೇನ್ ರೇಶನ್ ಹಾಡುಂಕ್ ತಾಚೆ ದೊನೀ ಪಾಯ್ ಜೊಡುನ್
ವ್ಹಡ್ಲೆಂ ಜಯ್ತ್ ಪೊತೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಂ ತ್ಯಾಯೀ ಇಜಾರಾಚೆಂ.

ಕಾಪಿಯೆ ರಂಗಾರ್ ಇಜಾರ್ ತಾಚೆಂ ಶಿಂತಿದ್ ಭುಲಯ್ತಾಲೆಂ
ನ್ಹಿಸ್ತಾಸ್ತಾನಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಕೊಣೆ ಫೋವ್ ಕಾಲಯ್ತಾಲೆಂ
ಬಿಜ್ಜಾಮೆಕ್ ತೆಂ ಪರ್ನೆಂ ಜಾಲೆಂ, ದೆಕುನ್ ಕಾಪುನ್ ಮೆಟಾರ್ ಘಾಲೆಂ
ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ತೆಂ ಮೆಟಾರ್ ಲೊಳೊನ್ ಪಾಯ್ ಸುಕಯ್ತಾಲೆಂ

ಕಾಳ್ಯಾ ಬಣಾರ್ ಇಜಾರ್ ತಾಚೆಂ ಕಸ್ಲ್ಯಾಯ್ ಕಾಮಾಕ್ ಪಾಂವ್ತೆಂ
ಇಗರ್ಜೇಕ್, ಸಿಮೆತ್ರೀಕ್, ಕಾಜ್ರಾಕ್ ವ್ಹಚೊಂಕ್ ಜಾಂವ್ತೆಂ
ಬಿಜ್ಜಾಮೆನ್ ಗಾಗ್ರೊ ನಾತ್ಲ್ಯಾಕ್, ನಿದ್ತಾಸ್ತಾನಾ ಘಾತ್ಲೆಂ ನ್ಹೆಸ್ಚ್ಯಾಕ್
ಇಜ್ಜಾಬಾನ್ ಅರ್ಧೆಂ ಪುಡ್ವೆಂ ಪೆಂಕ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆತಾಂ ಲಾಂವ್ತೆಂ.

29. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯೆಚೆಂ ರುದಾನ್

ಆಜ್ ಮುಗೆಲಿ ಆಸ್ಲಿ ವೊಲಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಂವ್
ಕಾಳ್ಜಾರ್ ಮಾರಿಲ್ಯಾ ಬುರ್ಗ್ಯಾಂನಿ ಭಾಲಿ ತಾಂಚೆಂ ಬರೆಂ ಜಾಂವ್.

ಆಲ್ತಾರಿರ್ ಮ್ಹಜಿ ಬಲಿ ಭೆಟಯ್ಲಿ
ಇಸ್ಕೊಲಾಂತ್ ಮ್ಹಜಿ ಶಿರ್ ತುಟಯ್ಲಿ
ದೊಗಾಂಯ್ನಿ ಮೆಳುನ್ ವೊಡ್ಲ್ಯಾಗಾ ಸಾಲಿ
ಮೆಲಿಂ ಮುಂಗಾ ಹಾಂವ್!

ವ್ಹಡಾಂ ವ್ಹಡಾಂನಿ ಬೊತ್ಲೆರ್ ಪಾವಯ್ಲಿ
ದುಬ್ಳ್ಯಾಲ್ಯಾನಾಂನಿ ದಿಷ್ಟಿ ಬಾವಯ್ಲಿ
ಉತ್ರಾಂಚಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಸಾಯ್ ಕೆಲಿ
ಕಶಿಂ ಸೊಸುಂ ಹಾಂವ್!

ಪಿರಾಯ್‌ವಂತಾಂನಿ ಕಾನಾರ್ ಖೊವಯ್ಲಿ
ತರ್ನ್ಯಾತರ್ನ್ಯಾನಿ ಕುಜ್ನಾರ್ ಪಾವಯ್ಲಿ
ರಾಜ್ರಾಹೊಲಾನಿ ಘಾಲ್ತಾತ್ ಗುಳಿ
ಗುಳಿ ಜಾಲಿಂ ಹಾಂವ್!



30.ಸುಡ್ಸುಡೆ ರೆಂವೆಚೆರ್

ಸುಡ್ಸುಡೆ ರೆಂವೆಚೆರ್ ಅಪ್ಟ್ಯಾತಾಲಿಂ ಲ್ಹಾರಾಂ
ಚಿಂತುನ್ ಬಸ್ತಾಂ ಮೊಗಾ ಹಾಂವ್ ಲಾಂಬ್ ದೀಗ್ ವ್ಹೊರಾಂ
ಲ್ಹಾರಾಂಕ್ ರೇಂವ್ ಜಾಯ್, ರೆಂವೆಕ್ ಲ್ಹಾರ್ ಜಾಯ್
ಚಿಂತುನ್ ಲಾಚಾರ್ ಜಾಲಾಂ ಕೊಣಾಕ್ ಕೊಣ್ ಜಾಯ್

ಹಾಂವ್ ಜರ್ ಜಾಯ್ ತುಕಾ
ಹಾಂವ್ ಜಾಯ್ ಹಾಕಾ ತಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ಜರ್ ನಾಕಾ ತುಕಾ
ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ನಾಕಾ, ಹಾಂವ್ ನಾಕಾ.

ಪಯ್ಸಿಲ್ಯಾ ಮೊಳ್ಬಾಚೆರ್ ದರ್ಯಾನ್ ಉಸಯ್ಲ್ಯಾ ದಾಯ್
ಮಳ್ಬಾನ್ ಘಾಂಕ್ಲ್ಯಾ ತಾಚೆರ್ ನಿಳ್ಯಾ ರಂಗಾಚಿ ಸಾಯ್
ಮಳ್ಬಾಕ್ ದರ್ಯೊ ಜಾಯ್, ದರ್ಯಾಕ್ ಮಳಬ್ ಜಾಯ್
ಚಿಂತುನ್ ಲಾಚಾರ್ ಜಾಲಾಂ ಕೊಣಾಕ್ ಕೊಣ್ ಜಾಯ್.

ರೆಂವೆ ಲ್ಹಾರಾಂಚೆ ಮೆಳಿ ಮಳ್ಬಾವಯ್ಲಿ ನಿಳಿ
ಸಮ್ಜುನ್ ಘೆಯಾತ್ ತುಮಿ ಮ್ಹಜೆ ಮತಿಚ್ಯೊ ವೊಳಿ
ಬಾಳಾಕ್ ಮಾಂಯ್ ಜಾಯ್ ಮಾಯೆಕ್ ಬಾಳ್ ಜಾಯ್
ಚಿಂತುನ್ ಲಾಚಾರ್ ಜಾಲಾಂ ಕೊಣಾಕ್ ಕೊಣ್ ಜಾಯ್

ಹಾಂವ್ ಜರ್ ಜಾಯ್ ತುಕಾ
ಹಾಂವ್ ಜಾಯ್ ಹಾಕಾ ತಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ಜರ್ ನಾಕಾ ತುಕಾ
ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ನಾಕಾ, ಹಾಂವ್ ನಾಕಾ.

31. ಚಂದಾಮಾಮಾ

ಚಂದಾಮಾಮಾ ಚಂದಾಮಾಮಾ
ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಪೆಸ್ತ್ರಾರ್ ಯೇಗಾ ಮಾಮಾ
ಯೇಗಾ ಚಂದಾಮಾಮಾ
ಜಿಗಿಬಿಗಿ ತಾರಾಂ ಮದೆಂ
ಚಂದ್ರಿಮಾ ತುಂ ರಾಯ್ ಜಾತಾಯ್
ಮಳ್ಬಾರ್ ತಾರಾಂ ಫುಗ್ತ್ಯಾನಾ
ಆಸೊ ಕಸೊರೆ ಭಾಗೊನ್ ಯೆತಾಯ್? ಹೋ........ಹೋ......ಚಂದಾಮಾಮಾ
ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಫೆಸ್ತ್ರಾರ್ ಯೇಗಾ ಮಾಮಾ
ಖಾಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ತುಕಾ ಮಾಸ್ ದಿತಾಂ
ಧಾಟೊ ಮೊಟೊ ಜಾಗಾ ಮಾಮಾ

ರೊಕೆಟಾಚೆರ್ ಬಸುನ್ ಖಂಯ್
ತುಜ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ವೆತಾತ್ ಖಂಯ್
ಆಯ್ಲೆ ಗೆಲೆ ದೆಂವ್ಲೆ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಸೊಭಾಯ್ ತುಜಿ ಉರಾತ್ ಖಂಯ್? ಹೋ....ಹೋ.....ಚಂದಾಮಾಮಾ
ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾಫೆಸ್ತ್ರಾರ್ ಯೇಗಾ ಮಾಮಾ
ಪಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ತುಕಾ ಸುರ್ ದಿತಾಂ
ತಾಂಬ್ಡೊ ತಾಂಬ್ಡೊ ಜಾಗಾಮಾಮಾ.

32. ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ

ಆಲ್ತಡಿ ದೊಂಗ್ರಾರ್ ಮಾರ್ನ್ಲೊ ಉಲೊ
ಪಲ್ತಡಿ ಮೊಗಾ ಪರ್ಯಾನ್ ಪಾವ್ಲೊನಾ
ವೊಮ್ತಾತಾ ಮ್ಹಜಾ ದುಖಾಂಚೊ ಪೆಲೊ
ತರೀ ಮುಗೆಲೊ ದೊಳೊ ತೊವ್ಲೊನಾ
        ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಹೆಂ ಮತಿಕ್ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ

ಪುರ್ವಿಲ್ಯೊ ಯಾದಿ ಮಾತಿಯೆಕ್ ಪಾಯ್ತಾಲಿಂ
ಆಂಗಾ-ಆತ್ಮ್ಯಾಂತು ಉಜೊ ಉಟ್ಟ್ಯಾನಾ
ಸುರ್ಯಾಚಿರ್ ವಚುಂಕ್ ನಿಸಣ್ ಲಾಯ್ತಾಲಿಂ
ಕರ್ತಲಿಂ ಕಿತೆಂ ? ಅಶೆಂಯ್ ಜಳ್ಟನಾ ?
        ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಹೆಂ ಮತಿಕ್ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ

ಚಿಂಚೆಚಿಂ ಫುಲಾಂ ಬೊರ್ಕ್ಡಚಿಂ ಪಿಲಾಂ
ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ವಸ್ತುಂಕ್ ಕಾಂಯ್ ಉಣೆನಾ
ಕೆಸಾಂಚಿ ಗುಂಗುರ್ ದುದಾಚಿ ಗಾಬ್ಯಾಂ
ಎರ್ಕ್ಯಾಂತೀ ಕಶಿ ಝುರ್ ದೆಂವಾನಾ ?
        ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ ಹೆಂ ಮತಿಕ್ ಝುಳ್ಕ್ಯಾನಾ



33. ಎಕಾ ಗುಲಾಬಾಕ್ ತಿತೀನ್ ಪಾನಾ

ಎಕಾ ಗುಲಾಬಾಕ್ ತಿತೀನ್ ಪಾನಾ
ನವಲ್ ಕೆಲಾಂ ವೊಳ್ಖಸ್ತಾನಾ
ಧರ್-ಗೊ ಡಿನ್ನಾ, ಧರ್ -ಗೊ ಮಿನ್ನಾ
ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾ ಮಾಳ್ಬಲೆಂ ನಾ.

    ಆಮಿ ಘೆಂವ್ಚಿನಾಂವ್ ಆಮಿ ಮಾಳ್ಚಿನಾಂವ್
    ತುಜಿ ಕೂಡ್ ಧಲನಾ, ತೋಂಡ್ ಫುಲನಾ, ಫುಲ್ ದಿತಾನಾ.

ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾ ಧುಂಪ್ ಧುಂವರ್ತಾ
ಸಗ್ಳಿಂಚ್ ಶಿಂಬ್ರಿಂ ಹುಂಗ್ತಲೆಂ ನಾ
ದೆವಾಚಾ ಕುಡಾಂತ್ ದಿವೊ ಝುಳ್ಕಾತಾ
ಸಗ್ಳಿಂಚ್ ಆಂದ್ಳಿಂ ಚೊಯ್ತಲೆಂ ನಾ
ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾ ಶಿಂವ್ತಿಂ ಆಬೊಲಿಂ
ಸಗ್ಳಿಂಚ್ ಆಳ್ಕಿಂ ವೊಳ್ಬಲೆಂ ನಾ
ಧರ್‌ಗೊ ಜಿನ್ನಾ, ಧರ್‌ಗೊ ವಿನ್ನಾ
ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾ ಮಾಳ್ಬಲೆಂ ನಾ

    ಪಾಯಾಂಕ್ ಬಾಂದ್ಲೆಂ ಪಾಂಯ್ಜಣ್ ಹಾಂವೆಂ
    ಸಗ್ಳಿಂಚ್ ಕೆಪ್ಪಿಂ ಆಯ್ಕೊಂಚೆಂ ನಾ
    ಹಾತಿಂತ್ ಘೆತ್ಲಿ ಪಿರ್ದುಕ್ ಹಾಂವೆಂ
    ಜೀವನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಚ್ತಲೆಂ ನಾ
    ಮಾತ್ಯಾಕ್ ಮಾಳ್ಳೆಂ ಪಾಕ್ ಮೊರಾಚೆಂ
    ವಾಂಕ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾನ್ ತಿಳ್ಬಲೆಂ ನಾ
    ಧರ್‌ಗೊ ಲಿಸಾ, ಧರ್ ಹೆಲೆನಾ
    ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾ ಮಾಳ್ಬಲೆಂ ನಾ.

34.ಕೊಗ್ಳಿಂಚೊ ವಿವಾದ್

ಆಂಬೊ ಪಿಕಲಾ, ಪಿಯೂ ಪಿಯಾ
ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಯೇಗಾ ಪತಿ ರಾಯಾ
ಭಂವ್ತಣ ವ್ಹೊಡ್ಹಾರ್, ವ್ಹಡ್ ತುಜಾ
ಹಾಂವ್ ಜೆವಿನಾ, ತುಮಿಂಚ್ ಖಾಯಾ
        ಲಾಂಬ್ ಜಿಬೆಚಿ ಮಾಂಯ್ ಮಗೆಲಿ
        ಲಾಂಬ್ ಕಾಚೆಚೊ ಆನ್ ಮ್ಹಜೊ
        ಸುಟ್-ಬುಟಾಂಚೊ ಕುಂಪಾರ್ ಆಮ್ಚೊ
        ನಿವ್ಲೆಲೆ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ಫುಂಕಿ ಉಜೊ
        ಸಂಗಿಂ ಬಸುನ್ ಆನ್ ಪಾಯಾಂ
        ತೋಂಡ್ ಧುಯಾವ್ಪೊ ವೆಗಿಂ ಯೆಯಾ
ಮಾಂಯ್ ತುಗೆಲಿ ಮೊಟಿ ಕೊಗುಳ್
ಕೆಂಳ್ಯಾಂಚಾ ತೊಟಾಂತ್ ಭಂವ್ಚೆಂ ಕೊಗುಳ್
ಆನ್ ತುಗೆಲೊ ಆಡೆಭಾಗೆಚೊ
ಕುಂಪಾರ್ ಖೊಟೊ ವಿಣ್ಲೊ ಸೊಮ್ಣುಳ್
ಸಂಗಿಂ ಜೆವ್‌ಯಾ ಮಾತಿ ಖಾಯಾ
ಸಂಗಿಂ ಗಾಯಾ ಯಾ ಬಾಂಗ್ ದಿಯಾ
        ಮಾಂಯ್ ಆನಿ ಧಯ್ರ್ಯಾಕ್ ಆಸುಂ
        ಕುಂಪಾರ್ ಆಸುಂ ಉಬ್ಗಣೆಕ್
        ಪತಿ ತುಗೆಲೊ ಎಕ್ಸುರೊ ಆಸುಂ
        ತಾಂಚೆಸಂಗಿಂ ಬಸ್ ರೊವಾಣೆಕ್
        ದೆವಾಲಿ ಮಾಯಾ ವೊಗೆ ಜಾಯಾ
        ತೋಂಡ್ ಧುಯಾವ್ಪೊ ವೆಗಿಂ ಯೆಯಾ.

35.ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್

ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ ಗಾಣ್ಯಾರ್ ವೆತಾಲೊ
ದೀಸ್‌ಭರ್ ತೇಲ್ ಪಿಳುನ್ ಘರಾ ಯೆತಾಲೊ
ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ ವಿರಾರ್ ಜಾತಾಲೊ
ಅಸಲ್ಯಾವೆಳಿಂ ಗಲರಿಚೆರ್ ಆವಾಜ್ ಕಸಲೊ ?

ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ
ಕಾಲುಬುಲೊ ಕಾಲುಬುಲೊ ಜಾತಾಲೊ
ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ಲೊ
ಕುಲುಕುಲೊ ಕುಲುಕುಲೊ ಖಾತಾಲೊ.

ಆವಾಜ್ ಕಸಲೊ ಬೊಕುಲ್ ಆಸ್ತಲೊ
ಶಿಂಕ್ಯಾ ವಯ್ಲೆಂ ದೂಧ್ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಧಾಂವ್ತಾ ಆಸ್ತಲೊ
ಜರ್ಲೊ ಆಸ್ತಲೊ ಉಂದಿರ್ ಆಸ್ತಲೊ
ಜೊರ್ನ್ಸಿ ಬುತೆಲ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ಮಾತ್ ಗರಮ್ ಆಸ್ತಲೊ



36. ತುಮ್ಚೊ ಗಾಂವ್

ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಪಾವ್ಲೆ ತಶೆ ಭೊಂವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣುನ್ ಜಾಲೆಂ
ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಭೊಂವ್ಲೆ ಆತಾಂ ರಾವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣುನ್ ಜಾಲೆಂ

ತುಮ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಚಾಂಪ್ಯಾ ವಾಸ್ ತಾಂತ್ಲಿ ಸಾಂಜ್ ವ್ಹರೂಂ
ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಘೆವುಂ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಚೊರೂಂ !

ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಚಲಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಝಿಲ್ಪಾಂ ಕಾಳಿಜ್ ವೊಲೆಂ ಜಾಲೆಂ
ದೋನ್ಂಚ್ ಹಾತ್ ವೆಂಗುಂ ಕಶೆಂ ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಹಾತಾನ್ ಧರುಂ !?
ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಘೆವುಂ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಚೊರೂಂ !

ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಬಾಪಾನಿ, ಸಾರ್ಲ್ಲೆಂ ಆಸ್ತಲೆಂ ಘಾಲೆಂ
ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಶೆಂ, ಉಗ್ಡಾಸ್ ಪರ್ನೆ, ಆಯ್ಕನಾಂತ್ ಮತಿಂತ್ ಜಿರುಂಕ್
ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಘೆವುಂ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಚೊರೂಂ !

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾವಾಂತ್ ಸಳ್ಗಿ ಸಸಾರ್ ಆಪ್ಲೇಂಯ್ ಪೆಲೆಂ ಜಾಲೆಂ
ದಿಸ್ತಾ ಮತಿಂತ್ ಹೆಚ್ಚ್ ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಜಿವಿತ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಸಾರುಂ
ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಘೆವುಂ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಮೊಗಾನ್ ಚೊರೂಂ !

37.ದೇವ್ ಪಳೇತ್ ಆಸಾ

ಹುಂಬ್ರ್ಯಾರ್ ಉಬೊ ಜೆಜುರಾಯ್
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಸೊಭೊಂ ಮರಿ ಮಾಂಯ್
ನಾಗ್ವೆಲಿಚಿ ವಾಲ್ ಮ್ಹಜಿ ವಾರ್ಯಾರ್ ಆಸಾ
ದೇವ್ ಪಳೇತ್ ಆಸಾ

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಉಣೆಂಗಾಯ್
ಭಾತ್ ಫುಲುನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಲಾಯ್
ವರ್ಸುಗೆಚ್ಯಾ ಬಾರಾಯ್ ಮಾಸಾ ದಿಸಾನ್ ದಿಸಾ
ದೇವ್ ಪಳೇತ್ ಆಸಾ

ಮೊಯ್ಜೆ ಬಾಪಾ ಇಜ್ರಾಯೆಲಾ
ಫಾರಾವ್ಯಾಕ್ ಪಾಡಾವ್ ಕೆಲಾ
ಮೆಕ್ಳೊ ಕೆಲೊ ಮಾಯ್‌ದೆಸಾ, ಬಾರ್‌ದೆಸಾ
ದೇವ್ ಪಳೇತ್ ಆಸಾ.

38. ಆದಾಂವ್ ಬಾಪಾನ್ ಖೆಲ್ಲೆಂ ಕಿತೆಂ?

ಆದಾಂವ್ ಬಾಪಾನ್ ಖೆಲ್ಲೆಂ ಕಿತೆಂ?
ಕೊಣೆಯ್ ತರಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್ ಜಾತೆಂ
ರಾತ್ಚಿ ಸಾರ್ಕಿ ನೀದ್ ಪಡಾನಾ
ಆಂಬೊ, ತೊರೆಂಜ್ ಯಾ ನೇಂದ್ರ ಬಾಳೆಂ ?
ಲಿಂಬೊ, ಖಾಜುರ್ ಯಾ ನಾರ್ಲ್ಯಾವೊಳೆಂ ?
ದಿಸಾಕ್ ಮತಿಂತ್ ಜಾಪ್ ಘಡಾನಾ
ಆದಾಂವ್ ಬಾಪಾ, ಆದಾಂವ್ ಬಾಪಾ,
ಖೆಲ್ಲೆಂಯ್ ಕಿತೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಗಾ ಬಾಪಾ ?
ಮನ್ಶ್ಯಾಕುಳಾ ಲಾಗಿಂ ಬಾಪಾ, ನಾಕಾ ತುಕಾ ಆಪಾಲಿಪಾ
ಆಮಿ ಚಿಂತುನ್ ಚಿಂತುನ್ ಚಿಂತುನ್ ಚಿಂತುನ್ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಎಕಾರುಪಾ.

ಪಾದ್ರಿ ಮ್ಹಣ್ಟಾತ್ ಆಪುಲ್ ಮೊಟೆಂ
ಜಾಣ್ಟೆ ಮ್ಹಣ್ಟಾತ್ ಫಳ್ ತೆಂ ಖೊಟೆಂ
ಮಿಶಿಯಾಂತುಲ್ಯಾನ್ ಹಾಸ್ತಾತ್ ಸಾಂಗ್ತಾನಾ
ಪೊಟಾಂತ್ ನಾಂಗಾ, ಕರ್ನ್ಗಲಾಂ ತೆಂ
ಗಳ್ಯಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಶಿರ್ಕ್ಯಾಲಾಂ ತೆಂ
ಗುಟಿಯೆಭಾಷೆನ್ ದಿಸ್ತಾ ಚೊಯ್ತಾನಾ

ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಖೆಲ್ಲೆಂ ತಾಣೆ
ಖಾತಾಸ್ತಾನಾ ತಾಣೆ ದೆಕ್ಲಾಂ ಕೊಣೆ ?
ತಕ್ಲಿ ಮ್ಹಜಿ ಚಿಂತುಂಕ್ ಪಾವನಾ
ಫಳಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಉಮ್ಕೊಳ್ ಘೆತಾಂವ್
ರುಸ್ತುರುಸಾಂವ್‌ಗಾ ಆಮಿ ದಿತಾಂವ್
ಆಜೂನ್ ದಾಡಿ ಫೊಡ್ಚಿ ರಾವನಾ

39. ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳನಾ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಏಕ್ ಜೋಡ್ ಸುಕ್ಣ್ಯಾಂ
ತಾಂಬ್ಡೆ ಬೊಂಚೀಚ್ಯಾ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಭರ್ಣ್ಯಾಂ
ಮೊಗಾಚಿ ದಿವ್ಟಿ ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ದಾಕಯ್
ಮೊಗಾಚಿಂ ಕೆಳಿಂ ಮತೀಂತ್ ಪಿಕಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಶಿಕಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳನಾ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಸಾಮ್ಕಾರ್ ಜಶೆಂ ತಶೆಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂ.
ಝಾಡಾಂ ಪೆಡಾಂಕ್ ತುವೆಂ ಮೊಗಾ ಪಿಶೆಂ ಲಾಯ್ಲ್ಯಾಂ
ಮನಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡ್ ಜಾಗಯ್
ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ತ್ಯಾ ಮೊಗಾ ಪಿಶೆಂ ಲಾಗಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಶಿಕಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳನಾ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಸಾಮ್ಕಾರ್ ರುಕಾಚೆರ್ ಬಸ್ಟೆಂ
ರುಕಾಚೆರ್ ಬಸುನ್ ತೋಂಡ್ ತೋಂಡ್ ಘಾಸ್ಟೆಂ
ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ಬೊಂಚೀಂನಿ ಕೇಸ್ ಮ್ಹಜೆ ಉಗಯ್
ಕೆಸಾಂ ಸಾಂದೀಂನಿ ಮೊಗಾ ಪಿಶೆಂ ರಿಗಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಶಿಕಯ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳನಾ.

40. ಇಜಾಬೆಲ್

ಇಜಾಬೆಲಾಚ್ಯಾ ಘೊವಾಗೆರ್ ಪಾವ್ತಾತ್ ದುಧಾ ಝುರಿಗೊ
ಪಿವುನ್ ಪಿವುನ್ ಇಜಾಬೆಲಾಚ್ಯೊ ಫುಗೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಪೆರಿಗೊ
ಓಯ್, ಓಯ್, ಓಯ್
ಇಜಾಬೆಲಾಚ್ಯಾ ಘೊವಾಗೆರ್ ತೊವ್ಶಿಣೆಚೆಂ ದಾಲೆಂಗೊ
ಖಾವುನ್ ಖಾವುನ್ ಇಜಾಬೆಲಾಚೆಂ ಪೋಟ್ ಉಬಾರ್ ಜಾಲೆಂಗೊ
ಓಯ್......
ಇಜಾಬೆಲಾಚೊ ಭರ್ತಾರ್‌ಗಾ ಉತ್ರಾಂಕ್ ಜೊಡಿ ಮೆಳಯ್‌ಮೂ
ಪೋಟ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಗಾಲ್ ಮೊಳುನ್ ಆಪ್ಲಿ ಮಿಶಿ ಪೊಳಯ್‌ಮೂ
ಓಯ್......
ಆಗಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭರ್ತಾರಾ ನಾಕಾ ತುಜೆಂ ದರ್ಬಾರ್‌ಮೂ
ತುಜೆಂ ನ್ಹಯ್ಗ ದಾತಾರಾ ದುಧಾತೊವ್ಯಾ ಕಾರ್ಬಾರ್‌ಮೂ
ಓಯ್.....
ಉತ್ರಾ ಉಲ್ಯಾಕ್ ಆಯ್ಕಾನಾ ಇಜಾಬೆಲ್ ಬಾವೋಲೆಂ
ಪಣ್ಣೆಂತುಲ್ಯಾ ಸಾಯ್ಬಾಚ್ಯಾ ಪಾಯಾಲಾಗಿಂ ಪಾವೋಲೆಂ
ಓಯ್........
ಸಾಯ್ಬಾ ಭೋಗಸ್ ಸಾವೆರಾ ಮರ್ಯಾದ್ ಮ್ಹಜಿ ಉರಯ್
ದೆವಾಗೆಲೆಂ ಆಜಾಪ್ ಕರುನ್ ಪೊಟ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಜಿರಯ್.

41 ಮೊಗಾಚ್ಯೊ ವೊಡಿ

ಮೋಗ್ ಕೆಲೊ ಏಕ್‌ಚ್ ಘುಡಿ
ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ ಮಾಂಯ್
ಸಂದಾ ಸಂದಾ ಭರ್ಲ್ಯಾತ್ ಘಾಡಿ
ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ ಮಾಂಯ್ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ
ಪೊಪಾಯ್ ಖಾಂವ್ಚಿ ಆಶಾ ಜಾಲ್ಲಿ
ಪಿಶೆಂ ಲಾಗ್ಲೆಂ ಮತೀಂತು
ಭಾಗ್ಯೆಂ ಆದಿಂ ಆಶಾ ಖಾಲಿ
ವಿರಾರ್ ಜಾಲೆಂ ಕಾತೀಂತು
ಚಾಬ್ಚೆ ಆದಿಂ ಝುಡ್ಲಿ ದಾಡಿ.
ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ ಮಾಂಯ್, ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ
ಹಿರಾಕಾಡಿ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾ
ತಶಿ ತೆಲಾಮೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್
ಫುಸುರ್ಕ್ಯಾ ಕರುನ್ ನಿಸರ್ಲೆಂ ತೆಂ
ಹಾತಾಂಪಾಯಾಂ ಚಿಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್
ಮೊಗಾಚ್ಯೊ ತ್ಯೊ ನಾನಾ ವೊಡಿ
ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ ಮಾಂಯ್,ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ
ನುಸ್ತೆಂ ಜಿವೆಂ, ಉಡ್ತೆಂ, ಭಡ್ಕೆಂ
ಜಾತಾ ಸಾರೆಂ ಮಿಟಾಚೆಂ
ಭರ್ಲೆಲೇಂಯ್ ಜಾತಾ ಬೊಡ್ಕೆಂ
ಕಿತೇಂಚ್ ಉರ್‍ನಾ ಗುಟಾಚೆಂ
ಸುಖೊನ್ ಜಾಲಾಂ ಚಾಬ್ಯಾಬೊಡಿ
ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ ಮಾಂಯ್, ಜಿವಾಕ್ ವೊಡಿ

42 ಶೆಂಡೊ

ಚಲೊ: ಹಾಂವ್ ಪಾಟ್ಲೆ ಸಿಟಿರ್ ಬಸ್ಲಾಂ
ತುಂ ಬಸ್ಲ್ಯಾ ಮುಖ್ಲೆ ಬಸ್ಕೆರ್
ಹಾಂವ್ ಭಾಯ್ಸ್ರ್ ಭಿತರ್ ಲಾಸ್ಲಾಂ
ಅತ್ಮೊ ಪಡ್ಲಾ ರಿಸ್ಕೆರ್
ತುಜೊ ದುದಿಯಾ ತೆದೊ ಶೆಂಡೊ
ವಾಂದ್ರಾ ಭಾಷೆನ್ ವಾಗ್ತಾ
ತಟಾ ಘಟಾ ತಟಾ ಘಟಾ
ನಾಕಾಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲಾಗ್ತಾ.

ಚಲೊ: ಆಗೊ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ಆಗೊ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ಆಗೊ ಹೊ ಶೆಂಡೊ ಯಾ ಕಾಸುಳೆಚೊ ಕಾಂದೊ?
ಚಲಿ: ವ್ಹಯ್ರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ವ್ಹಯ್ರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ಮ್ಹಜ್ಯಾಜ್ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಆಸಾ ವೊಗೊ ತುಕಾ ಕಸ್ಲೊ ವಾಂದೊ?

ಚಲಿ : ಮ್ಹಜೆಂ ಸಿಂತಿದ್ ಚಿಂತುನ್ ಕಡ್ಲಾಂ
ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಫುಟೊನ್ ರಡ್ಲಾಂ
ಫೆಶನಾನಿ ಉಕ್ಲುನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಅರ್ಧೆ ವಾಟೆರ್ ಸೊಡ್ಲಾಂ
ಅರ್ಧೆಂ ರಗತ್ ಹರ್ದ್ಯಾ ವಯ್ಲೆಂ
ಬುರ್ಗ್ಯಾಬಾಳಾನ್ ವೊಡ್ಲಾಂ
ದೆಕುನ್ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಸಂಸಾರಾಚೆಂ
ಪುರಾಯ್ ರೆಕೊರ್ಡ್ ಮೊಡ್ಲಾಂ

ಚಲಿ: ಅರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ಅರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ವ್ಹಯ್ರ್ ಹೊ ಶೆಂಡೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲಕ್ಷಣಾಂಚೊ ಗೊಂಡೊ
ಚಲೊ: ವ್ಹಯ್ಗ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ವ್ಹಯ್ಗ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ತಾಕಾ ಚಿಂತುನ್ ಶಿಂದುನ್ ವೆತಾ ಅಕ್ಕಲಾಚೊ ಕಾಂಡೊ

ಚಲೊ: ಮ್ಹಜೆ ಮತಿಂತ್ ದುಬಾವ್ ಚರ‍್ಲಾ
ಹೊ ಖೆಳ್ಗೆ ಕಸ್ಲೊ ಧರ‍್ಲಾ?
ಕೇಸ್ ವಾಡವ್ನ್ ಮಾತ್ಯಾ ಮುಳಾಂತ್
ಸಾರೆಂ ಗೊಬೊರ್ ಪುರ‍್ಲಾ
ಯಾ ದಿವ್ಗೊಡ್ ಬಿತರ್ ಉರ‍್ಲಾ
ಯಾ ಕಂಟ್ರಿ ಸೊರೊ ಭರ‍್ಲಾ
ಯಾ ಪಾಯ್ನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಜೆಜುಬರಿ
ಸಂಸಾರ್ ಶೆಂಡ್ಯಾಂತ್ ಧರ‍್ಲಾ?

ಚಲೊ: ಆಗೊ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ಆಗೊ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ಮಾತ್ಯಾರ್ ಬಾಂದುನ್ ಕೆಸಾಂ ಮುಡೊ ಜಡಾಯ್ ಕಶಿ ಸೊಸ್ತಾ?
ಚಲಿ: ಆರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ, ಆರೆ ಹೊ ಶೆಂಡೊ
ಮ್ಹಜ್ಯಾಚ್ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಆಸಾ ವೊಗೊ ತುಕಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಲಾಸ್ತಾ?

ಚಲೊ: ತುಜೊ ದುದಿಯಾ ತೆದೊ ಶೆಂಡೊ......
ವಾಂದ್ರ್ಯಾ ಭಾಷೆನ್ ವಾಗ್ತಾ
ತಟಾ ಘಟಾ ತಟಾ ಘಟಾ
ಚಲಿ: ಶಟ್ ಅಪ್ ....!!



43 ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ

ಕೊಂಬ್ಲ್ಯಾ ಬಾಬಾನೊ ಸಾದ್‌ರೆ ಗಾಲಾ
ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ
ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ
ಬಾಬು ಜಾಲಾ

ಘರಾಂತ್ ತೆಗಿ ಚಲಿಯೊ ಆಮಿ
ಮಾಮ್ಮಿ ಸದಾಂಚ್ ಶಿಣ್ತಾಲಿ
ಮಾಗ್ಚಿಂ ಘರಾಂತ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್
"ವ್ಹರಾತ್ ಹಾಂಕಾಂ" ಮ್ಹಣ್ತಾಲಿ.
ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ......
ಬಾಬು ಜಾಲಾ

ರಾತ್ಕೊ ಪಾಪ್ಪಾ ಯೆತಾಘರಾ
ಆಮ್ಕಾಂ ದೆಕೂನ್ ಶಿಣ್ತಾಲೊ
ಪೊಟಾರ್ ಖೊರ್ರುನ್ ಖರಾ ಖರಾ
"ಪೆಲ್ಯಾನ್ ಸರಾ"ಮ್ಹಣ್ತಾಲೊ.
ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ......
ಬಾಬು ಜಾಲಾ

ಘರಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ವಾಸ್ರಾಂ ತೆಗಾಂ
ತಾಂಚೆರ್ ಕೋಣೀ ಶಿಣಾನಾ
ಆಮೀಂಯ್ ಚೆಡ್ವಾ ತೀಂಯ್ ಚೆಡ್ವಾಂ
ಪೆಲ್ಯಾನ್ ಸರಾ ಮ್ಹಣಾನಾ.
ಆಮ್ಗೆರ್ ಏಕ್ ಬಾಬು ಜಾಲಾ......
ಬಾಬು ಜಾಲಾ

44. ಟಿಕ್ ಟಿಕ್ ಪಾನ್

ಟಿಕ್ ಟಿಕ್ ಪಾನ್
ಕಣ್ಕೈಚೆಂ ರಾನ್
ಸಮ್ದ್ಜಾನಾ ತರ್ ಮನಾ ಧರ್ ಮ್ದುಜೊ ಕಾನ್
ಉಮಿಣ್ಯಾಂಚಿ ರಾಸ್
ತುಜೆಂ ಮ್ದುಜೆಂ ಮಾಸ್
ನಾಗ್ಡೆಂ ಉಗ್ಡೆಂ ಹಿಂದುಸ್ತಾನ್.
        ತಕ್ಲೆರ್ ಏಕ್ ವೊೀಟ್ ಆಸಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ದೆಸಾಂತ್
        ಮೊಲ್ ತಾಚೆಂ ರಿಗಯ್ತಾತ್ ರಗ್ತಾ ಮಾಸಾಂತ್
ವೊೀಟ್ ಜಸೊ ಪೇಟೆಂತ್ ಗಾಲೊ
ದಿವೊಡ್‌ತಸೊ ಬಿಳಾಂತ್ ಗೆಲೊ
ಕೊಣೆ ತರಿ ಗಿಳುನ್ ಸೊಡ್ಲೊ ಎಕಾ ಘಾಸಾಂತ್
        ವೊೀಟ್ ಮ್ದುಜೊ ಲ್ಹಾನ್ ತರಿ ಘೆತಲ್ಯಾಕ್ ಮ್ದಾನ್
        ಪೊೀಟ್ ಮ್ದುಜೆಂ ಮಾಟ್ಯಾಕ್ ವೆತಾ, ತಾಚೆಂ ಜಾತಾ ಭಾಣ್
ಟಿಕ್ ಟಿಕ್ ಟಿಕ್..........
ವೊೀಟ್ ಜಾಲೊ ಕಾಲ್‌ಪೋರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್
ನ್ದವೊ ಸರ್ಕಾರ್ ಆಯ್ಲಾ ಎಲಿಸಾಂವಾಂತ್
ತರಿ ಬಾಬಾ ಜಾಯ್ತ್ ಕಿತೆಂ?
ಚಿಂತ್ತಾನಾ ಮಾತೆಂ ರಿತೆಂ?
ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಪೊೀಟ್ ಮ್ದುಜೊ ಗೆಲೊ ಫೊಂಡಾತ್!
        ವೊೀಟ್ ಮಜೊ ಲಾನ್ ತರಿ ಘೆತಲ್ಯಾಕ್ ಮಾನ್
        ದಿಸಾಂ ದೀಸ್ ಗಾಂವ್ ಜಾತಾ ಭುಕೆಚೆಂ ಸಾಣ್
ಟಿಕ್ ಟಿಕ್ ಟಿಕ್.........

45. ಸಾತ್ ಸಾತ್ ಚೊವ್ದಾ ಸನ್ನಾ

ಲಗ್ನಾರ್ ಕೊಣೇ ಯೆಂವ್ಚೊನಾ
ಜೆವ್ಣಾರ್ ಕೊಣೇ ಬಸ್ಚೊ ನಾ
        ಸಾತ್‌ಸಾತ್ ಚೊವ್ದಾ ಸನ್ನಾ ನಾಕಾತ್ ಜಾಕೀನಾ

ಹಾಡ್ ಜಾಕೀನಾ ಬುಡ್‌ಕುಲೊ ಲಕಯ್ ತಳ್ಯಾಂತ್
ತುಜೆಂ ಮಜೆಂ ಉತರ್ ಜಾಲಾಂ ಕಾಜ್ಚ್ಯಾ ಮಳ್ಯಾಂತ್
ಉದ್ಕಾ ಧಾರ್ ಪುರೋಗೊ ರೋಸ್ ಕೊಣೇ ಲಾಂವ್ಚೊನಾ
        ಸಾತ್ ಸಾತ್ ಚೊವ್ದಾ ಸನ್ನಾ ನಾಕಾತ್ ಜಾಕೀನಾ

ಆಮ್ಚಂ ಲಗೀನ್ ಜಾತಲೆಂಗೊ ಪಾವ್ ಪೆಳ್ಯಾಂತ್
ಪಾರ್ವ್ಯಾಂ ಕರ್ನ್ಯಾ ರೋಸ್ ಲಾವ್ಯಾಂ ಆರ್ಧ್ಯಾ ವಳ್ಯಾಂತ್
ಪಾದ್ರಿ ಚೀಟ್ ವಾಚ್ಚೊನಾ, ಮಾಟವ್ ಕೊಣೇ ಬಾಂದ್ಚೊನಾ
        ಸಾತ್ ಸಾತ್ ಚೊವ್ದಾ ಸನ್ನಾಂ ನಾಕಾತ್ ಜಾಕೀನಾ

ರಾಕ್ತಾಂ ಆಜೂನ್ ಬುಡ್‌ಕುಲೊ ತಳ್ಯಾರ್ ಪಾವ್ಲೊನಾ
ಸುಂರ್ಗ್ಯಾ ಫುಲಾಂ ವಿಣ್ಲೊ ಝುಲೊ ಆಜೂನ್ ಬಾವ್ಲೊನಾ
ಆಯ್ಕಾತಾಗೊ ಜಾಕೀನಾ ಕೊಗ್ಳಿ ಮಳ್ಯಾಂತ್ ಗಾಯ್ತಾನಾ
        ಸಾತ್ ಸಾತ್ ಚೊವ್ದಾ ಸನ್ನಾ ನಾಕಾತ್ ಜಾಕೀನಾ

46. ಪುನ್ವೆಚಿ ರಾತ್

ಕೊಣಾಲಿಗೊ ತುಂ ಫೋರ್, ಕೊಣಾಲಿಗೊ ನಾತ್
ಅರ್ಧಿ ಜಾಲಿ ರಾತ್, ಹಾತಾಂತು ನಾ ವಾತ್
ಚಾಂದ್ನೆಂ ಆಸತ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಯ್ಲಿಂ

ಆಮಿ ದೊಗಾಂಯ್ ಸಾಡೆಸಾತ್
ಆಜ್ ಪುನ್ವೆಚಿ ಹಿ ರಾತ್
ತರೀ ಚಂದ್ರಾನ್ ಕೆಲೊ ಘಾತ್

ಏಕ್ ಪೊಸೊ ಭಾತ್‌ಗೊ ಏಕ್ ಪೊಸೊ ಲಾಯ್
ಫುಲ್ಲ್ಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಆಜ್ ಮೊಗ್ರಿ ಜೂಯ್ ಜಾಯ್
ನಾಚ್ತಾಂ ನಾಚ್ತಾಂ ಲಾಯ್‌ಗೊ ಆಕಾಸಾಚೆರ್ ಪಾಯ್
ನಾಚ್ತಾಂ ಕಾಬಾರ್ ಮಾತೆಂಗೊ, ಪೆಂಕ್ಡಾರ್ ಆಯ್ಲಿ ಲಾತ್

ಆಜ್ ಪುನ್ವೆಚಿ.... ಹಿ....ರಾತ್........

ಕಾಳ್ಜಾರ್ ತೊಪ್ತಾ ಭಾಲೊಗೊ ಪೊಟಾರ್ ಪಡ್ತಾ ಲಾಸ್
ಕೆಸಾನ್ ತುಜ್ಯಾ ಚಂದ್ರೆಮಾಚ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾರ್ ಘಾಲಿನ್ ಪಾಸ್
ಗಾಲ್ ಭರುನ್ ಹಾಸ್‌ಗೊ ಉಜ್ವಾಡ್ ಪಡೊಂ ರಾಸ್

ಆಜ್ ಪುನ್ವೆಚಿ.... ಹಿ....ರಾತ್........



47. ಆಮಿ ತುಜಿಂ ಬುಲ್ ಬುಲಾಂ

ಸಗ್ಳ್ಯಾಂ ಜಗಾ ಪ್ರಾಸ್ ಆಮ್ಕೊ
ಭೇಸ್ ಬರೊ ದೇಸ್
ತಾಂತ್ಲ್ಯಾಂ ತಾಂತುಂ ಕೊಂಕಣ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾಂ
ಪೊಟಾ ಕುಶಿ ಲಾಸ್
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್
ಆಮ್ಚೆ ಮಾಯಿ ಪಾಸ್
ಚಾಳೀಸ್ ಲಕ್ಷ ಕೊಂಕ್ಣೆ ಆಮಿ
ಮಾತ್ಯಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾಂ ತ್ರಾಸ್
ವಾಹ್ ವಾಹ್‌ರೆ ಕೊಂಕಣಾ ಸುಟ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತುಜಿಂ ಅಂಕಣಾ
ಆಮಿ ತುಜಿಂ ಬುಲ್‌ಬುಲಾಂ, ಆಮಿ ತುಜಿಂ ಸಾಳ್‌ಯೆರಾಂ
ಖಿಂಯ್ಚ್ಯಾಂ ರುಕಾರ್ ಗಾಂವ್ಚೆಂ ಆಮಿ ಖಿಂಯ್ಚ್ಯಾಂ ಗುಡ್ಯಾರ್
ಚರ್ವೆಂ ಆಮಿ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕೊಣ್ ಜಾಣಾ!
ಗೋಂಯ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾಂ ಕುಳಾರಾಚೆರ್
ರಾಸ್ ವೊಂಪ್ಲೆಲಾಸ್
ಮಾರ್‍ರ್‍ಾತ್ ದೊನ್ ಜಾತ್ ಲಿಪಿ
ಎಕಾಲೆಕಾಕ್ ಫಾಸ್
ಆಮಿ ಕನ್ನಡ್ ಭಾಷೆಂತ್ ನಾಸ್
ತೆಣೆ ಕೇರಳಾಂತೆ ಭಾಸ್
ಚಾಳೀಸ್ ಲಕ್ಷ ಕೊಂಕ್ಣೆ ಆಮಿ
ಆಯ್ಕೊನ್ ಬೊಡ್ನಾಕ್ ತ್ರಾಸ್
ವಾಹ್ ವಾಹ್‌ರೆ ಕೊಂಕಣಾ ತುಂ ತೋಡ್ ಹಿಂ ಬಂಧನಾ
ಆಮೀ ತುಜಿಂ ಬುಲ್ ಬುಲಾಂ.............

48 ದಾಳ್

ಫುಲ್ ಜಾಲೆಂ ದೇವ್ ಹಾಸ್ತಾನಾ
ಫಳ್ ಜಾಲೆಂ ದೇವ್ ಗಾಯ್ತಾನಾ
ಆನಿ ಫಳಾಚಿ ತಿ ದಾಳ್ ಜಾಲಿ
ದೇವ್ ನಾಚ್ತಾಂ ನಾಚ್ತಾನಾ

ಮುಗಾದಾಳ್ ಮಾನಾಚಿ, ಮೋಗ್ ವಾಗಯ್ತಾ
ತೊರಿದಾಳ್ ಲ್ಹಾನಾಂಚಿ, ಭುಕ್ ಥಾಂಬಯ್ತಾ
ಮಾಸ್ಳಿ ಗಾಂವ್ ಘಾಣಯ್ತಾ, ಮಾಸ್ ನಾಂವ್ ಮ್ಹೆಳಯ್ತಾ
ದಾಳ್ ಮಾತ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಗಾಂವಾರ್ ಎಕ್ವಟ್ ಘುಡಯ್ತಾ

ಪಂಜಾಬಾಚಿ ತೆಲ್ತಿ ದಾಳ್, ಕಾಳಿಜ್ ಧಲಯ್ತಾ
ಉತ್ತರಾಚಿ ಚಾಲ್ತಿ ದಾಳ್, ತೋಂಡ್ ಫುಲಯ್ತಾ
ಮರಾಠ್ಯಾಂಚಿ ಮಸೂರ್ ದಾಳ್ ದೂಕ್ ಭಿಜಯ್ತಾ
ಆಪ್ರೂಪ್‌ಶೇಂ, ಪೊಟಾಂತ್ ಮಾತ್ ಘಾಂಟಿ ವ್ಹಾಜಯ್ತಾ

ಕೇರಳಾಚಿ ಉಡ್ದಾ ದಾಳ್, ಗಾಲ್ ಫುಗಯ್ತಾ
ತಮಿಳಾಂಚಿ ಪಾತಳ್ ದಾಳ್, ತಾನ್ ಭಾಗಯ್ತಾ
ಗಿರೆಸ್ತಾಂಚೆಂ ಜಿರಯ್ತಾ ದುರ್ಬಳ್ಯಾಂಕ್ ಉರಯ್ತಾ
ಕಾಶ್ಮೀರಾ ಥಾವ್ನ್ ತೆನ್ಕಾ ಪರ್ಯಾಂತ್, ಎಕ್ವಟ್ ಘುಡಯ್ತಾ



49. ಸವ್ಲೊ ಉಪದೆಸ್

ಸಾತ್ ವರ್ಸಾಂಚೆಂ ಬಾಳ್ ಮುಗೆಲೆಂ
ಕುಮ್ಹಾರಾ ದೊತೊರ್ಸ್ ಉಚಾರ್ತಾ
ಸವ್ಲೊ ಉಪದೆಸ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾನಾ ಸಮ್ಜನಾಸ್ತಾನಾ
ಮಾಮ್ಮಿಲಾಗೀನ್ ವಿಚಾರ್ತಾ
ಮಾಮ್ಮಿ ತಾಚಿ ಆಂಯ್ಯೊ ಘೊಟುನ್
ಬಾಂದ್ಪಾಸಾಂತ್ಲೆಂ ನಿಸರ್ತಾ
ಪಾಪ್ಪಾರ್ ವಿಚಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾನಾ ಚಲಿ
ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಯೇವ್ನ್ ಸುಸ್ಕಾರ್ತಾ:
ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ
ಕೊಣೇಸಾಂಗಿನಾ ಸಾಂಗ್ ರಪಾ ರಪಾ
ಪ್ರದುವಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ಕಿತೆಂ
ಸಮ್ಜನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಉತರ್ ಮೊಟೆಂ
ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ
ಸಾಂಗುಂಕ್ ಕಳ್ನಾಸ್ತಾಂ ಜಾತಾಂ ಬೆಪ್ಪಾ......
ಜಾತಾಬೆಪ್ಪಾ........
ದೋನ್ ದಿಸಾಂ ಆದಿಂ ದೊತೊರ್ಸ್ ಶಿಕ್ತಾನಾ
ತಕ್ಲೆಂ ತಾಣೆ ತಾಪಯ್ಲೆಂ
ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪರ್ತಿಂ ಸವಾಲಾಂ ವಿಚಾರ್ನ್
ಮಾದ್ರಿಚೆಂ ತೋಂಡ್ ಧಾಂಪಯ್ಲೆಂ
ಪ್ರದುವಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ಕಿತೆಂ ?
ಸಾಂಗ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಲಾಲೆತಾ
ಸಾಂಗೊವ್ನ್ ಮ್ಹಣುನ್ ಮ್ಹಜೆಲಾಗಿಂ ಯೇವ್ನ್
ಹುಸ್ಕಾರ್ನ್ ಹುಸ್ಕಾರ್ನ್ ಗಾಗೆತಾ:
ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ......

ವ್ಹಡ್ ಪಿರಾಯೆನ್, ಥೊರ್ ಜಾಣ್ವಾಯೆನ್
ಸಗ್ಳೆ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಧರುಂಯಾಂ
ಬೆಪ್ಪಾ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಚಾಪ್ಪೆ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್
ದೆವಾಕ್ ವಿರಾರ್ ಕರುಂಯಾ
ವ್ಹಯ್ಗಾಯೀ ಸಾಯ್ಬಾ ಲ್ಹಾನಾ ಸಾನಾಂಚೆರ್
ಬಿರ್ಮತ್ ಆಮಿ ಪಾವುಂಯಾ
ಪ್ರದುವಾರಾಚೊ ಉಪದೆಸ್ ತಾಂಕಾಂ
ಪುಣಿ ಕೆನ್ಸಲ್ ಕರುಂಯಾ
ಸಾಂಗ್ ಪಾಪ್ಪಾ........

50. ಮಿಟಾಚಿ ಕಣ್

ಪೆಜೆವಾಟ್ಲೆ ಹಾತಿಂ ಘೆವ್ನ್
ದರ್ಯಾ ವೆಳೆರ್ ರಾವ್ಲಾಂಗಾ
ಕೊಣೇ ವಿಚಾರ್ನ್ಯಾರಾತ್ ಚೋವ್ನ್
ತೋಂಡ್ ಕಶೆಂ ಬಾವ್ಲಾಂಗಾ?
ಏರ್ ಆಸ್ಲಿ ಮಿಟಾಕಣ್
ರಾಗಾನ್ ಮ್ಹಜೆರ್ ಉಟ್ಲ್ಯಾಗಾ
ಮ್ಹಜೊ ಸಾಂಗಾತ್ ನಾಕಾ ಮ್ಹಣುನ್
ಸರಾಂ ಸರಾಂ ಸುಟ್ಲ್ಯಾಗಾ,
ಏರ್ ಆಸ್ಲಿ ಮಿಟಾ ಕಣ್ ಲ್ಹಾನ್ ಸಾನ್ ಮಿಟಾಕಣ್
ಘುರ್ಬೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆಯಾಪಣ್,ಸಾನ್ ಪಣಾಂತ್ ವ್ಹಡ್‌ಪಣ್

ಎಕಾದಿಸಾ ಪಿಶೆಪಣಾನ್
ಅರ್ಡ್ಯಾ ಪಾಯಾರ್ ರಾವ್ತಾತಿ
ಚಿವ್ಯ್ಕಾ ಯೆದೊ ಮ್ಹಣ್ಟಾ ಮ್ಹಾಕಾ
ಗಾಳಿ ಶಿರಾಪ್ ಸೊಂವ್ತಾತಿ.
ದರ್ಯಾ ಯೆದಿಂಜಾತಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್
ಪಿಶೆ ಆಶೆನ್ ಬುಡ್ಯಾತಿ
ಬಾಳ್‌ಪಣಾ ಮಿತ್ರಾರ್ ಸಾಂಡುನ್
ದರ್ಯಾಂತ್ ವಚುನ್ ಉಡ್ಯಾತಿ!
ಜಾಯ್ ಮ್ಹಜಿ ಮಿಟಾಕಣ್ ಲ್ಹಾನ್ ಸಾನ್ ಮಿಟಾಕಣ್
ಘುರ್ಬೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್, ಸಾನ್ ಪಣಾಂತ್ ವ್ಹಡ್‌ಪಣ್

ದೀಗಾ ದರ್ಯಾ ಮಿಟಾಕಣ್
ತುಜ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಖಿರ್ಲ್ಯಾಗಾ
ವಾಟ್ಲೆಂತುಲಿ ಪೆಜ್ ಮ್ಹಜಿ
ಮಿಟಾವಿಣೆ ಉರ್ಲ್ಯಾಗಾ
ಮಾಸಾ ಮುದೆ ಮಾಸ್ಳೆ ಲೊದೆ
ಜೆವ್ಣಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಾಕಾಗಾ
ಲ್ಹಾನ್ ಮ್ಹಜಿ ಮಿಟಾಕಣ್
ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಪುರೊ ಮ್ಹಾಕಾಗಾ
ದೀಗಾ ಮ್ಹಜಿ ಮಿಟಾಕಣ್ ಲಾನ್‌ಸಾನ್ ಮಿಟಾಕಣ್
ಘರ್ಚೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್, ಸಾನ್ ಪಣಾಂತ್ ವ್ಹಡ್ ಪಣ್.

51. ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್

ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್ ಹಿ ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್
ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತೀಂತ್ ರಾಜುಲ್ಯಾಂಚಿ ವಾತ್
ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್ ಹಿ ಜಿಗಿಬಿಗಿ ರಾತ್
ರಾಜುಲ್ಯಾಂಚೆ ವಾತೀಂತ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸತ್?

ರಾಜುಲ್ಯಾಂಚೆ ಝುಳ್ಕೆಂತ್ ತಕ್ಲಿಶಿ ದಿಸತ್
ತಕ್ಲೆಚೆ ತೆಂಗ್ಯೆರ್ ಕೇಸ್‌ಶೆ ಆಸತ್
ಆಸ್ತಿತ್ ಮುದಿಯಾಳೆ, ಕೊಂಗ್ರ್ಯಾಳೆ, ಜಿರ್ಸ್ಯಾಳೆ
ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್, ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್
ಮ್ಹಜೇಚ್ ಮತಿನ್ ಮ್ಹಾರಾ ಕರ್‍ಯೊ ಹೊ ಘಾತ್

ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್ ....

ವಾತೀಚೆ ಝುಳ್ಕೆಂತ್ ಆಂಗ್ಲೆಂಶೆಂ ದಿಸತ್
ಆಂಗ್ಲ್ಯಾಚೆ ಮೋಡಿಂತ್ ಕೂಡ್‌ರೆ ದಿಸತ್
ಆಸ್ತೆಲಿಂ ಬೊಂಬ್ಲ್ಯಾಳಿ, ಸುಳ್ಸ್ಯಾಳಿ, ಹುಳ್ವ್ಯಾಳಿ
ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್, ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್
ಮ್ಹಜೇಚ್ ಮತಿನ್ ಮ್ಹಾರಾ ಕರ್‍ಯೊ ಹೊ ಘಾತ್

ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್......

ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ಝುಳ್ಕೆಂತ್ ಖಾಡ್ಕಿಶಿ ದಿಸತ್
ಖಾಡ್ಕೆಚೆ ಉಡ್ಕೆಂತ್ ತೊಂಡ್‌ಶೆಂ ಆಸತ್
ಆಸ್ತೆಲೆಂ ವಾಡ್ಕುಳೆಂ, ಮಾಣ್ಕುಲೆಂ, ಗುಳ್ಗುಳೆಂ
ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್, ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ನಾ ದಿಸತ್
ಮ್ಹಜೇಚ್ ಮತಿನ್ ಮ್ಹಾರಾ ಕರ್‍ಯೊ ಹೊ ಘಾತ್

ಜಿಗಿ ಬಿಗಿ ರಾತ್ ......

52. ತರ್ನ್ಯಾಟ್ಪಣ್

ಭುರ್ಗ್ಯಪಣ್ ಮರೊಂಕ್ ಸರೊಂಕ್ ಜಾತಾನಾ
ತರ್ನ್ಯಾಟ್ಪಣ್ ಆಂಗಾಪಾಂಗಾರ್ ಯೆತಾನಾ
ಸೊಸುಂಕ್ ನಜೊ ಜಾತಾ ಮಾಂಯ್
ಮತಿಂತ್ ಜಾತಾ ತಶೆಂ ಕಾಂಯ್
ಬೆಣ್ಸುಲಿಬ್ಯಾ ಪಾಡಿಂತ್ ಕೊಣೀ ಧಾಂವ್ತಾನಾ
ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣಾ, ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣಾ
ಥರಾ ಥರಾ ಥರಾ ತುಜಿಂ ಉಡ್ಯಾಣಾಂ
ಶಿರಾನ್ ಶಿರೊ ಜಾತಾತ್ ತಶೊ
ಗೊಡ್ ನಾರ್ಲ್ಲ ತೊಪ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಘಾಲುನ್ ದಾಂಬ್ತಾನಾ.
ವಯ್ಲ್ಲ ವೋಂಟ್ ಕಾಳ್ಕೆತಾನಾ ಸೊಸಾನಾ
ಆಂಗಾ ಪಾಂಗಾ ಸುಜಿನ್ ಗಾಂವ್ ದಿಸನಾ
ಸೊಸುಂಕ್ ನಜೊ ಜಾತಾ ಮಾಂಯ್
ಮತಿಂತ್ ಜಾತಾ ತಶೆಂ ಕಾಂಯ್
ಪಿಟಿಕೊಟಾ ನಾಡೊ ಕೋಣೀ ವೊಡ್ಟಾನಾ
ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣಾ,......... ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣಾ
ರಾತ್‌ರಾತ್ ನಾಚ್ಲೆಂ ತರಿ ವೊಳಾನಾ
ಉಟ್ಟಾ ಉಜೊ ವಯ್ರ್ ತರಿ ಜಳಾನಾ
ಸೊಸುಂಕ್ ನಜೊ ಜಾತಾ ಮಾಂಯ್
ಮತಿಂತ್ ಜಾತಾ ತಶೆಂ ಕಾಂಯ್
ಪಿರ್ಕಿ ಪುಳಿ ಕೊಣೀ ತರಿ ಪಿಳ್ಯಾನಾ
ತರ್ನ್ಯಾಟ್ ಪಣಾ....ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣಾ

53. ಬಿರಿಬಿರಿ ಪಾವ್ಸಾ

ಬಿರಿ ಬಿರಿ ಪಾವ್ಸಾ
ಬಿರಿ ಬಿರಿ ಪಾವ್ಸಾ
ತುಂ ಯೇಯಿ ನಾಕಾರೇ
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪಾಪಿಯಾಚಾ ಲಗ್ನಾ ದಿಸಾ
ಯೇಯಿನಾಕಾರೆ

ದೊಳ್ಯಾನಿ ದೂಕ್ ಫಾತರ್ ಜಾಲಂ
ಸಯ್ರಿಕ್ ಯೆತಾನಾಂಯ್ ಥೆಂಬೊ ಗಳ್ಳೆಂನಾ
ತುಕಾ ಕೊಣೆಂರೆ ಸಾಂಗೊನ್ ದಿಲೆಂ ?
ನೊವ್ರ್ಯಾಚೆಂ ತೊಂಡ್ ಹಾಂವೆಂ ಪಳೆವ್ನಾ
ಭಿರ್ಮತೇನ್ ತುಜಂ ಕಾಳಿಜ್ ಫುಟೊಂರೆ
ಫೊಣ್ಣಾಂತ್ ಸಾಸಾಂವ್ ಫುಟ್ತ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಜಿನ್ಸಾ
ತುಂ ಯೇಯಿನಾಕಾರೆ ....

ಗುನ್ಯಾಂವಾನ್ ಕಾಳಿಜ್ ಶಿಜೊನ್‌ಗೆಲಾಂ
ಥಾಂಪ್ಲೆಲಂ ಪಾತಕ್ ಉಬತ್ ಗೆಲಾಂ
ತುಕಾ ಕೊಣೆರೆ ಸಾಂಗುನ್ ದಿಲಾಂ ?
ಲ್ಹಾನ್ಪಣಿ ಹಾಂವೆಂ ಚೂನ್ ಚೋರ್ನ್ಸ ಖೆಲಾಂ
ಶಿಕ್ಷಾ ನಾಕಾರೆ ಭೊಗ್ಲಿ ಮ್ಹಾಕಾರೆ
ಮಾಗ್ತಾಂ ಮುಗೆಲ್ಯಾ ಪಾತ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಕುರ್ಸಾ
ತುಂ ಯೇಯಿನಾಕಾರೆ..........

ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ಗುಸ್ತಾರ್ ಶೆಳೆಂ ಶಿತ್ ಜೆವ್ಲಿಂ
ಬಾಪಯ್ಚ್ಯಾ ಗುಸ್ತಾರ್ ವೊಳ್ವಳ್ಯಾಂನಿ ಲಾಸ್ಲಿಂ
ತುಕಾ ಕೊಣೆರೆ ಸಾಂಗುನ್ ದಿಲೆಂ ?
ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುಸ್ತಾಕ್ ಗುಪಿತ್ ಆಶೆಲಿಂ
ಬಾಬು ಜಾತಲೊ ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ಖೆಳ್ಟಲೊ
ವೋತ್ ಸುಶೆಗಾನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ವರ್ಸಾ
ತುಂ ಯೇಯಿನಾಕಾರೆ.........

54. ಕಾಳ್ಹ್ಯಾಕ್ ವಚೊಂಕ್

ಕಾಳ್ಹ್ಯಾಕ್ ವಚೊಂಕ್ ಪೊಟಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ವಾಟ್,
ಕಾಂಯ್ ಮೆಳಾನಾ ಆಡ್
ಮೋಗ್ ಮ್ಹಗೆಲೊ ಆಸ್ಲ್ಯಾರೀ ತುಕಾ
ಬಶಿ ಭರುನ್ ವಾಡ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕೆಸಾಂನಿ ಬೊಟಾಂ ಚರಯ್ಯಿ ಪೊಟಾಂತ್ ಜಳ್ಚಸ್ತಾನಾ
ಉಜೊ ನಿವಾನಾ ಮೊಗಾಕ್ ಪಾವನಾ ಉಮ್ಯಾ ವೆಂಗೆಂಚಿ ಧಾಡ್

ಶಿಂವ್ತಿಂ ಆಬೊಲಿಂ ಸದಾಂ ಫುಲ್ತೊಲಿಂ ಉಗ್ಡಾಸ್ ವೆತಾಸ್ತಾನಾ
ಮ್ಹಾಕಾ ದಿನಾಕಾ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಫೊಂಡಾರ್ ಝುಲೆ ಸೊಡವ್ನ್ ಕಾಡ್

ದರ್‍ಯಾವೆಳೆರಿ ಕರ್‍ಲ್ಯಾಂನಿ ಕುರ್‍ಲ್ಯೊ ಪಾಯಾಂ ಲಾಗ್ತಸ್ತಾನಾ
ಕರ್‍ಲ್ಯಾಂ ಸೊಡುನೀ ಥಯ್ಸಿ ಭರುನೀ ಕುರ್‍ಲ್ಯೊ ಘರಾಂತ್ ಹಾಡ್

ಹಳ್ದಿಚೆ ಖೊಲೆ ಪರ್‍ಮಳಾ ಉಲ್ಯಾನ್ ಆಂತಾಂ ಫುಲಯ್ತಾನಾ
ಪುರ್‍ಲ್ಯಾ ಪಾತೊಳಿ ಘರಾಂತ್ ಕರ್‍ತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗೂನ್ ಧಾಡ್.

ಧಾಕ್ಟುಲ್ಯಾ ಆಳ್ವಾನ್ ಮಾಣ್ಕುಲೊ ಮೋಗ್ ಸಂಸ್ಕಾರ್ ಶಿಕಯ್ತಾನಾ
ಪತ್ರಾಡೆ ಜಾಲೆ ಮೆಳ್ಳೆಂ ಸಾಂಗಾತಾ ತಾಯ್ಕುಳ್ಯಾಚೆಂ ಝೂಡ್



55. ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್

ಮನ್ಾ ಮನ್ಾರ್ ಉತರ್ ಆಸ್ತಾ ಭೆಷ್ಟಂ ಭಾಶಿನಾಕಾ
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸ್ ಆಮ್ಚಿ ಭಾಸ್ ಕಶೀಯ್ ಫಾಶಿನಾಕಾ

ಮೆರ್ಸಿಬಾಯೆನ್ ಜೆಂವ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಪೊಸ್ಣಂ ಸೆಂವ್ಚೆಂ ಆಸ್ತಾ
ಮೇರಿ ಬಾಯೆನ್ ಖಾಂವ್ಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಮಾನಾನ್ ಜೆಂವ್ಚೆಂ ಆಸ್ತಾ
ಮೆರ್ಕ್ಯಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕಶೇಂಯ್ ಫಾಸ್ ಲಜ್ ದಾಕ್ಷೆಣ್ ನಾಸ್ತಾ
ಖಾಂವ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣ್, ಗಿಳ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣ್, ಕಶೇಂಯ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಸಜ್ತಾ.

ಮಿರೊಣ್ ಮೆಲ್ಯಾರ್ ಪುರ್ಲ್ಯೊ ತಾಕಾ ಬೆಜಾರಾಯ್ ತೊ ಕರ್ನಾ
ವಿಗಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮಾತಿಯೆಕ್ ಪಾಂವ್ಚೆಂ, ಸರ್ಚೆಂ ತೋಗಾ ಮೊರ್ನಾ
ಗೊವ್ಳಿ ಬಾಪಾಕ್ ಮರಣ್ ಯೇನಾ ಸರ್ಚೆಂಯ್ ತಾಣೆ ನಾಸ್ತಾ
ದೆವಾದೀನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ನಿಕೇಪುಂಚೆಂ ಆಸ್ತಾ

ಪಿಯೊನಾಚ್ಯಾ ಪರ್ನ್ಯಾ ಖಾಂದ್ಯಾರ್ ಮಾಂಡ್ಲೊ ಎದೊ ಆಸ್ತಾ
ದಾಕ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಬಳ್ವಂತ್ ಭುಜಾರ್ ಬುಧ್ವಂತ್ ತಕ್ಲಿ ಆಸ್ತಾ
ಮಂತ್ರಿ ಸಾಯ್ಬಾಕ್ ಮಾಂಡ್ಲೊ ನಾಂಗಾ ತಕ್ಲೀಯ್ ಕೆದಿಂಚ್ ನಾಸ್ತಾ
ಕುಡಿರ್ ಆಸ್ಟ್ಯಾ ಬೊಡ್ಯಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಮಸ್ತಕ್ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಆಸ್ತಾ!



56. ಆಶೆಕ್ ವಾಟ್ ಲಾಯ್ಲಿ

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

ಹಾಂವ್ ಜಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾ ಗಿಟಾರಾಚಿ ತಾರ್
ಮಾರ್ ಮಾರ್ ಮಾರ್ ಬಾಯೆ ಮಾರ್
ವ್ಹಾಜೂನ್ ವ್ಹಾಜೂನ್ ವ್ಹಾಜೂನ್
ಕಾಡ್‌ಗೊ ಮ್ಹಜೊ ನಾರ್.

ಪಯ್ಲಿ ಪಯ್ಲಿ ಪಯ್ಸಾ ಪಯ್ಸುನ್ ಪಾಟ್ ತುಜಿ ಚೊಯ್ಲಿ
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕೊನ್ಯಾ ಕೊನ್ಯಾಂತ್ ಆಶಾ ಕರ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲಿ
ತುಜ್ಯೊ ಘಾಂತಿಯೊ ಜಾತಲೊಂ
ತುಜೆ ಪಾಟಿರ್ ಖೆಳ್ಟಲೊಂ
ಮೊಗಾನ್ ಮಸ್ತೆನ್ ಲೊಳ್ಟಲೊಂ
ಕೇಸ್ ಕಾತ್ರುನ್ ಸೊಡ್ಲೆಯ್ ಗಾಡ್ಯಾ ಆಶೆಕ್ ವಾಟ್ ಲಾಯ್ಲಿ
ಆತಾಂ.....ಜಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾ ಗಿಟಾರಾಚಿ ತಾರ್......

ಲಾಗಿಂ ವೆತಚ್ ದಿಷ್ಟಿರ್ ಆಯ್ಲಿ ತುಜ್ಯಾ ಹರ್ಡ್ಯಾವಯ್ಲಿ
ಮಾಯಾಮೊಗಾನ್ ಫುಲುನ್ ಆಯ್ಲಿ ಪುಗಾಸಣ್ ಭಾಯ್ಲಿ
ತುಜಾ ಚೇಯ್ನಿಂತ್ ವೆತಲೊಂ
ತಾಚೆಂ ಪೆಂಡೆಂಟ್ ಜಾತಲೊಂ
ತುಜ್ಯಾ ಹರ್ಡ್ಯಾರ್ ಖೆಳ್ಟಲೊಂ
ಕರಿಯಮಣಿ ಬಾಂದ್ಲಿಯ್ ಗಾಡ್ಯಾ ಆಶೆಕ್ ವಾಟ್ ಲಾಯ್ಲಿ
ಆತಾಂ.....ಜಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾ ಗಿಟಾರಾಚಿ ತಾರ್......

ನಜರ್ ಮ್ಹಜಿ ಗಾಲಾಂ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಫೊಂಡ್ಕುಲಾಂಚೆರ್ ಪಾವ್ಲಿ
ಜಿಗ್ಗ್ ಕರೂನ್ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆಶಾ ಆಂಕ್ರೆವ್ನ್ ಆಯ್ಲಿ
ಲ್ಹಾನ್‌ಸೊ ಚಾಮ್ಕೊಳ್ ಜಾತಲೊಂ
ತುಜ್ಯಾ ಗಾಲಾರ್ ಬಸ್ತಲೊಂ
ತುಜ್ಯಾ ಬೊಟಾನ್ ಮೊಳ್ತಲೊಂ
ಕಿಮ್ಚುನ್ ಸೊಡ್ಲೊ ರಗ್ತಾನ್ ಬುಡ್ಲೊ ಆಶೆಕ್ ವಾಟ್ ಲಾಯ್ಲಿ
ಆತಾಂ....ಜಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾ ಗಿಟಾರಾಚಿ ತಾರ್......

57. ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚಾ ವಾದಳಾರ್

ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ವಾದಳಾರ್ ಮಾಂಯ್
ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ವಾದಳಾರಿ
ಸಿಲ್ಕ್ಯಾಚೆಂ ಏಕ್ ಆಂಗ್ಲೆಂ ಉಬ್ಲೆಂ ಮಾಂಯ್
ತೆಂಕ್ಲೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಪಾಟೊಸಾರ್
ಆಂಗ್ಲೆಂ ಉಬ್ತಾಲೆಂ ಫರಾಫರಾ ಮಾಂಯ್
ರಾಸ್ ಕೆಸಾಂಚಿ ಮಳ್ಬಾವಯ್ರ್
ತ್ಯಾಯ್ ಆಂಗ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಲಿಪೊನ್ ಆಸ್ಲಿ ಮಾಯ್
ಆಂಜಾ ಸಾರ್ಕೆಲಿ ಏಕ್ ನಾರ್

ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್, ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್
ಸಾಂಗಾತ್ ತುಕಾ ಜಾಯ್ತ್ ಘರಾಂತ್
ಲೋವ್ ದೆಂವಯ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹರ್

ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚಾ ವಾದಳಾರ್ ಮಾಂಯ್
ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚಾ ವಾದಳಾರ್
ಆಯ್ಲೆಲಿ ನಾರ್.......ಘುಟ್ ಮುಟ್ ಮಾಂಯ್
ಚಂದ್ರೆಮ್ ತಿಚ್ಯಾ ಕಪಲಾರ್
ಭಿಂರ್ಭಾಂ ತಿಗೆಲ್ಯಾ ಗಾಲಾಂಚೆರ್ ಮಾಂಯ್
ಗುಲೊಬಾ ಪಾಕ್ಳಿ ವೊಂಟಾಂಚೆರ್
ಸರ್ಗಿಂಚೆ ಆಂಜ್ ಉಮ್ಕ್ಯೊಳ್ ಘಾಲಿ ಮಾಂಯ್
ವಾಡ್ಕುಳೆ ತಿಚೆ ಖಾಡ್ಕೆಚೆರ್

ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್, ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾಕ್ ಜಾಯಿತ್ ಸೊಭಾಯ್
ಮೆಜಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವಾಜಾಂತ್ ಭರ್

ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚಾ ವಾದಳಾರ್ ಮಾಂಯ್
ಕಾಲ್ ಸಾಂಜೆಚಾ ವಾದಳಾರ್
ಆಯ್ಲ್ಲಿ ನಾಕಾ ವ್ಹಡ್ ಭುಲ್ ಮಾಂಯ್
ಲುಸಿಫೆರ್ ತಿಚ್ಯಾ ಮಸ್ತಕಾರ್
ಕೇಸ್ ಮುದಿಯಾಳೆ ದೊಳೆ ಕಾಳೆ ಮಾಂಯ್
ಬುರಾಕ್ ಕಾಡ್ತಿತ್ ಪೊಟ್ಯೊಕೆರ್
ನಾಡ್ಗಿ ಪೊಲೆಗೆ, ಹರ್ಧಿಂ ಯೆದೆಂ ಮಾಂಯ್
ಲಾಳ್ ದೆಂವತ್ ಮ್ಹಜೆ ಜಿಬೆಚೆರ್

ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್, ಮ್ಹಾಕಾ ನಾಕಾ ಮಾಂಯ್
ಲೊವ್ ದೆಂವಯ್ ಘರಾಂತ್ ವ್ಹರ್
ತಿಕಾ ತುಗೆಲಿ ಸುನ್ ಕರ್.

58. ಸೋಮಾರಿ ಪಾಪಾರಿ ಲಾಚಾರಿ

ಸೋಮಾರಿ ಪಾಪಾರಿ ಲಾಚಾರಿ
ಶೆಂಬೊರಾನಿ ನಾಂವಾಂ ತುಕಾ ಬೆರಾರಿ
ಮರಿಯಬರಿ, ಸೊರ್ರ್ಯಾಬರಿ, ದೆವಾಬರಿ
ರಸ್ತೆ ಭೊಂವ್ತಾತ್ ಕಾಮ್‍ನಾತ್ಲ್ಲ ಆಚಾರಿ

ಕೊಲೆಜಿನಿ ರಾಶಿ ಫಾಲ್ಯೊ ಡಿಗ್ರ್ಯಾಂಚ್ಯೊ
ಅಫಿಸಾನಿ ಧಾಡಿ ಫಾಲ್ಯೊ ಗಾಗ್ರ್ಯಾಂಚ್ಯೊ
ಫುಡಾರ್ರ್ಯಾನಿ ವಿರೋಧ್ ಕೆಲೊ ಸರ್ರ್ಯಾರಾನ್ ನಿರೊಧ್ ದಿಲೊ
ತರೀ ವಾಡ್ಲ್ಯೊ ಹಾರಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಬೊರ್ರ್ಯಾಂಚ್ಯೊ
ಸೋಮಾರಿ, ಪಾಪಾರಿ, ಲಾಚಾರಿ

ಸುಗ್ಗಿ ಆಸಾ ಕೊಳ್ಕೆಂ ಆಸಾ ಎಣೇಲ್ ನಾ
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಮೇಜ್ ಆಸಾ ಕದೆಲ್ ನಾ
ಭಾಕ್ರಿ ಆಸಾ ಚಾಕ್ರಿನಾ, ಘೊಡೊ ಆಸಾ ಗಾಡಿ ನಾ
ವಾರೆಂ ಆಸಾ ಉಜ್ವಾಡ್ ಆಸಾ ಜನೆಲ್ ನಾ
ಸೋಮಾರಿ, ಪಾಪಾರಿ, ಲಾಚಾರಿ

ಹಾಂಚೆರ್ ಆನಿ ಪಾತಿಯೆವ್ನ್ ರಾವ್ಲ್ಯಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂನಾ
ತೊಂಡಾಂತುಲೆಂ ಶಿತ್ ಪೊಟಾಕ್ ಪಾಂವ್ಚೆಂ ನಾ
ಹಾತಾಕ್ ಹಾತ್ ದೀವ್ನ್ ನ್ಹವೊ ಎಕ್ವಟ್ ಬಾಂದುನ್
ಚಲ್ ಫುಡೆಂ ಬೇಕಾರ್‌ಪಣ್ ಉರ್ಚೆಂನಾ
ಸೋಮಾರಿ, ಪಾಪಾರಿ, ಲಾಚಾರಿ

59. ವೆಡೊ

ಘೆತಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಘೆಯಾತ್ ಫುಲಾಂ, ತಾಂಬ್ಡಿಂ ಆಬೊಲಿಂ
ತಾಂಬ್ಡೆ ಭುಲಿನ್ ತರ್ನಿ ಮನಾ ಸರ್ಗಿಂ ಉಬೊಲಿಂ
ಪೊಕ್ರಿಪಣಾ ನಾಕಾತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ನಕ್ರೆ ಕರಿನಾಕಾ
ಘೆತಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಘೆಯಾತ್ ಫುಲಾಂ ಹಾತಾಕ್ ಧರಿನಾಕಾ

ವೆಡೊ ಮಾರಿನಾಕಾ, ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ನಾಕಾ
ವೊಡೊ ಫುಗಯ್ನಾಕಾ ಮ್ಹಾಕಾ ವೆಡೊ ಮಾರಿನಾಕಾ
ಗುಲೊಬ್ ಪಳೆವ್ನ್, ಹಾತಾನ್ ಎಕಾ ಮೊಗ್ರೆ ಖೆಳಯ್ತಾ
ದುಸ್ರ್ಯಾ ಹಾತಾನ್ ಪೊಶೆವ್ನ್ ಕಾಳಿಜ್ ಜಳಯ್ತಾ

ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಳ್ತಾ ಉಜೊ ಜಳೊವ್ ಸಾರಿನಾಕಾ
ಘೆತಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಘೆಯಾತ್ ಫುಲಾಂ ಘಾತ್ ಕರಿನಾಕಾ
ವೆಡೊ ಮಾರಿನಾಕಾ.......

ಸಗ್ಳೆ ತುಮಿ ಹರ್ದ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೆಕ್ಟಂ ಸೊಡುಂಕ್ನಾ
ಫುಲಾಂ ವಿಕುಂಕ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಹಾಂವೆಂ ದೂದ್ ಹಾಡುಂಕ್ನಾ
ಬುರ್ಗಿಂ ಘರಾಂತ್ ರಾಕ್ತಾತ್ ತಾಂಬ್ಯಾ ಪೊಟಾಕ್ ಮಾರಿನಾಕಾ
ಘೆತಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಘೆಯಾತ್ ಫುಲಾಂ ಥೊಟೆ ಮಾರಿನಾಕಾ

60. ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್

ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ?
ಮ್ಹಣಾನಾಕಾತ್ ಆಮೀ ನೆಣಾ
ಸಂತೊಸಾಚೆಂ ಝುರಿಕ್ ಮ್ಹಣಾ
ತಿಂ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾ

ಖಿಣ್ಕುಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಘುಣಾ-ಘುಣಾ
ಪಾಂಯ್ಜಣಾಂಚೆಂ ಝುಣಾ ಝುಣಾ
ಉತ್ರಾಂ ತಾಂಕಾಂ ಮೆಳಯ್ ತರ್
ತಿಂ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾ

ಕವಿತೆಕ್ ನೊವ್ರೊ ಮ್ಹಣಾ
ವ್ಹಾಜಪ್ ತಾಲಾಕ್ ವ್ಹಕಲ್ ಮ್ಹಣಾ
ತಾಂಚೆಂ ಲಗಿನ್ ಘುಡ್ತಾ ತೆನ್ನಾ
ತಿಂ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾ

ಆಮಿಂ ಮಾಂಡಾರ್ ಚಾರ್ ಬೊಡಾಂ
ಮುಕಾರ್ ತುಮಿ ಮ್ಹಾಜಣಾ
ಆಮ್ಚೊ ಮೋಗ್ ಘುಡಾತ್ ತೆನ್ನಾಂ
ತಿಂ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾ



61. ಆಬೊೊಲ್ಯಾ ಚೊ ರಂಗ್

ಆಬೊೊಲ್ಯಾ ತುಜೊ ರಂಗ್ ಉಜೊಗೊ
ರಾಂದ್ಣಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಜೊಗೊ ?

ಮಾಣ್ಕುಲ್ಯಾ ಮುಕಾರ್ ಪಾಕ್ಳಿ ಪಿಟಾಚಿ
ಸಾಣ್ಕೈಲ್ಯಾ ಸಾಂದಿಂತ್, ದುಬ್ಳ್ಯಾ ದೆಂಟಾಚಿ
ಮೊವಾಳಾಯೆಂತ್ ಕಸೊ ಉಜೊರುಜೊಗೊ ?
ರಾದ್ಣಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಜೊಗೊ ?

ಆಬೊೊಲ್ಯಾ........

ಎಕ್ಸುರ್‌ಪಣಾರಿ ಆಲ್ಬೊ ಶೃಂಗಾರ್
ಆಂಕ್ವಾರ್ ಪಣಾಚಿ ಸಾಯ್ ಆಂಗಾರ್
ರಾಶಿಚ್ಯಾ ಉಜ್ಯಾಂತ್ ದೇವ್ ಪುಜೊಗೊ
ರಾಂದ್ಣಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಜೊಗೊ ?

ಆಬೊೊಲ್ಯಾ........ಶಿಜೊಗೊ ?

ಮ್ಹಜ್ಯಾಯ್ ಭಿತರ್ ಜಳ್ತಾ ಸೊರ್ಮ್ಣಾ
ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಕುಲ್ಕುಲೊ ಕಸೊ ಕಾಂಯ್ ನೆಣಾ
ಆಂಗ್ ಪಾಂಗ್ ಮಾತ್, ಘಾಮಾನ್ ಭಿಜೊಗೊ
ರಾಂದ್ಣಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಜೊಗೊ ?

ಆಬೊೊಲ್ಯಾ ....

ಭಿತರ್ಲೊ ಉಜೊ ವೊಂಕೊಂಕ್ ನರ್ಗತಾಂ
ನಕ್ಲಿ ಹಾಶಾನಿ ಲಿಪಂವ್ಕ್ ಕರ್ಗತಾಂ
ಮ್ಹಜ್ಯಾಚ್ ಮೊಡ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಜೊಚ್ ಬೊಜೊಗೊ
ರಾಂದ್ಣಿರ್ ತುಜ್ಯಾ ಕಿತೆಂ ಶಿಜೊಗೊ?

ಆಬೊೊಲ್ಯಾ.......ಶಿಜೊಗೊ ?

62. ಉಜೊ

ರಾತ್ ವ್ಹೋಲಿಂತ್ ಕಡ್ಕಡ್ಯಾನಾ
ಚಂದ್ರಾಚಿ ಲೆಗುನ್ ದಾಂತ್ ಝುಡ್ಯಾನಾ
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಕಸೊ ಪೆಟ್ಟಾ ಉಜೊ, ?
ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ

ಪಾವ್ಸಾಂತ್ ಗುಲಾಬ್ ಶಿರ್‍ಶಿರ್‍ತಾನಾ
ಕಾಂಟೊ ಫುಲಾಕ್ ವೇಂಗ್ ಮಾರ್‍ತಾನಾ
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಕಸೊ ಪೆಟ್ಟಾ ಉಜೊ, ?
ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ

ಪಾಲ್ವುಂಕ್ ನಜೊ ಸೊಸುಂಕ್ ನಜೊ
ಧಗಾಭಗಾ ಕರುನ್ ಪೆಟ್ಟಾ ಉಜೊ
ತುಜ್ಯಾಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ

ದೊವಾಚ್ಯಾ ಯೆಣ್ಯಾ ಫುಲ್ಲೆಂ ಸಾಳಕ್
ಫುಗಾಸಾಂವಾನ್ ಶಿಂವರ್ ಸುಜ್ಲೊ
ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ

ಪಾಕ್ಳಿ ಮಸ್ತಿಲಿ ತರ್‍ನ್ಯಾ ಫುಲಾಚಿ
ತಾಂಬ್ಡ್ಸಾಣ್ ವಾಡ್ಲಿ ಗೊರ್‍ಯಾ ಗಾಲಾಚಿ
ತ್ಯೆ ತಾಂಬ್ಡ್ಸಾಣಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಟ್ಲೊ ಉಜೊ
ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ

ಸಿಲ್ಯಾಚಿ, ಸಾಡಿ ನ್ಹೆಸುನ್ ಘೆತಾಲಿ
ತಲ್ಯಾಪರಿ ತುಂ ಚಲುನ್ ವೆತಾಲಿ
ಸಾಂಗಾತ್ ಜಾಲೊ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಲ್ವಾಚೊ
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಗಾಲಾಚೊ, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಗಾಲಾಚೊ

ಆದಿಂ ಕಳ್ಳೆಂನಾ, ಕಳಾನಾ ಆತಾಂ
ಗಾಲಾರ್ ಘಾಸ್ತಾನಾ ಸಿಲ್ಕಾಚಿಂ ಸುತಾಂ
ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಕಸೊ ಉಟ್ಟಾ ಉಜೊ
ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ, ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ.

63. ರಾತ್ ರಾತ್ ರಡ್ಲಾಂ

ರಾತ್ ರಾತ್ ರಡ್ಲಾಂ ಆಕಾಂತಾಂತ್ ಪಡ್ಲಾಂ
ಮಳ್ಬಾವೆಲೆಂ ನೆಕೆತ್ರ್ ಮ್ಹಜೆಂ, ಖಂಯ್ಸರ್ ತರಿ ಝುಡ್ಲಾಂ

ಆಗೊ ಆಗೊ ಚಲಿಯೆ, ಉಶಾಗೊಡಾ ಚೆಲಿಯೆ
ಸಾಂಗ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಫುಡಾರಾಚೆಂ ಪೊವ್ಯಂ ತುವೆಂ ಕಾಡ್ಲಾಂ?

ಕಾಳಿಜ್ ನಿತಳ್ ಆಸ್ಲೆಂ, ಪಾಪ್ ಪಾತಕ್ ನಾಸ್ಲೆಂ
ಸಾಂಗ್ ತುಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ತುವೆಂ, ವೊರಲ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ವೊಡ್ಲಾಂ?

ಆಶೆಂ ಕಶೆಂ ಜಾಲೆಂ, ಚೊರ್ಲೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಫಾಲೆಂ
ಸಾಂಗ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಶಿಬಾಚೆಂ, ಮೊಡ್ಕೆಂ ತುವೆಂ ಫೊಡ್ಲಾಂ?

ಚುಕೊನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳ್ಯಾಂ, ಖರೆಂಚ್ ತುಕಾ ಮೆಳ್ಯಾಂ
ಸಾಂಗ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಲಿಪಂವ್ಕ್ ಗುಕ್ಕ್ ಗಿಳುನ್ ಸೊಡ್ಲಾಂ?

ಸಾಂಗ್ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಚಲಿಯೆ, ದುಲಬ್ ಆಂಕ್ವಾರ್ ಕಳಿಯೆ
ಸಾಂಗ್ ಸಾಂಗ್ ಆಪ್ಶೆಂ ತುಜೆಂ, ಪೊಟ್ ಕಶೆಂ ವಾಡ್ಲಾಂ?



64 . ಆಜ್‌ಚ್ ಅಶೆಂ

ಆವಯ್ಸ್ ಮಾವ್ಶೆ ಆಜ್‌ಚ್ ಆಯ್ಲಿ
ತುಜೆ ಖಾತಿರ್ ತೊವ್ಶಿಣ್ ಲಾಯ್ಲಿ
ಹರ್‍ಯೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಉಟಾಉಟಿಂ
ಬೊಬ್ಳಿಂ ದುಧಿಯಾಂ ದಾಟಿಂ ಮೊಟಿಂ
ವಾಂಯ್ಗಿಂ ತೆಂಡ್ಲಿಂ ಭಾಜಿಯೆ ಸೊಪಾಂ
ಕಾಸುಳೆಚಿಂ ಪಿಟ್‌ಶಿಂ ಕಾಪಾಂ
ಮಾವ್ಶೆ, ತುಕಾ ರಾಂದುನ್ ದಿತೊಂ
ತುಜೆ ಖೊಶಿಯೆಂತ್ ದಾಧೊಸ್ ಜಾತೊಂ
ಪುಣ್‌ಗೆ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಲಜ್‌ಶಿ ದಿಸ್ತಾ
ಹರ್‍ಯೆಂ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಜಾಯ್ತೆಂ ಆಸ್ತಾ
ಪಾಟಿಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಯ್ತಾನ್ ಲಾಗ್ಲಾ
ಆಜ್‌ಚ್ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಕೊಲೊ ರಿಗ್ಲಾ!

ಆವಯ್ಸ್ ಮಿತ್ರಾ, ಹುಂಬ್ರಾರ್ ಉಬೊ
ಖಂತಿ ಮ್ಹಜ್ಯೊ ಜಾಲ್ಯೊ ಗಾಬೊ
ಹರ್‍ಯೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕೊಂಬಿ ಮಾರ್ತೊಂ
ರಾಜ್ಯೊ ಸೊರೊ ತಾಳ್ಯಾಂತ್ ಭರ್ತೊಂ
ಬಾಯ್ಲೆರ್ ಸತಾವ್ನ್ ಸನ್ನಾ ಕರ್ತೊಂ
ತುಜೆ ಸೆವೆಂತ್ ಅರ್ಧೊ ಝುರ್ತೊಂ
ಕಾಫಿ, ದುಧಾಂ, ಬಿಯರ್, ಫೆನ್ನಿ
ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ಟೆಂ ಮ್ಹಜಿ ಸನಿ
ತೊಂಡ್ ಸೊಡುಂಕ್ ಲಜ್‌ಶಿ ದಿಸ್ತಾ
ಹರ್‍ಯೆಂ ದುಡು ಖೊಬ್‌ಸೊ ಆಸ್ತಾ
ಕೊಣ್ಗೀ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ರಡ್ಲಾ
ಆಜ್‌ಚ್ ಬೊಲ್ಸಾರ್ ಬುರಾಕ್ ಪಡ್ಲಾ

ಆವಯ್ಸ್, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಗೊಂಡ್ಯಾ
ಆಜ್‌ಚ್ ಆಯ್ಲಂಯ್ ಮೊಗಾ ಉಂಡ್ಯಾ
ಹರ್ಯಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ವೆಂಗೆಂತ್ ವೊಡ್ತೊಂ
ತೊಂಡಾರ್ ತುಜ್ಯಾ ಚಿತ್ರಾಂ ಕಾಡ್ತೊಂ
ಉಬಾಳ್ ಉಮೆ ಪೊಲ್ಯಾರ್ ಜೊಡ್ತೊಂ
ಗಾಲಾವಯ್ಲಿಂ ಭಿಂರ್ದಾಂ ಫೊಡ್ತೊಂ
ಆಜ್‌ಗೊ ಬಾಯೆ ಲಜ್‌ಶಿ ದಿಸ್ತಾ
ಹರ್ಯಂ ಖಾಡ್ಕಿ ಸಾಫ್‌ಸೂಫ್ ಆಸ್ತಾ
ತೊಂಡಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸೊರ್ವೊ ವಾಡ್ಲಾ
ಆಜ್‌ಚ್ ಮ್ಹಜೊ ವಾಕೊರ್ ಮೊಡ್ಲಾ.

65. ರಾಂದ್‌ಲ್ಲೆಂ ರಾಂದಪ್

ರಾಂದ್‌ಲ್ಲೆಂ ರಾಂದಪ್ ಚಿಂತ್‌ಲ್ಲೇಪರಿಂ ಪಾನಾರ್ ಪಾವನಾ
ನಾಂಗಾ ನಾ ನಾ ನಾಂಗಾ ನಾನಾ

ರಾತ್ ಮ್ಹಣಾ ಮೆಣಾಲಾಗಿಂ ವಾತ್ ಜಳ್ಟನಾ
ರಾತ್‌ಯ್ ಆಸಾ ವಾತ್‌ಯ್ ಆಸಾ, ತುಂಚ್ ಮುಂಗೊನಾ

ಲೆಂವ್ಟ್ಯಾನಾಕಾಕ್ ಆದಿಂಚ್ ಕಶಿ ಗಜಾಲ್ ಕಳ್ಳಿನಾ?
ಜಾಯ್ ಲೆಗುನ್ ಬಾವ್ಳಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪರ್ಮಳ್ ದಿಂವ್ಟಿನಾ

ಉಮಾಳ್ಯಾಂಚಿ ಕಾಟ್ ಜಿರೊನ್ ದೂಕ್ ಗಳ್ಟನಾ
ಗಳಯ್ಲ್ಲೆಂ ದೂಕ್ ದೊಳೊ ಪರತ್ ಘೆಂವ್ಟ್ಯಾನಾ

ತಾನೆಕ್ ಮ್ಹಣುನ್ ನಿರ್ವ್ಯಾಗ್ ನಾಸ್ತಾಂ ದರ್ಯಾಕ್ ಉಡ್ಟನಾ
ದರ್ಯೊ ತಾಚಿ ತಾನ್ ಭಾಗೊಂವ್ ತುಜಿ ಭಾಗ್ಟಿನಾ

ಸಾಯ್ಬಿಣಿಚ್ಯಾ ಮೊಗಾನ್ ವಾಟ್ಲೆಕ್ ಪಾವ್ಲಿ ಘಾಲ್ತಾನಾ
ಮೋಗ್‌ಯ್ ಗೆಲೊ, ಪಾವ್ಲಿಯ್ ಗೆಲಿ ಪರತ್ ಯೆಂವ್ಟಿನಾ.

66 .ಆಗಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಗಾಂವಾಗಾ

ಸಗ್ಳೆಂ ಗುಮಟ್ ವ್ಹಾಜೂನ್
ಬಾಯ್ ತುಕಾ ಕಾಡ್ಲಂಗೊ ವಿಂಚುನ್
ಆತಾಂ ಗುಮಟ್ ಫೊಡ್ಯಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಕಶೆಂ ವ್ಹರುಂಗೊ ಸೊಸುನ್?

ತಶಿ ತುಜಿ ಮ್ಹಜಿ ಭಾಸ್
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಅಂತರ್ಮಳಾಚೊ ಲಾಸ್
ತಿಕಾ ನಾಸ್ ಕೆಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಆಮಿ ಸಗ್ಳಿಂಚ್ ಜಾಲಿಂ ನಾಸ್

ಆಗಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಗಾಂವಾಗಾ
ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷೆಕ್ ಪಾವಾಗಾ
ಗಾಳೀ ಕೊಣಾಕ್ ಸೊಂಪ್ಚ್ಯಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಆಮ್ಚೆ ಭಾಷೆನ್ ಸೊಂವಾಗಾ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಅಂಗಾರ್ ಖೊಮಿಸ್ ನಾ
ಟಾಯ್ ಕೊಲರ್ ಶರ್ಟ್ ಎಂಡ್ ಬನಿಯಾನಾ
ಆನಿ ಅಶೆಚ್ಚ್ ದೀಸ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್
ಚೊವ್ಕಾ ಕುಡ್ಕೊಯ್ ಉರ್ಕೊನಾ

67. ಶೆವಿಯೊ ರೋಸ್

ದಾಂಬ್‌ಗೇ ಯೆಜ್ಮಾನಿ
ಶೆವಿಯೊ ಘೌಸ್ ಘೌಸ್
ಕುಮಾದ್ರಿನ್ ಧಾಡ್ತಾಂ ಮ್ಹಳಾಂ
ನಾರ್ಲ್ಲಾ ವಳ್ಯಾ ರೋಸ್

ಕಿರಾಸಾಳೆರಿಂಚಿ ಜೊಡಿ
ಘುಡಿಯೆ ದೊಂಗ್ರ್ಯಾರ್ ರಮ್ಲಿನಾ
ರೋಸ್ ಆನಿ ಶೆವಿಯಾಂ ಸಾಂಗ್ನಿ
ಜೊಡಿ ಕೆದೀಂ ಜಮ್ಲಿನಾ
ಕುಮಾದ್ರಿಚಾ ಮೊಗಾಮಾಯೆರ್
ಕರಿನಾಕಾಯ್ ಮೋಸ್

ದಾಂಬ್‌ಗೇ ಯೆಜ್ಮಾನಿ......

ಆವ್ಲಿನಾಂಗೊ ಪಾವ್ಲಿನಾ
ಆಮ್ಗೆರ್ ಕಶೆಂ ರಾವ್ಲೆಂನಾ ?
ಶೆವಿಯೊ ರೋಸ್ ಖಾಯ್ಲೆ ತರೀ
ತಾಳ್ಯಾ ಸರ್ಲ್ಲಾ ದೆಂವ್ಲೆಂನಾ
ಹಾಂವ್‌ಗೊ ಶೆವಿ ಧವಿಧವಿ
ತುಂ ಆಪ್ರೂಸಾಚೊ ರೋಸ್
ದಾಂಬ್‌ಗೇ ಯೊಜ್ಮಾನಿ

68. ಮಾಗಿರ್ಚೆಂ ಮಾಗಿರ್

ಪೊಟಾಕ್ ಕೊಕೊ
ಉಮ್ಶೊ ಸುಕೊ
ಭೆಷ್ಟೊ ಪೊಕೊ
        ಆತ್ಮ್ಯಾಚೊ ತೊ ರೋಗ್‌ಗಾ
        ಲಾಂಬ್ ಜಿಯೊಂ ಮೋಗ್‌ಗಾ

ಮಾತ್ಯಾರ್ ಪಾಕೆಂ
ಮೊನೆಂ ಮುಖೆಂ
ಚಿಂತಪ್ ಸುಕೆಂ
        ಮತಿಚೊ ತೊ ಸೋಂಗ್‌ಗಾ
        ಲಾಂಬ್ ಜಿಯೊಂ ಮೋಗ್‌ಗಾ

ಪಾಟಿರ್ ಪಾಪೊ
ತೊಂಡಾರ್ ಕೊಪೊ
ಝುತಾ ಥಾಪೊ
        ದಸ್ತುರೆಚೊ ಡೋಂಗ್‌ಗಾ
        ಲಾಂಬ್ ಜಿಯೊಂ ಮೋಗ್‌ಗಾ

69. ಶಿರಿಗುಂಡಿ ಶಿಮಾಂವ್

ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ಆಸೊನ್ ಕಾಸ್
ಜರಿ ಸುಟ್ಲೊ ತುಜೊ ಕಾಚ್
ಭೊಂಕಾರ್ ತುಜಾ ಯೆತಲೊಗಾ
ಸುಗಂಧೆಚೊ ವಾಸ್

ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್
ಶಿರಿಗುಂಡಿ ಶಿಮಾಂವ್‌ಗಾ
ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್
ಸಂಸಾರ್ ತುಜೊ ದಾಸ್

ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಾಸ್
ಚೋಂಯ್ ವಾಟೆನ್ ತ್ರಾಸ್
ಕೊರ್ಗ್ಯಾರಾಚೊ ಕುತ್ರೊ ಲೆಗೊನ್
ಕುಲ್ಯಾಂಕ್ ಮಾರಿ ಘಾಸ್

ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್
ಶಿರಿಗುಂಡಿ ಶಿಮಾಂವ್‌ಗಾ
ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್
ಸಂಸಾರಾಕ್ ನಾ ಭಾಸ್

ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಾಸ್
ಮೆಜಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಮಾಸ್
ತಿರ್ಸುಲ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ಶಿಂಪಿಯೊ ತರಿ
ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ಹಾಲಯ್ ರಾಸ್

ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್,
ಶಿರಿಗುಂಡಿ ಶಿಮಾಂವ್‌ಗಾ
ರೇ ಶಿಮಾಂವ್, ರೇ ಶಿಮಾಂವ್
ಸಂಸಾರಾಕ್ ನಾಭಾಸ್

70. ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ



ಲೇಸ್ ಉಸಾಲೆ ಕೇಸ್ ಬಿಸಾಳ್ಳೆ
ವೆಂಗುನ್ ಧರ್'ರ ಮಿತ್ರಾ
ಓಂಟ್ ಹುಳ್ವುಳೆ ಉಮ್ಯಾಂಕ್ ಆಶೆಲೆ
ಗೊಪಾಂತ್ ಘೆರ ಮಿತ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ

ಕಾಳಿಜ್ ಭಿಂಯೆತಾ ತೋಂಡ್ ಮುಯೆತಾ
ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಗಾಗೆತಾ
ಕುಡಿ ಆತ್ಮ್ಯಾಕ್ರ್ ತರ್ನ್ಯಾಟ್ಪಣಾಚಿ ಆಂಕ್ರಿ ಜಾಗೆತಾ
ಪಯ್ಲ್ಯಾನ್ ದೆಕ್ಲೆಂನಾ, ದೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ರ್'ಯ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾನ್ ಲೆಕ್ಲೆಂನಾ
ಜೀವ್ ಭಿಜೊತಾ, ಲಜ್ ದಿಸೊತಾ
ಆಯ್ಕ್ ಮ್ಹಜಾ ಉತ್ರಾ ತುಂ ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ

ರಾತಿಚಿಂ ಸಪ್ಣಾಂ ಸಪ್ಣಾಂತ್ ಭೊಗ್ಣಾಂ
ನ್ಹವ್ಯಾ ಜೊಡಿಂಚಿಂ
ವಾದಳಾವಿಣೆ ಉಬ್ರಾತ್ ನ್ಹೆಸ್ಣಾಂ ತರ್ನ್ಯಾಕ್ರ್ ಕುಡಿಂಚಿಂ
ಧರ್ಲಿಂ ತರ್ ಮೆಳನಾಂತ್, ಮೆಳ್ಯಾಕ್ರ್'ಯ್ ಮುಟಿಂತ್ ರಾವನಾಂತ್
ಮತಿಚಾ ರೊಗಾ ಧಾಂವ್ಡಾಯ್ ಮೊಗಾ
ಉಜ್ವಾಡಾಚಾ ಧೊತ್ರಾ ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ
ಪುನ್ವೆಚಾ ಚಂದ್ರಾ.

71. ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತ್ತೆಂ?

ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ? ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂರೆ ನರಾ?
ಕೆವ್ಳ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ರಿಗ್‌ಲ್ಯಾ ಘರಾ
ತಕ್ನಿ ಪಂದಾ ಪಾಂಯ್ ವಾರ್‍ಯಾರ್
ಶಿಂತಿದ್ ಕೆದ್ನಾ ನಾಸ್ತಾಂ ಥಾರ್‍ಯಾರ್
ರಾಕಿಯೆ ಮುಳಾಂ ಜಿಬೆ ಪಂದಾ ಹರ್ದ್ಯಾಗುಡಾ ಸಂದಾರ್ ಸಂದಾ
        ಧಸ್ ಧಸ್ ಧಸ್ ಧಸ್ ಜಾತಾ
        ಧಸ್ ಧಸ್ ಧಸ್ ಧಸ್ ಜಾತಾ
ಮಾಗಿರ್, ನಾಚ್ ನಾಚ್ಯಾಶೆಂ ಜಾತಾ
ವೆಡ್ಯೊಳ್ ಗಾಲುನ್, ದೊಳೆ ಮಾರುನ್
ಪೊಟ್ಲುನ್ ಧರುನ್, ಶಿಂತಿದ್ ಘಾರುನ್ ಹಾ
ನಾಚ್ಯಾಶೆಂ ಜಾತಾ
ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ? ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂಗೊ ನಾರಿ?
ಯಮ್ಕೊಂಡಾಚಿ ಉಜ್ಯಾ ಸಾರಿ,
ಹುಲೊಪ್ ತಾಚೊ ಜಬ್ಬೊರ್ ತರಿ
ಜಾಯ್ನಾ ಕೆದಿಂ ಗೊಬೊರ್ ಕರಿ
ನಾಕಾ ಮುಳಾಂ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಪಂದಾ ಶಿರಾನ್‌ಶಿರಾ ಸಂದಾನ್ ಸಂದಾ
        ಲ್ಹಾಸ್ ಲ್ಹಾಸ್ ಲ್ಹಾಸ್ ಲ್ಹಾಸ್ ಯೆತಾ
        ತರಿ ನಾಚ್ ನಾಚ್........ನಾಚ್ಯಾಶೆಂ ಜಾತಾ
ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮೋಗ್ ಮ್ಹುಳ್ಯಾರ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಕಿತೆಂ
ಮೆಣ್ ಮೆಣ್ ಜಾತಾ ಮಾತೆಂ
ಆತ್ಮ್ಯಾಂತುಲೆ ಕುಡಿಂತುಲೆಂ
ಮತಿಂತುಲೆಂ ಚೈತನ್ ಸಗ್ಳೆಂ
ಉಜ್ಯಾವಯ್ಲ್ಯಾ ದುದಾಬರಿ ಖಿತ್ಕತ್ಯಾನ್ ಉಬಾರ್ ಸರಿ
        ಘಾಸ್ ಘಾಸ್ ಘಾಸ್ ಘಾಸ್ ಜಾತಾ
        ರಾಂಧ್ನಿ ಮುಳಾಂತ್ ವೊತುನ್ ವೆತಾ

72. ಪಾಟಿಂ ಪಳೆನಾಕಾ

ಕಾಳಿಜ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಭೊಳೆಂ, ಉತರ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಮೆಳೆಂ
ಮಿಲನ್ ಜಾತಚ್ಯ್ ತಾಂಚೆಂ, ಧವೆಂಯ್ ಜಾಲೆಂ ಕಾಳೆಂ
ಆತಾಂ ಉಮ್ಕೊಳ್ ಘೆತಾಂ, ಗಿದಾನ್ ವೊಡ್ಲಿಂ ಮಾಸಾಂ
ಸುಣೆ ಚಿಂವ್ರ್ಯಾತ್ ಹಾಡಾಂ, ಚಿಂತ್ನೆನ್ ಜಿವೊಚ್ ಆಸಾಂ.

ತುಂ ಜಿಣೆ ಜಳಯ್ನಾಕಾ, ದೊಳೆ ವೊಳಯ್ನಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ತುಜಾಚ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಸಾಂ ಪುಣ್ ಪಾಟಿಂ ಪಳಯ್ನಾಕಾ

ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ರುಪ್ಣೆ ತುಜೆಂ, ಮೊಗಾನ್ ವಾಡೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂ
ಚೊರುನ್ ರುಪ್ಣೆ ತುವೆಂ, ಪರ್ಕ್ಯಾಚಾ ಚೆಪ್ಯಾಕ್ ಲಾಯ್ಲೆಂ
ಆತಾಂ ಭಿರಾಂತ್ ಧರ್ತಾಯ್, ಪಾತಕ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ರಡ್ತಾಯ್
ಹಾಂವ್‌ಗೊ ಉಮ್ಕೊಳಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ತುಕಾ ಭುಜಯ್ತ್ ಆಸಾಂ.

ತುಕಾ ಧಸ್ತಿನಾಕಾ, ಪಾತಕ್ ಉಸ್ತಿನಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾಚ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಸಾಂ ಪುಣ್ ಪಾಟಿಂ ಪಳಯ್ನಾಕಾ

ಆಜೂನ್ ಪಾಸಾಂತ್ ಆಸಾಂ, ಕುಸೊನ್ ಯೆತಾತ್ ಮಾಸಾಂ
ಶಿರಾಂಚಿ ಜಾಲ್ಯಾಂತ್ ಭೆಸಾಂ, ಜಿವಾಂತ್ ಉರ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಕುಸಾಂ
ಜರೀ ಉಮ್ಕೊಳ್ ಘೆತಾಂ, ತಾಂತುಂಚ್ ಜಿವೊ ಜಾತಾಂ
ತುಜ್ಯಾ ರಾಜ್ಯಾ ದಿಸಾ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಉಭೊ ಜಾತಾಂ

ಬಾಯೆ ಕರ್ಗನಾಕಾ, ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ನರ್ಗನಾಕಾ
ಹಾಂವ್ ತುಜ್ಯಾಚ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಸಾಂ ಪುಣ್ ಪಾಟಿಂ ಪಳಯ್ನಾಕಾ

• ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಬಾಬಾಚಾ ಮರ್ಣಾ ದಖ್ಯಾನ ತೊವ್ಲ್ಯಾ ಹಜಾರೊಂ ಅಭಿಮಾನಿ ಪಯ್ಕಿಂತ್ಲೊ ಎಕ್ಲೊ ಬಾಬ್ ಡೆನಿಸ್ ಮೊಂತೇರ್ ಚಾ,ಫ್ರಾ.ಬಾಬಾಚಾ ಆತ್ಮೀಯ್ ಮನ್ಶಾಂ ಪಯ್ಕಿಂತ್ಲೋಯ್ ಎಕ್ಲೊ."ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್" ಚೊ ಕಾರ್ಯಕಾರಿ ಸಮಿತಿ ಸಾಂದೊಯ್ ತೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಬಾಬಾಚಾ ವೆಗ್ಳ್ಯಾಚಾರಾಚಾ ಸಿಂತಿಮೆಂತಾಂಚೆ ಉಮಾಳೆ ಹ್ಯಾ ಕವಿತೆದ್ವಾರಿಂ ತಾಣೆ ಉಚಾರ್ಲ್ಯಾತ್. ಹೊ ಆದೆವ್ಸ್ ಹಜಾರೊಂ ಕೊಂಕ್ಣಿಲೊಕಾಂ ತರ್ಫೇನ್ ಚಾ.ಫ್ರಾ ಬಾಬಾಚ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಥಳಾ ಅರ್ಪಿತ್ ಕರ್ತಾಂವ್.

ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್, ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ.
ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್ ಸಾಂಡುನ್ ಆತಾಂ?
ತೊಡುನ್ ಕಾಡುನ್ ಪರ್ನಿಂ ಘುಡ್ಯಾಂ
ಜೊಡುಂಕ್ ಶಿಕವ್ನ್ ನವಿಂ ಬಾಂದ್ಪಾಂ
ನವ್ಯಾ ದಿಶ್ಬಿನ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಫಾಲೆಂ ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ

ಕೀರ್ ಕೊಗುಳ್ ಕಾವ್ಳ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಲ್ಯಾ
ಆಶಾ ಖಿಶ್ಯೊ ಆಸಾ ತಶ್ಯೊ
ವಾಚುನ್ ಸಾಂಗ್ಪಿ ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ.

ಗೊರುಂ ಬೆರುಂ ಮೆರುಂ ಮಾಂಕ್ಡಾ
ಕುಸ್ಶ್ಯೊ ಮಸ್ಶ್ಯೊ ಉಗ್ತ್ಯಾನ್ ಉಸ್ತುನ್
ಶಿಸ್ತೆನ್ ಗುಂತುಂಕ್ ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ
ಗೊಂಡ್ಯಾ ಬೊಂಡ್ಯಾ ಶೆಂಡ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾ
ಸೊಭಾಯ್ ಸುಂರ್ಗಾರ್ ಫುರಾಯ್ ರಂಗಾರ್
ಸುರಾಯೆನ್ ರಂಗ್ಪಿ, ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ

ಮಾಲಕಾಂಚ್ಯೊ ಗಡಾಮೊಡಿ, ಕಾಮೆಲ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ತಾಡ್ವೊಡಿ
ಕಾರ್ಮಿ ಕಾಂಚ್ಯೊ ಫಡಾಫಡಿ, ಭಿಂಯಾವಿಣ್ ಖಿಡಾಖಿಡಿ
ಕಿಡಂವ್ಕ್ ಆನಿ ಕೊಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಚಾಫ್ರಾ

ಜಿವಿತಾಂತ್ಲಿಂ ಸತಾಂ ಕವಿತೆಂತ್ಲ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ
ನವಿಂ ತಂತ್ರಾಂ ನವಿಂ ಸೂತ್ರಾಂ
ನಾಟಕಾನಿ ಪತ್ರಾಂನಿ ಉತ್ರಾಂವ್ಲ್ಯೊ ಮಾಂತ್ರಿಕ್ ಕೋಣ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ಼ಾ

ತುಜಾ ಮೆಟಾನಿ ಬಾರ್ಕ್ಯಾರ್ ಪಿಂದುಂಕ್
ತುಜಾ ಸಪ್ನಾನಿ ಅಕ್ಕಲ್ ಶಿಂದುಂಕ್
ತ್ರಾಣ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಖಂಯ್ ಆಸಾ? ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ಼ಾ

ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್? ಸಾಂಡುನ್ ಆತಾಂ ಸಾಂಗ್....ಸಾಂಗ್...ಸಾಂಗ್ ಬಾಫ಼ಾ.

मालकांच्यो घडामोडी, कामेल्यांच्यो ताडवोडी
धार्मिकांच्यो फडाफडी, भिंयाविण खडाखडी
किडव्कं आनी कोण आसा ? सांग चाफ्रा

जिवितांत्ली सतां कवितेंत्ल्या उत्रानी
नवीं तंत्रा नवीं सूत्रां
नाटकानी पत्रानी उत्रांन्चो मांत्रिक - कोण आसा ? सांग चाफ्रा

तुज्या मेटानी बाक्कार पिदुंकं
तुज्या सण्णानी अक्कल शिदुंकं
त्राण आम्का खंय आसा ? सांग चाफ्रा
खंय वेताय ? सांडुन आतां सांग .... सांग .... सांग चाफ्रा

ಸೊಂತಿಯಾಂ

ಚಾ.ಫ್ರಾ.ಚಿಂ ಕವಾಂ

561

1532
P-7KON
FRE

Acc. No.
975

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY